मासिक
बिम्ब
कोंकणी समाजाचें पडबिम्ब



विधानसभा वेंचणूक २००७

निमणें झूज - धर्मवादाआड !!!

गोंय घटक राज्याचें
20 वें पर्जळीत वर्स मनयता

भारतांतलें सगळ्यांत सुपुल्लें राज्य - गोंय

आयज 30 मे दिसा घटक राज्याचो 20 वो वर्सुकी दीस मनयता.

वेगळे अस्मितायेचो हावेस

दवरपी गोंयकारांनी चड तेंपासावन पळयिल्लें सपन घटक राज्यान पुराय केलें.

'सगळ्यांक घटक राज्य दिसाचीं परबीं'

Issued by:
Department of Information and Publicity
Government of Goa

कोंकणी मासिक
बिम्ब

वर्स : ६ अंक ०६

जून २००७

मोल १० रुपया

मुखेल संपादक
दिलीप बोरकार

मुद्रक आनी प्रकाशक
दिलीप बोरकार

छापणावळ
सह्याद्री ऑफसेट, खोर्ली-तिसवाडी

मार्केटींग व्यवस्थापन
कामिनी किणी

अक्षर जुळवणी आनी मांडावळ
श्वेता नाईक

भुरग्यांआंगण संपादन
नयना आडारकार

वर्गणीचे दर
वर्सुकी २०० रु. / तीन वर्सां ५५० रु.

खंयच्याय म्हयन्या सावन
वर्गणीदार जांव येता. वर्गणीचो चेक
'बिम्ब' ह्या नांवान धाडचो

संपादकीय पत्रवेव्हाराचो पत्तो
जी.एस.बी.-३, हाऊसिंग बोर्ड कॉलनी,
पोस्ट आल्त-पर्वरी,
आल्त बेती - ४०३ ५२१
दूरध्वनी : (०८३२) २४११५९४
E-mail : bimbkonkani@yahoo.com.in

ह्या अंकात उक्तावल्ले विचार त्या त्या बरोव्प्याचे आसात. संपादक मंडळ ताचेकडेन सहमत आसतच अशें ना.

(५)

निमणें झूज-धर्मवादा आड!!!
- राजू नायक

संपादकीय /३
प्रतिबिम्ब /४
गोंदू - न. ध. बोरकार /११
पडवेर - सम्राट बोरकार/१५
कथा - सुरेश कामत सातोस्कार/१७
पासय - फिलोमिना सां. फ्रांसिस्को/१९
भुरग्यांचें आंगण - आयुषी शेटये, दोतोर (मेजर) प्रकाश शेटये, इंदू अशोक गेरसप्पे, राजश्री सैल, भिकाजी घाणेकार, सदानंद तेंडुलकार, /२०
दिका - विन्सी क्वाद्रूस /३१
मनसंवेदना - कालिदास सावकार, संदेश बांदेकार, सुनील पालकार, प्रितेश मंगेश परसाई, दिपा दिलीप खोलकार, मंगला नागराजन, मिनीन आल्मेदा/३३
कथुली - राहूल कामत /३६
सुवादीक - / ३८
दायज - फादर मोरेन द सौजा/४०
भलायकी - वंदना धुमे / ४४
उतरकुवाडें - /४५
पडवेर - वामन विष्णू कामत/४६
वैचारीक - रवीन्द्र केळेकार/४८
काळचक्र - /५३
हरयाळी - महेश दिवेकार/५४
एक हायली फिलॉसॉफीकल कॉलम - दिलीप बोरकार/५५

IS: 14543
CM/L-7369790

Contents: 20 Ltrs
M. R. P. :Rs. 60/-
Best within 2 Months from
Date of manufacture.

MICRON FILTERED
Golden Goa!
AQUA STERILIZED

RO & SILVER IONIZED
UV TREATED

STORE IN A COOL
DRY PLACE

Packaged Drinking Water

Mfd. & Marketed by PRACHI AQUA MINERAL PVT. LTD. Kundaim Industrial Estate Goa.

With Best Compliments
Yatin Parekh
Ph : 427811

THE
Little Collection
A GIFT SHOP
Gifts, Toy's & Novelties

Padmavati Towers, Shop No. 2,
18th June Road,
Panjim-Goa. 403 001

Councillor Ward No. 10
Panjim Muncipal Concil
Munpl. Off.: 223367
Little Conexion : 420550
Res. : 221623

Little Conexion
PREMIUM DEALERS FOR Airtel

संपादकीय

मत दान करूं नाकात, शस्त्र म्हणून वापरात!

२ जून २००७, गोंयकारांचो फुडल्या पांच वर्सांचो (धरून चलुया) राजकीय फुडार थारावपी दीस. ह्या दिसा गोंय राज्याच्या विधानसभे खातीर मतदान जावपाचें आसा.

मतदान म्हळ्यार लोकशायेंतलें सगळ्यांत पवित्र दान. तेच वांगडा सगळ्यांत सशक्त शस्त्र.

दान हें सत्पात्री करपाचें आसता. ना तर दानाचें पुण्य दान करतल्याक मेळना अशें आमी मानतात. दान ह्या उतराक आनी कृत्याक दुसरो कसलोच मापदंड नासता आनी पर्यायूय नासता. देखुनूच आमची संस्कृतायेंत व्होटींगाक 'मतदान' म्हळां. दान करपी कसली अपेक्षा मनांत बाळगी नासतना निर्विच्छ जावन, काळीज-मन सगळें एकवटावन सदळ हातान दान करता. दान तेन्नाच फळादीक जाता जेन्ना तें सत्पात्री जाता, म्हळ्यार योग्य सुवातेर वता.



आमी मतदानाक दानाची उपाधी दिल्ली आसली आनी तें दान सत्पात्री वतलें अशी अपेक्षा आसली तरी आयज हें लोकशायेंतलें पवित्र दान सत्पात्री वचना. त्या भायर तें दानूय उरूंक ना. ती जाल्या विकपाची आनी विकती घेवपाची वेव्हारीक बाब. भौतीक सुखांक पिसावल्ल्या, भोगवादी किड्यांच्या विकृत विचारसरणीक पोसवण दिवपी हळशिकावणी प्रक्रिया!

अशें आसलें तरी हे भोव गरजेचे प्रक्रिये पासून आमी पयस रावंक शकनांत. पयस रावून प्रस्न सुटनांत तर चडांत चड समस्या निर्माण जाता. मत दिवपी प्रक्रियेक आमी दानाची पदवी दिल्या ती आयज आपली मूळ संकल्पनां शेणोवन बसल्या आसली तरी लोकशाय तिगोवन दवरतलो जाल्यार हे प्रक्रिये पासून आमी कोणूच फारकत घेवंक शकनांत. फारकत घेतली जाल्यार आमी लोकशाय प्रणाली कडेन प्रतारणा करतात अशें जातलें.

मतदान हें एक पवित्र दान तशेंच तें लोकशाय प्रणालीन आमकां दिल्लें एक शक्तिमान शस्त्र. आमी लोकशायेंत मतदान प्रक्रियेंतल्यान आमचो प्रतिनिधी वेंचून काडटात. आमचे प्रस्न आमच्या प्रतिनिधी मार्फत विधान सभेंत मांडटात. आमच्या प्रतिनिधींचें तेंच कर्तव्य आसता. पूण आपल्या सुवार्था खातीर जर एखाद्रो प्रतिनिधी आपल्या कर्तव्याक जागना, आपल्याक मत दिवन वेंचून विधानसभेंत धाडिल्ल्या मतदारांकडेन प्रतारणां करता जाल्यार त्या प्रतिनिधीक परत आपोवपाचो, घरा बसोवपाचो वावर ह्या शस्त्राचो वापर करून करूं येता.

फाटलीं पांच वर्सां आमी आमच्या प्रतिनिधींचें काम पळयलां. तांकां आमी पुरायेन वळखल्यात. आज तेच परतून आमचे प्रतिनिधी म्हणून विधान सभेंत वचूंक सोदतात. ती संद घेवपा खातीर कांय जाणांनीं लाखांनीं आनी कोट्यानीं रुपया उमेदवारी मेळोवपाच्या नांवान पक्षाच्या जाळवणदारांक दिल्ले आसात. जांकां उमेदवारी मेळूंक ना ते पक्षाकडेन बंडखरी करून एका पक्षांतल्यान दुसऱ्या पक्षांत गेल्ले आसात वो अपक्ष म्हूण वेंचणुकेच्या आखाड्यांत देंवल्यात.

स्वताच्या बोल्सांतले दुडू खर्चून समाजसेवा करूंक तळमळपी हे समाजसेवक म्हळ्यार हे धर्तरेवेली आगळी वेगळी जात म्हणूंक जाय. बोल्सांतले दुडू खर्चून समाज सेवेचे व्रत गळ्यांत बांदून घेवपी ह्या समाज सेवकांचो खरो हेतू कितें आसा हाची आमकां सगळ्यांक कल्पना आसा म्हणटकच वेळ आयला आमच्या मतांचें दान करिनासतना ताचो शस्त्र म्हण वापर करपाचो.

आमचें गोंय १९६१ सालांत पुर्तुगेजांच्या चोपक्यांतल्यान मुक्त जाल्लें. फुडली वेंचणूक येतली तेन्ना गोंय मुक्तिच्या भांगरा सुवाळ्याचो दबाजो मनयतलें. ते वेळार आमचें गोंय जशें भांगराळें जाय तशें आमचें राजकारण आनी प्रतिनिधी सगळेंच भांगरा सारखें जाय. तें कळमेल्लें लोखंड आसूंक फावना. आमकां आमच्या सपनांतलें गोंय भांगर गोंय जाय आसत जाल्यार आतांच तें सारन मारून निव करूंक जाय.

ती संद आमचे मुखार २ जुनाक आयिल्ली आसा. ते संदीचो आमी योग्य वापर करून घेनात जाल्यार हें गोंय माफिया गँग वाल्यांचें जातलें! हें गोंय पावणेर काडपी दैत्यांचें जातलें! तें जावंक फावना जाल्यार आमकां लोकशायेन जें शस्त्र दिलां त्या शस्त्राचो वापर करून, आसात तातुंतले चडांत चड बरे वो उण्यात उणे वायट प्रतिनिधींक आमी वेंचून दिवंक जाय. दुडू खावयतल्यांक तांकां मतां मारून, वो एकलोय बरो ना म्हूण घरांत बसून तें जावपाचें ना!

म्हणटकच आमी २ जुनाक सगळे भायर सरूया. मत अधिकाराचें शस्त्र घेवन, नवें गोंय घडोवपा खातीर.

Dimas Cal

प्रतिबिम्ब

गोंयची याद जाली!

मा. संपादक,

बिम्ब मासिक घरा पावलें कीं आमचें मन फुलून येता. गोंयचो आनी कोंकणीचो होच संपर्क. दिसान दीस बिम्ब मासिकाचो दर्जो वयर चडत चल्ला. चड करून तुमचें जागृत सोशियल आर्टीकल्स, पर्यावरण, समाज, राजकारण हाचेय प्रॉब्लेम स्पश्ट उक्तावन सोल्यूशन फॉर प्रॉब्लेम्स ही खासीयत. पावला पावलार तुमच्या यत्नांक यश मेळत रावूं, हीच म्हजी मना पासून प्रार्थना.

एप्रिय म्हयन्यांत एक पत्र येवन पडिल्लें. पूण तबियत बरी नाशिल्ल्यान तें तशेंच उरलें. पयर चीट उघडून पळयत जाल्यार 'अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनाचें' पत्र. एक उलो. तोय कुडचडेच्यान. जंय हांव ल्हानाचें व्हड जाल्लें. काळजाक खरेंच पीळ पडलो. आमचे पप्पा-एच. रत्नाकर राव, जांकां लोक 'सावकार' म्हण वळखताले, तांकां आपली मोगाची भूंय, गोंय सोडून रावचें पडलें. कुडचडे काकोडेच्या यादीन केन्नाय जीव तळमळटा. पूण वचन दिसना. आयज थंयच्यान अचानक ती चिट पळोवन आश्चर्य जालें. सारकें पळयत जाल्यार पत्र पावूंक आनी उतर बरोवंक वेळ जावन गेल्लो. मनांतलो उमाळो अक्षरांत बरोवन काडलो. घडलें-एक कवन.

तुमकां सगळ्यांक शुभेच्छा.

- इंदू अशोक गेरसप्पे
बेंगळूर
फोन : ०८०-२५३५०२८०

मतदारांनीं हे खेप शादूर रावचें.

संपादक,

गोंयच्या विधान सभेची वेंचणूक जून म्हयन्याच्या २ तारखेक जातली. त्या दिसा मतदानाक लोक मोठ्या उमेदीन भायर सरतले आनीक ते मत मारूंक वच्चे पयलीं तुमचो म्हळ्यार आमचें बिम्ब मासिक ह्या मतदारांच्या हातांत पडटलें अशी अपेक्षा बाळगून हांव ही चीट बरयतां.

तुमचें मासिक समाजाक एक आगळी दिका दिवपा खातीर वावुरता अशें आज मेरेनचे अंक चाळल्या उपरांत म्हजो समज जाला आनी म्हजे हे विचार वेंचणुके आदीं मतदारांकडें पावचे अशें म्हाका दिसता.

आमी आमचें गोंय आदर्श राज्य जांवचें अशें आवंडेतात आनी तुमचे सारखे ध्येयवादी लोक बरोवपांतल्यान, सभेंतल्यान लोकांक विचार दीत आसतात. पूण कितलेंय जालें तरीय हो सगळो वावर रेवेंत उदक ओतिल्ले वरीं जावन खंयचे खंय कांयच घडिल्लें दिसना. आयज राजकारण हें बऱ्या लोकांचें उरूंक ना. जाणी हाका ताका नागोवन दुडू केल्यात ताणीं आतां तो चड करून भांडवल म्हणून राजकारणांत घाला. आयज जे कोण राजकारणांत भितर सरतात तांची लायकी कितें? तांची विचारसरणी कितें?

फक्त दुडू आसात म्हणून ते मनीस! त्याच दुडवांच्या नेटार हे घाणयारे लोक समाजाचे फुडारी जावन आपल्याक समाजसेवक, विचारवंत मानून लोकांक शाणपणां सांगतात. तेन्ना ह्या सगळ्या लोकांक तांची खरेली सुवात दाखोवपाचो वेळ आयला. आपल्या मतांच्या अधिकाराचो वापर करून ह्या लोकांक तांची खरेली सुवात दाखयतले म्हणपाची आस्त हे वेचणुकेक आमी बाळगुवपाची?

आमकां खूब करीन दिसता. पूण हे राकेस आमचें सगळें कार्य निर्फळ करता. ह्या लोकांकडल्यान सोडवण मेळोवपाक वेंचणूक आनी मतदान होच एक उपाय आसा हाचें भान हे खेप तरी गोंयचे सुजाण जनतेक उरतलें?

-प्रतिभा अस्नोडकार
वास्को

संपादक,

बिम्ब मासिकांत आशिल्लें सगळें साहित्य मनांक भुलोवणें घालून वता. मे म्हयन्याच्या अंकांतली गांधीगीरी आनी काँग्रेस आपलोच फोंड खणटा तरी वयर सरूंक संद आसा ही शिर्शकथा आवडली. काँग्रेस हो पक्षूच असो आसा कीं त्या पक्षाक एक व्हड परंपरा आसा. हो पक्ष नेहरू-गांधीचो. आयज जरी हो पक्ष गांधी घराण्या पुरतोच मर्यादीत उरला तरी... ह्या ओळींनीं म्हाका म्हज्या गोंयचे पयले वयले मुखेलमंत्री भाऊ साहेब बांदोडकार हांची याद करून दिली. ताणें पळयिल्लें गोंयचें सपन तांच्या उपरांत साकार जातलें काय असो प्रस्न गोंयचे हेर सुजाण जनते वांगडाच म्हाकाय पडटा.

आयज गोंयची सुजाण जनता भाऊ सायबांचें सपन साकार करपाक आपणा पासून सुरवात करतली अशी आशा दिसता. देखून तांच्या कश्टांक यश लाभूं.

- प्रितेश मंगेश परसाई
हरमल-पेडणे

शिर्षकथा

निमणें झूज – धर्मवादाआड!!!

– राजू नायक

दोन जूनाक जावपी गोंय विधानसभेच्यो वेंचणुको साबार नदरांनी म्हत्वाच्यो आसात. हे वेंचणुकेंत सगल्यांत म्हत्वाचे दोन प्रस्न आसात. भ्रश्टाचार काय धर्मवाद?

भाजपान हें सामकें जीवन-मरणाचें झूज केलां. मनोहर पर्रिकारांच्या हातांत सत्तेची सुत्रां सोंपोवपा खातीर भाजपान आपणाली सगळी संघटणा कामाक लायल्या. विश्व हिन्दू परिशद, आरएस्एस् ते भायर कसल्यो कसल्यो परिशदो नेटान पेंगट बांदून कामाक लायल्यात. भाजपाची खरी प्रचार यंत्रणा म्हळ्यार अफवांची फॅक्टरी! तिणें फाटल्या कांय म्हयन्यांत बावड्याचें भरपूर प्रॉडक्शन केलां.

ते तुळेन काँग्रेस सुस्त आनी बेसावध (सदचेवरी!). भाजपान काँग्रेसीचे मोहरे पळयल्यात (सदचेवरीच.) चर्चिल आलेमांवाक पक्ष सोडूंक लायला. ताका सगळे तरेचो आदार केला. ताका काँग्रेसीचीं मतां फोडूंक साश्टींत सगळ्याक उमेदवार उबे करूंक लायल्यात. चर्चिल पर्रिकारांच्या खांद्याक खांदो लावन ही वेंचणूक लडटा.

दुसरे वटेन युगोडेपाकूय पर्रिकारान फुलयल्या. फाटले खेपे खरें म्हळ्यार पर्रिकारान ह्या पक्षाचे दोंके मोडून घाल्ले. म्हळ्यार, ह्या पक्षाचे दोनूय आमदार उबारिल्ले. बाबूश माँसेरात आनी मिकी पाशेको. काँग्रेसीन ह्या दोनूय उमेदवारांक तिकेटी नाकारिल्ल्यो. तेन्ना युगोडेपान तांकां उमेदवारी दिल्ली. दोगांयकूय पर्रिकारान दावें घालून भाजपांत व्हेल्ले. तिसऱ्याक हुंबऱ्यार उबो केल्लो. तेन्ना युगोडेपाचे जाळवणदार प्रशांत नायक बी सांगताले, आमी हे फुडें असल्या फटिंगांक तिकेटी दिवचेनात. तिकेटी दितना चड सादूरताय बाळगितले. पूण अशें म्हणटात, युगोडेपाच्यो तिकेटी खंय मडगांवां आबाद फारिया मार्गार पावणेर काडटात. अंदूय त्यो काडल्यात. युगोडेपा काँग्रेसीचीं मतां फोडुंकूच हे वेंचणुकेंत देंवल्या. तांणी बाबूश आनी ताचे घरकान्नीक तिकेटी दिल्यात. ह्या पक्षाक कसलींच तत्वां नात, आनी, ताणें खरो कोणाक आदार केला आसत जाल्यार तो पर्रिकाराक केला! आनी हें करतना फुडाऱ्यांनी आपणालीं बोल्सां भरून घेतल्यांत!

पर्रिकार कितलो फीन तें पळयात!

पर्रिकारान चर्चिल आलेमांवाची केल्या आसतली तितली बदनामी आनीक कोणाची केल्ली नासतली. बाबूश माँसेराताक लागून ताणें काँग्रेसीक कितली लजेक घाल्या. आनी युगोडेपाचोय पुराय खातमा केला. (युगोडेपाचो तिसरो आमदार माथानी साल्दान्य भाजपांत गेलोना, पूण पांचूय वर्सां त्याच कळपांत निष्ठेन रावलो.) तरीय हे पक्ष काँग्रेसीक गाळी संवतात आनी पर्रिकाराक आदार करूंक मुखार सरतात.

चर्चिल आलेमांवान जाल्यार म्हापशेंचे सभेंत जाहीर केलां

– पर्रिकाराक हांवें उडयलो हें हांवें खूब वायट काम केलें. तें सरकार काँग्रेसीपरस खूब बरें आसलें. तें उडोवन हांवें चूक केली! आलेमांवान स्वताक क्रॅडीट घेतलां. पूण पर्रिकार सरकार ताणें कितलें उडयलां हें सगळे जाणात. दिगंबर कामतीक काँग्रेसींत हाडपाचें श्रेयूय तो आपूण घेतालो.

चर्चिल मुखांच्या नंदनवनांत रावता आसत, पूण लोक – गोंयचे सुजाण मतदार- रावतात व्हय?

चर्चिलाची सेव्ह गोवा, युगोडेपा, माँसेरात आनी ताचे फुडें वचून सांगचें जाल्यार मगोप लेगीत आयज सेक्युलर मतां फोडून पर्रिकाराक आदार करूंक सोदता, मगोपन जाल्यार पर्रिकारांकडेन सरळ डील केल्या म्हणटात. सरकार घडोवपा वेळार भाजपाक तेंको दिवपाची. माँसेरातूय पर्रिकाराक पयलो अग्रक्रम दितलो. युगोडेपा आनी चर्चिल खंयूय वतले. हे दोनूय पक्ष 'सेव्ह गोवा' म्हणटात. पूण गोंय विकूंक पावणेर काडूंक तेच मुखार आसले आनी माँसेरात ही युगोडेपाची निर्मणी. मागरिट आल्वानूच जाहीर केलां, चर्चिलानूच आपणाची माँसेराताकडेन भेट घडोवन हाडिल्ली.

आनी पर्रिकारूय इतलो बदनाम जाल्ल्या माँसेराताकडेन हात मेळयता. ताणें मॅरियॉटांत माँसेराताकडेन बसका घेतल्या हें पणजेकार सगळे उलयतात.डील कितें! माँसेरातान ताका पणजे तेंको दिवचो आनी बदल्यांत पर्रिकार ताका दोन कडेन आदार करतलो – ताळगांवा आनी सांताक्रूझ. म्हळ्यार, पर्रिकारान आपूण जिखून येवपाक सगळे कडेन तडजोड केल्या. आतां तो चतूर. तो खरोच माँसेराताक आदार करता काय ताचे फाटींत चाकू रोमता तें पळोवचें पडटलें. माँसेरात मात काँग्रेसीच्या रागान पिसो जाला.

'गोवा बचाव आंदोलन' ह्याच काळात उबें जालें. नागरी स्वातंत्र्याची ही एक ज्वलंत देख! पर्रिकार सरकार आसतना अशें आंदोलन जावं येतालें व्हय? म्हाका दिसता, पुलिसेचो दांडो ताचे तकलेर बसपाचो. पर्रिकार छाती फुडें काडून सांगत भोंवपाचे ''हांव गॅरेंटी दितां, हो आराखडो एकदम बरो. पूण समाजकंटकांक तो नाका!'' आनी ते गोंयभर तो आराखडो कितलो बरो तें सांगून माँसेराताची फाटराखण करपाचे!



– पर्रिकाराक हांवें उडयलो हें हांवें खूब वायट काम केलें.

ताणें पणजेंत आपणेंच उबो दवरिल्ल्या दिनार तारकाराआड मोहीम सुरू केल्या.

पर्रिकार खरोच हुशार, ताणें सामके फिशालकायेन गोंयांतली सेक्युलर मतां फोडल्यांत. हांव मानता, गोंयांतले अल्पसंख्य सेक्युलर. आनी ते तशे नासत जाल्यार सेक्युलर जावपा भायर ताचेकडेन पर्याय ना. हिन्दूंतलो सुशिक्षित-सुजाण घटक आनी अल्पसंख्य हांची युतीच गोंय सांबाळूंक शकता, आनी ही शक्त सेक्युलर बुन्यादीचेरूच उबी रावंक शकता. गोवा बचाव अभियान ही ताची ज्वलंत देख. सगल्या सुजाण समाज घटकांनी आमचें गोंय सांबाळून दवरपाखातीर केल्ली ही आघाडी.

अश्या वेळार प्रस्न विचारतात धर्मांध काय भ्रश्ट?

हांव म्हणन, भ्रश्ट परवडले , धर्मांध सामके नाकात. कारण धर्मांधतेचे तुळेन भ्रश्टाचार ना करप सोंपें. धर्मांधता गोंयचो पारंपारीक एकवट इबाडटली. सासणाची दुस्वास निर्मितली. हांगा दुबाव आनी अविश्वासाचें वीख पेरतली. हें वीख एकवेळ रुजलें, ताणें पाळां-मुळां धरलीं की तें कशेंच हुमटावंक मेळचेंना. अशें गुजरातांत जालां. गुजरात ही भाजपाची प्रयोगशाळा. भाजपानूच तशें जाहीर केलां. तसलें गुजरात खंय ताका भारतभर निर्मुपाचें आसा.

गुजराताचें चित्र म्हज्या दोळ्यांमुखावेल्यान कशेंच हालना. गुजरात दंगलीवेळावेल्यो दूरचित्रवाणीच्यो खबरो, तीं चित्रां तुमकां याद जायनात? रगता मासाचो रेबो मातिल्लो आनी मनीसपणाकूच फांसार दिल्लें. आजून नरेंद्र मोदीचो मद जिरना आनी भाजपा फुडारपणाक तोच खरो हिरो कसो दिसता. आतां तें फुडारपण खंय पर्थून 'ज्वलंत हिन्दुत्ववादा'ची देख दोळ्यां मुखार दवरतलें. उत्तर प्रदेशांतले वेंचणुके उपरांत तांणी हिन्दुत्वाक पर्थून नेट हाडल्यार अजाप दिसचें न्हय!

गोंयांत ह्या धर्मकोल्ली हिन्दुत्ववादाचो प्रयोग जावंक ना?

रमेश देवाची सीडी कितें म्हणटाली? बिशप हावजांत धुमशेणां कांडपी संघाच्या वावुरप्यांची मोख कितें आसली? पणजेंतल्यो अल्पसंख्यांकांच्या नांवाच्यो पाटयो फोडपा फाटलो हेत कितें आसलो?

हालींच्यो देखी पळयात –

कुडचडच्यार दंगल कित्याक जाली? काकोड्यां हिन्दू देवतांच्या मुर्तींचो विध्वंस करतकीर प्रतिक्रिया कितें आसल्यो? ह्या करण्यांफाटलो सुत्रधार कोण आसलो?

मडगांवच्यो घडणुको तर सामक्यो ताज्यो आसात –

मडगांवां वेपाऱ्यांनी बंद पाळटकीर दुसऱ्या दिसाय बंद पाळपाची कसली गरज आसली? हो बंद कोणें ताब्यांत घेतलो? बंदाच्या काळांत कोण धुमशेणां कांडटाले? अफवा कोण पातळायताले? दवर्ले मुस्लिम वस्तीचेर हल्लो करपाची येवजण कोणाची आसले? बंद सांजे सोंपतकीर आमची 'रंगोत्सवाची' संगीत कार्यावळ बंद करूंक कोण आयले? तांचो हेत कितें आसलो?

रंगोत्सवाचे कार्यावळीभाशेनूच मडगांवा 'सामाजिक एकवटाखातीर' आयोजित केल्लें व्याख्यान बंद उडोवपाफाटलें तर्कशास्त्र कितें आसलें?

ह्या सगल्या घडणुकांक एक सूत्र आसा. हांकां लोकांक खुबळावन घालपाचे आसात. हिन्दू तरनाट्यांच्या माथ्यांत धर्मकोल्लाची कीड घालपाची आसा. 'ज्वलंत हिन्दूत्ववादान' तांकां पिशे करपाचें आसा. आनी दंगली घडोवन 'ल्हान गुजराताची' निर्मणी करपाची आसा.

गुजराताचें चित्र म्हज्या दोळ्यांमुखावेल्यान कशेंच हालना. गुजरात दंगलीवेळावेल्यो दूरचित्रवाणीच्यो खबरो, तीं चित्रां तुमकां याद जायनात? रगता मासाचो रेबो मातिल्लो आनी मनीसपणाकूच फांसार दिल्लें.

धर्मकोल्ल्यांकडल्यान मशिदिचो विध्वंस



हांवें कितें केलां? -अडवाणी

मतांचें ध्रुवीकरण हो हाचेफाटलो खरो हेत!

खासा अडवाणीन रथयात्रेंतल्यान हो हेत साध्य करपाचो यत्न करूंक ना?

रथयात्रा जंयसावन गेल्या, थंय तांणी लोकांक खुबळावन घाल्यात. तांकां पिशेंपणां सांगल्यात. तरनाट्यांक फटीच्यो खबरो सांगून तांकां दुसऱ्यांच्यो तकल्यो फोडूंक लायल्यात. परिणाम – देसभर उसळिल्ल्यो दंगली आनी गुजराताची निर्मणी. ते उपरांत जेन्ना हो पक्ष सत्तेर आयला तेन्ना ताणें कितें केलां? ताणें लोकांचे प्रस्न सोडयल्यात? देसा सामकार आशिल्ल्या मुखेल प्रस्नांच्यो जापो सोदल्यात?

तांकां काश्मिरांत वचून बावटो हुबवप तरी जमलां? सत्तेर येवचे पयलीं तांची घोशणा कितें आसली? काँग्रेसीन आकांतवादाक जल दिलां आनी घटमूटपणान ताचो प्रतिकार करूंक ना. हीच न्हय? खरेपणी भाजप सत्तेर आयला तेन्ना देसा सामकारचे साबार असंतोश आळाबंदा आयिल्ले. काश्मिरचो एकूच प्रश्न भगभगतालो. तो सोडोवंक तर ताका जमूंक नाच, वेल्यान ह्या पक्षान, चड करून अडवाणीन, पाकिस्तानाचो प्रस्न आनीक कठीण करून दवरला! कसली गरज आसली, कसलीच येवजण नासतना मुशर्रफाक वेंग मारपाची? कारगील झुजावेळार जाल्यार देश घाळ रावलो हेंच सिद्ध जालां. आमची राखणे व्यवस्था तडजोड करत राविल्ली!

म्हाका काकुळट दिसता ह्या पक्षाची. ह्या पक्षाक आजून देसाचे प्रश्न सोडोवपाची चावी सांपडूंक ना. कारण हो पक्ष उखलापो. भाजपाकडेन कसलेंच धोरण ना. आर्थिक ना आनी विदेशीय ना. ताचेकडेन आसा फकत राममंदिर, आनी रामाचें नाव घेवन मनशां मनशांमदी धोशी घालपाचें तंत्र. दुस्वास निर्मुवप आनी रगत व्हांवोवप हें ताचे उद्दिश्ट! म्हळ्यार, कशींय तरी हिन्दूंचीं मतां एकेकडेन हाडप आनी त्या खुस्तार आपणाली भाकरी भाजून घेवप!

हेंच ध्रुवीकरणाचें राजकारण पर्रिकार गोंयांत खेळटा!

भाजपाचें सरकार गोंयांत चार वर्सां सत्तेर आयलां. ते आदीं हाका ताका मुखार काडून पर्रिकारानूच दोन वर्सां सरकार चलयलां. पूण गोंयच्या खऱ्या प्रस्नांक तांणी जाप सोदल्या?

गोंयची बेरोजगारी हो मुखेल प्रस्न. ताका जाप सोदपाचो यत्न तांणी केला? ना!

शेतीचो प्रस्न घेवंया. गोंयांत शेती काबार जाता. शेतां परवडना म्हणटात आनी ती पडंग दवरतात. ती रुपांतरीत करतात. बिल्डरांक विकतात. तांचेर काँक्रिटाचें रान उबें करतात. शेतां उरचीं, शेतींत नवे प्रयोग जावचे, पर्थून तरनाटे शेतांनी देंवचे, तांणी शेतां कसचीं, शेती उत्पादन करचें हो यत्न जाला?

पयलीं रवी नायकांचेर जमीन रुपांतरणांखातीर तुटून पडपी हो पक्ष बाबुश माँसेराताक घेवन बसलो. २०११ चो प्रादेशिक आराखडो तांच्याच काळांत सुरू जालो. शेतां-भाटां पाचवेंचार सैम, रानां-वनां हांचेर हावळ हाडपाची बियां ह्याच काळांत गोंयांत पडिल्लीं.

उद्देगीकरणाचें कितें जालें? उद्योग गोंयांत सारके चलनात. ते सारके चलूंक नाकात? तेखातीर घटमूट उद्योग-धोरण नाका? तें हाडपाचो यत्न जालो? पर्यावरणाचो सांबाळ करूंक यत्न जाले?

सत्तेचें विकेंद्रीकरण जालें? पंचायत-नगरपालिकांक चड

पर्रिकारान कठोरपणान, हुकूमशाय पद्धतीन हें सरकार चलयलें आनी आपणाआड येवपी विरोधी आवाज लोखणाच्या हातान चिड्डून उडयलो.

म्हणून असंतोश वाडलो. लोक घुस्मटले. पत्रकारांक जीव नाका जालो. सामाजिक वावुरप्यांची गची अंदली. सामाजिक आनी मानवी निर्देशांक सामको सकल्ले पातळेर पावलो.

आजून गोंय हे घुस्मटिल्ले अवस्थेंतल्यान भायर सरूंक ना. देखून हे वेंचणुकेंत जायते प्रशासकी अधिकारी भियेल्लेवरी वागतात. पर्रिकार पर्थून सत्तेर येवन आपणाक पिडटलो अशें तांकां दिसता.

अधिकार दिवन तांचेकडेन गावगिरें वेवस्तापन सोपयलें? प्रशासनाक खऱ्या अर्थान लोकांपासत संवेदनशील केलें? सार्वजनिक बांधकाम खात्यांतलो भ्रश्टाचार बंद केलो?... (काय ह्या भ्रश्टाचाराचें कायदेशीरपणान सुसूत्रीकरण केलें?) भलायकेचे प्रस्न सुटावे जाले? बांबोळे आनी मडगांवच्या हॉस्पिटलांची दुर्दशा जाग्यार घाली? गृहनिर्माण वस्त्यांची सुधारणा जाली?

शारांची वाड थांबली? गावगिऱ्या वाठारांतलें स्थलांतर बंद जावचें म्हणून यत्न केले? शारांतल्या कोयराचो विलो लावंक शास्त्रशुद्ध यत्नांचो ध्यास धरलो?

राजभाशेचें कितें जालें? नागरी-रोमी वादाक कोणाच्या काळांत पोसवण मेळ्ळी?

'विकासा'क लोक सहभागाची जोड दिली? विकासाक आयज आसा तीच भ्रश्टाचारमय आनी दुबावाची देग कित्याक तशीच उरली?

हांगा जे प्रकल्प येतात, तांचो गोंयाक - हांगाच्या मनशाक फायदो-लुकसाण हे नदरेन तपासणी करपी यंत्रणा कित्याक उबी जायना! पणजेंत चित्रपट महोत्सवाखातीर १५० कोटी खर्चिले. पूण तें करतना जनतेक विश्वासांत कित्याक घेतलीना? महोत्सव पणजेंतूच जावचो म्हणून हट्ट कित्याक धरलो?

सगल्यांत म्हत्वाचें म्हळ्यार, पर्रिकारान जो तथाकथित 'विकास' केलो, ताचो खऱ्या अर्थान लाव कोणाक जालो? गोंयच्या मनशाक हो विकास आफुडलो?

आनी सामाजिक मानवी मूल्यांचें कितें? लेखक, पत्रकार, संस्कृती मळावेले कलाकार हांकां सरकारी येवजणांनी आस्पावन घेतले? मानवी हक्कांची राखण जाली?

ना! ह्या चडशा प्रस्नांची जाप ना अशीच आसा. पर्रिकारान कठोरपणान, हुकूमशाय पद्धतीन हें सरकार चलयलें आनी आपणाआड येवपी विरोधी आवाज लोखणाच्या हातान चिड्डून उडयलो.

म्हणून असंतोश वाडलो. लोक घुस्मटले. पत्रकारांक जीव नाका जालो. सामाजिक वावुरप्यांची गची अंदली. सामाजिक आनी मानवी निर्देशांक सामको सकल्ले पातळेर पावलो.

आजून गोंय हे घुस्मटिल्ले अवस्थेंतल्यान भायर सरूंक ना. देखून हे वेंचणुकेंत जायते प्रशासकी अधिकारी भियेल्लेवरी वागतात. पर्रिकार पर्थून सत्तेर येवन आपणाक पिडटलो अशें तांकां दिसता. पोलिसांक जाल्यार पर्रिकारान बावलीं केलीं. तांकां विरोधी कार्यकर्त्यांक छळपाक वापरले? येद्याश्या खेमलो सावंताक धरपाक रातच्या २ वरांचेर २०० पोलीस धाडिल्ले!

ते तुळेन कॉंग्रेस सरकार 'सॉफ्ट सरकार'!

प्रतापसिंग राणे हांकां केन्नाच दिका नासली. वारें येता तशें तांचें सरकार चल्लें. पूण तांच्या काळांत अभिव्यक्ती स्वातंत्र्य आनी वृत्तपत्र स्वातंत्र्य घट उरलें. म्हणून खबरेपत्रां सरकाराचीं सगळीं उणेपणां-कुतां भायर काडूंक शकलीं. पर्रिकारांच्या काळांत हें जावप कठीण आसलें. विरोधी फुडाऱ्यांच्या म्हणण्याकूय तेन्ना खबरेपत्रांनी सुवात मेळ नासली. राणेंच्या काळांत मात पर्रिकार सदांच पयल्या पानार झळकले!

राणे सरकाराच्या काळाचें कोण समर्थन करचोना. हांवूय तशें करपाक धजना. ह्या सरकारान दिका नाशिल्लो कारभार केलो आनी मंत्री-आमदार कसलेंच धोरण नासतना फकत 'मोकाट सुटले'. फाटल्या सरकाराइतलोच भ्रश्टाचार जालो. प्रादेशिक आराखडोय ह्याच काळांत भायर आयलो. पूण लोक-आंदोलनाकूय ह्याच काळांत ओतो आयलो.

'गोवा बचाव आंदोलन' ह्याच काळात उबें जालें. नागरी स्वातंत्र्याची ही एक ज्वलंत देख! पर्रिकार सरकार आसतना अशें आंदोलन जावं येतालें व्हय? म्हाका दिसता, पुलिसेचो दांडो ताचे तकलेर बसपाचो. पर्रिकार छाती फुडें काडून सांगत भोंवपाचे "हांव गॅरंटी दितां, हो आराखडो एकदम बरो. पूण समाजकंटकांक तो नाका!" आनी ते गोंयभर

सेव्ह गोवा करपा खातीर एकठांय आयिल्लो संघ परिवार.

चर्चिलाची सेव्ह गोवा, युगोडेपा, माँसेरात आनी ताचे फुडें वचून सांगच जाल्यार मगोप लेगीत आयज सेक्युलर मतां फोडून पर्रिकाराक आदार करूक सोदता, मगोपन जाल्यार पर्रिकारांकडेन सरळ डील केल्या म्हणटात. सरकार घडोवपा वेळार भाजपाक तेंको दिवपाची. माँसेरातूय पर्रिकाराक पयलो अग्रक्रम दितलो. युगोडेपा आनी चर्चिल खंयूय वतले. हे दोनूय पक्ष 'सेव्ह गोवा' म्हणटात. पूण गोंय विकूंक पावणेर काडूंक तेच मुखार आसले आनी माँसेरात ही युगोडेपाची निर्मणी. मार्गारेट आल्वानूच जाहीर केलां, चर्चिलानूच आपणाची माँसेराताकडेन भेट घडोवन हाडिल्ली.

तो आराखडो कितलो बरो तें सांगून माँसेराताची फाटराखण करपाचे!

पर्रिकारांक लागींच्यान वळखुपी पत्रकार वा कार्यकर्तो तुमकां हे गजालीचें खरेपण दितलो. पर्रिकारान आपणाल्या वलयाचो, व्यक्तीमत्वाचो गैरफायदो अशे तरेन घेतला. ते खात्रीन प्रादेशिक आराखड्याचें समर्थन करपाचे आनी माँसेराताची प्रतिमा वयर काडपाचे! ते आराखडो मंजूर करून घेवपाचे. लोक आंदोलन चिड्डून उडोवपाचे एकूय विरोधी आवाज येवचोना हें पळोवपाचे.

काँग्रेस राजवटींत हें शक्य ना.

हे राजवटींत बिगर राजकी संघटना सक्षम आसता. सामाजिक वावुरपी क्रियाशील रावतात. म्हत्वाचें म्हळ्यार, काँग्रेस हो भाजपाभशेन, संघपरिवाराभाशेन घट बांदणी केल्लो पक्ष न्हय. हांगा विरोधी आवाज आयकुपाची वेवस्ता आसा. विरोधी गटाक काबार करून उडोवपाची माण्णी हांगा ना. काँग्रेसींतूच वेगवेगळ्या वृत्ती प्रवृत्तींचे लोक आसात. देखून पक्षांतले विरोधी, प्रतिरोधी रोखडेच उकताडार येतात. फुडारी आपणालो विरोध घेवन उकत्यार येवंक शकतात. ते खबरेपत्रांनी वतात. काँग्रेस फुडाऱ्यांचे विरोध आनी विरोधी मतां हांकां सार्वजनिक रूप मेळटा.

हांगा भ्रश्टाचारी मंत्री आनी फुडाऱ्यांचीं रुपडीं त्याच पक्षाचे लोक पिंजूंक शकतात. आवाज तरी काडटातूच. देखून चॅक्स अँड बॅलन्सीसची वेवस्ता आपसूक निर्माण जाता. भ्रष्टाचारी मंत्र्याक - आमदाराक पक्षाची उमेदवारी मेळची न्हय, तो जिखून येवचो न्हय म्हणून त्याच पक्षाचे वावुरपी वावुरतात. बंडखोरी करतात. ह्या विरोधी आवाजाची, बंडखोरीची खुबदां अतिताय जाता आसत, पूण मुळांत सगल्यांक आस्पावन घेवपाची ह्या पक्षाची तांक म्हत्वाची.

भाजपांत बंदिस्त वेवस्तेक लागून भ्रश्टाचार, गैरव्यवहार, अन्याय उक्ताडार येना. असंतोश चड वाडटा. आनी अन्याय मर्यादा हुपता.

हेच सामाजिक विकासाचे निकश म्हत्वाचे, अशें म्हाका दिसता. मानवी विकासाचे नदरेन तर ते खूब म्हत्वाचे आसात. गोंयाक ते चड लागतात. हांगाची समाजरचना सर्वधर्म समभाव हाचो सांबाळ चड म्हत्वाचो.

देखून हांव म्हणटां, भ्रश्टाचार परवडलो, पूण धर्मांधता नाका. मनशां तोडप नाका. हांगा एकचार आसा. भावपण आसा. तें तिगोवप म्हत्वाचें. आमचो हो जिणेचो दर्जो आमी सांबाळून दवरुंया!

***

हे शिर्शकथेचे लेखक राजू नायक हे एक जेश्ठ पत्रकार आनी दै. लोकसत्तेचे गोंयचे प्रतिनिधी जावन आसात.

नवलिका

गोंदू

फुटबॉल सर्त जिकोवन दाखोवप हें एक गोंदूलें निमित्त आसलें. इस्कोलांत जांव ना तर भायर समाजांत जांव, भुरग्यांकडे जाण्टे दुर्लक्ष करतात. तेंय बी ताची जाणविकाय आसून. तुमी भुरगे तुमकां कांयच कळना तुमी जाण्टे उलयतात थंय मदें तोंड घालूंक जायना. आमी सांगता तें तुमी आयकूंक जाय. तुमी व्हडले जातकच सांगात जाय तितलीं शाणपणां. जाण्ट्याकडच्यान भुरग्यांक अशें सर्रास आयकून घेवचें पडटा.

चडश्या भुरग्यांच्या बाबतींत तें खरेंय आसता. भुरग्यांक एकदां उलोवपाची सवलत दिल्यार ते शेफारतात. जाण्ट्यांक मान दिवपाक जाय हें ते विसरतात. तांकां जाय जाय तशे मेकळे सोडल्यार, माकडा हातांत कोलीत दिल्ल्या भशेन जाता.

अशें जरी आसलें तरी शेकड्यांत एक-दोन भुरगे अशे सापडटात कीं ते आपल्या कर्तुबांनी किर्तीवंत जावंक पावतात. इतिहास-पुराणाचीं पानां चाळळ्यार कितल्योशयोच देखी आमकां सापडटल्यो. आजय आमचें मदें सगळ्या मळांचेर अशी कितलींशीं रत्नां, माणकां-मोतयां शिपडलेलीं आसात. पूण तांची पारख करपाची तांक आमच्या समाजाकडे ना, हाचें चड वायट दिसता.

गोंदूचीच देख घेतल्यार आमकां कितें दिसून येता? एका पाद्रील्या इस्कोलांत व्हडल्या-व्हडल्या गिरेस्तांले भुरगे रूबाबान शिकूंक येतात. असल्या इस्कोलांनी चडशे भुरगे भपकेबाज आसतात. तांची नण्णी परस कण्णीच बरी हालता. हेर थातोमातोय बरो जाता. शिकपांत कशेय आसले तरी ते सकयल्या वर्गांतल्यान वयल्या वर्गांत कशे वचप हें सांगपी गुरूजन तांचे मजतीक आसतातच. असले तरेच्या भुरग्यांक सगले तरेच्या सर्तीनीं वांटो घेवपाक तांकां फुडें काडपाक गुरूजी फुडें येतात. तांची निवड जाता ती तांच्या गुणांक लागून न्हय. तर तांचीं तोंडांच पळोवन .

मात गोंदू असले भुरगे कोणाचेच नदरेन भरनांत. तांकां आपल्या आंगांतले गूण दाखोवपाक संदच मेळना. असले तरेचे भुरगे मनांतल्या मनांत स्वताक धोंसतात. तांचें कितलेंय खरें आसल्यार आपले विचार ते व्हडांमुखार मांडूंक शकनांत. मांडपाचें धाडस केलेंच जाल्यार तांचें आयकून घेवपाक वेळ कोणाक आसता? असल्या वोक्तार गोंदू असले भुरगे सुशेगाद बसूंक शकनात. ते विद्रोह करून उट्टात आनी हट्टाक पेट्टात. तांचो हट्ट हो समाजा खातीर आनी राष्ट्रा खातीर वरदान थारता.

इतिहास आनी पुराण साहित्याचीं पानां चाळून कोणेय पळोवचें. बाळ ध्रूव, भक्त पल्हाद, एकलव्य, अभिमन्यू, संत ज्ञानेश्वर, राम, कृष्ण शिवाजी ह्या सगल्यांनीं आपापलें भुरगेंपण गाजयलें. ते अमर जावन गेले.

आपले भुरगे चरित्र्यवान, शक्तिमान आनी समाजोपयोगी जांवचे म्हण तांच्या आवय-बापायनी जागृतायेन तांकां आदार दिलो. तांच्या गुरूजनानीय तांकां दोळ्यांत तेल घालून जपले. आतांचे सर तोपयो आनी आंतोनेत माडामी तांच्या विद्यार्थ्यांक कसलें वळण लायतल्यो, हाचो विचार समाजान करपाची आयज चडांत चड गरज आसा.

म्हाका अशें म्हणपाचें ना, की आवय-बापायनी सतत प्रयत्नांच्यो पराकाश्टा केल्यो म्हूण, ह्या देशांतले सगलेच भुरगे आमकां जाय तशे जातले. पूण जळामळा शिपडून आशिल्लीं माणकां-मोतयां पारखपाची तांक आमच्यांत आसूंक जाय काय ना?

आजचे शिक्षक-शिक्षिका, आवय-बापूय, धर्म-गुरू, राजकारणी बी सगळे वारें येता तशें सूप धरतात. सगळे सूख मेळटा थंय धावत सुट्टात. फुडली पिळगीय तांचेंच अनुकरण करता. ते शिवाय तांकां दुसरो पर्यायच आसना.

अशें आसलें तरी एकाद्रो गोंदू सगळ्या सुखांचेर खोंट मारून कितेंय तरी बरें करून दाखयतलो म्हण फुडें सरता. असले वक्तार तो कोणाचीच पर्वा करिना. केद्याय व्हडल्या वादळाक तोंड दिवपाचे तयारेन धिरान उबो रावता. आपूण जें कितें करपाचें येवजिता, तें पुर्णत्वाक हाडलेबगर सुखाची न्हीद घेना.

आमचो गोंदू आज देमायज सुखावला. आपणें मनांत हाडल्यार आपूण खूब कितें करूंक शकतां हें ताका आतां कळून आयलां. सूख हें फकत बरें बरें खावपा जेवपांत आनी न्हेसपा पांगरूपांत आसता ही गजाल फट म्हणपाचें ताका कळून आयलां. इतल्या ल्हानपणांत असले व्हड विचार थोड्यांच्याच मनांत येतात. तांतलो गोंदू एक, अशें म्हणपाक कांयच हरकत ना.

फुटबॉल खेळांतल्या जैताक लागून गोंदूक आतां भलतोच नेट आयिल्लो. ल्हानपणांत लेगीत आपूण व्हडलीं कामां करूंक शकतां, हाची जाणविकाय आतां ताका जावंक लागिल्ली.

फुटबॉल खेळाच्या जैताक लागून ताचे दुस्मान आतां खूब नरम पडिल्ले. तोपचो सर, पी. टी. सर आनी आंतोनेत माडामीन आतां हे फुडें गोंदूचे वाटेक न वचपाचें थारायल्लें. क्लासांतल्या भुरग्यामदें तर तो दिशीं दिशीं अँग्री मॅन जायत वतालो. अभ्यासांत तर ताची एकसारखी प्रगती जायत आसताली. गोंदूचें यश आनी ताची कसलेंय काम करपाची खुबी पळोवन हेर भुरगे ताचो आदर करूंक लागिल्ले. भुरग्यांच्या पालकां मदेंय गोंदूविशीं सतत चर्चा चलताली हाची जाणविकाय गोंदूक आशिल्ली. ताका लागून गोंदू आतां चडच जबाबदारयेन वागूंक लागिल्लो. तूं ह्या संवसारांत आयला तो फकत खावन जेवन मजा मारूंक न्हय तर लोकांक बरी देख दिवंक अशें कोण तरी ताच्या मनांत सांगत आसतालो. तशें पळोवंक गेल्यार सगळ्या भुरग्यांच्या मनांत एक अशें तत्व आसता, की तांकां वायट-बऱ्याची जाणविकाय दीत आसता. भुरग्यांक आपणें बरें तेंच करचें अशें दिसता. पूण ताच्या सरभोवतणी वावरूपी वायट मनशांच्या चेपणान ते वयर सरूंक पावना.

आतां हे वायट मनीस कोण? भुरग्यांक देख दिवपी तांचे आवय-बापूय आनी शिक्षक. हाणीं भुरग्यांचो फुडार बरो करपा खातीर स्वता बरे रावपाक नाका? तांकां वायट बऱ्याची जाणविकाय आसूंक नाका? जे आपली जापसालदारकी सांबाळीनांत, तांकां बरे कोण म्हणीत?

आयज आवय-बापायक आपले भुरगे ह्या स्वतंत्र देशाचे बरे नागरीक जावचे अशें दिसता. आनी बरे नागरीक म्हळ्यार कसले नागरीक? दोतोर, इंजिनियर, आदोवगाद, सी. ए. आनी व्हडल्या हुद्यांचेर काम करपी सरकारी चाकर. बऱ्या नागरीकत्वाची मर्यादा आवय-बापायच्या हिसबान इतलीच आसता. शेतकार, नुस्तेकार, पाडपी, खणपी, पिंतोर, मॅकानीक, प्लंबर, वायरमेन बी बरे नागरीक न्हयच अशें तांचें मत्त. देखून तांकां फाव तें शिकप दिवपाक कोणय सट करून फुडें येनात. खरें म्हणल्यार हो व्हडलो भ्रश्टाचार. हेंच कित्याक, शिकिल्ल्या व्हकलांकय दोतोर इंजिनियर ना जाल्यार खोऱ्यांनी दुडू ओडटात तसले न्हवरे जाय. हीं कितें बऱ्याचीं लक्षणां?

कांयच काम करिनासतना झेतार मुस्तायकी घालून भोवपी तरणाट्यांक मान! शेतां-भाटांनी घाम गळोवन काम करतल्यांक लग्न जावपाक व्हकलो मेळनांत. ताका लागून कश्टांचीं कामां करूंक गोंयचे तरणाटे झुडून फुडें येनात. हें अशेंच फुडेंय चलत रावलें जाल्यार गोंयकारांची धडगत ना, असले विचार गोंदूच्या मनांत घोळूंक लागले.

गोंदूची कूड दिशीं दिशीं वाडत वताली, तशें ताचें गिन्यानय वाडत वतालें. गिन्याना वांगडा ताचें चिंतपूय वाडटालें. हेर भुरगे खेळटा बागडटात. एकामेकाचीं फकणां करतात. थकतकच तांचें ध्यान-मन खावपा-पिवपाचेर थीर जाता. आनी गोंदू? गोंदूच्या मनांत विचारांचें गिरगिरें घुवूंक लागतकीर खंयच्याय एका झाडाचे सावळेक ना तर फातरार बसून चिंतीत रावता तो!

मनशांक, चड करून भुरग्यांक विचार करपाची सवंय लागतकच तांचें मन धाय दिकांन धावूंक लागता. पूण मनाक आळबंदाक हाडून ताका फाव ते दिकेक वळोवन तें नियंत्रणाक हाडपाची कळा थोड्यांकच जमता. गोंदूक ती बरेबशेन जमिल्ली.

गोंदू आपल्या क्लासांतल्या भुरग्यांचें चित्तालो, क्लासींत शिकोवपी सगळ्या शिक्षकांचो, इस्कोलांतल्या हेर चाकरांचोय नियाळ करतालो. तांच्यांतले बरे गूण आत्मसात करून वायट तितलेंय भायर मोखतालो.

गोंदूच्या मनांत आतां कितल्याशाच येवजण्यांनीं खोपी केल्ल्यो. म्हत्वाच्यो येवजण्यो एकठांय करून तांचो ताणे क्रम लायिल्लो. आपलें घर सुदारपाची ताची येवजण आसली. तिका ताणें पयल्या क्रमांकाचेर हाडली.

गोंदूक दिसतालें, आपल्या आवय-बापायन गांवांत बरे रेस्पेदान वावुरचें. आपली आवय हावरट, पिसांट आनी मंद बुद्दीची. तिच्या ह्या वायट गुणांचो फायदो गांवचो देसाय घेता. आपल्या बापायक फुसलावन ताका संवसारापसून जाता तितलो पयस दवरपाचें काम होच देसाय करता. असल्या ह्या दुश्ट आनी नाड देसायाक लिसांव शिकोवपाचीय मोख गोंदून आपल्या दोळ्यां मुखार दवरली. ते उपरांत गोंदून थारायलें आपले काकीचो संवसार जाग्यार घालपाचो. काकीक पूत ना. आसात त्यो धुवो. तांचीं लग्नां करून दिवपाची जापसालदारकी कोणाची? गोंदूचीच न्हय? गोंदू तांचो बापोल भाव जालो म्हूण कितें जालें? गोंदूक पूण सख्ख्यो भयणी खंय आसात?

तशें पळोवंक गेल्यार गोंदूल्या घराब्यांत आतां शाणीं मनशां म्हण्टात तीं दोनूच आशिल्लीं. गोंदू आनी राणाव काकी. गोंदूचें काकीचेर चड प्रेम आनी काकीचो गोंदूचेर चड विश्वास. फुडाराक कितेंय घडलें, तरी आपले काकीची आनी बापोल भयणांची राखण करप, हें आपलें पयलें कर्तव्य, अशें गोंदू मानतालो.

गोंदूलें आपल्या भयणांचेर पुराय लक्ष आसतालें. आपल्यो भयणी पावलूल्या भयणी प्रमाण स्मार्ट आसच्यो अशें ताका दिसतालें. आपल्यो भयणी स्मार्ट आसच्यो पूण तांणीं हेर भुरग्यांभशेन नखरे करचे न्हय अशेंय ताका दिसतालें. आपल्या गावड्या समाजाकडेन जोडलेली नाळ तोडिनासतना आपल्या भयणांचो सर्वांगीण विकास घडचो, अशेंच दिसतालें गोंदूक. इतलेंच न्हय, तर आपूण स्वता आपल्या समाजापसून पयस रावनासतना आपणें व्हड जावचो, अशें दिसतालें ताका.

व्हडपण आनी व्यक्तिविकासाचो प्रस्न आमच्या मुखार उबो रावता तेन्ना, चडशा भुरग्यांमदलें आयतें खाऊपण तकली वयर काडटना आमकां दिसता. तांकां आळबंदाक हाडूंक, तांचेर नियंत्रण दवरूंक तांच्या आवय-बापायक आनी समाजाक बरेंच कठीण वता. मार-बडय, कितेंय कर पूण आपल्याक जाय तें मेळय, अशी चडश्या भुरग्यांची वृत्ती आसता. हे आयतेंखाऊ भुरगे फुडाराक आळशी आनी स्वाभिमान नासलेले निपजतात.

गोंदू जातीन गावडो आशिल्ल्यान ताका बऱ्योच सरकारी सवलती मेळटाल्यो. गणवेश, पुस्तकां, फी माफी बी मेळोवपा खातीर आवेदना भरचीं पडटात. ह्या आवेदनपत्रांत भुरग्यांनी आपली जात कसली ती बरोवची पडटा. ह्या आदीं गोंदून गावडो म्हण ह्यो सवलती मेळयल्यात.

गोंदूक आपूण गावडो म्हूण सांगपाक मातय लज दिसनासली. ताका आपले जातीचो अभिमान आसलो. पूण जातीच्या तेंक्यान कितेंय फुकट खावप हें तो पाप समजतालो. ह्या आदीं कितें घडलें तें घडलें, पूण ह्या फुडें आपूण जातीच्या आदारान कसलीच कोणाकडल्यान मजत घेवचो ना अशें ताणें मनांत पक्कें केलें. गोंदून एकदां थारायलें तें थारायलें. मागीर तातूंत चडसो बदल घडप गोंदूल्या तत्वांत बसना. घडये विचारांत बदल घडोवन हाडप हें बऱ्या मनशांचें लक्षण न्हय, ही गजाल गोंदू हरिमास्तराकडल्यान शिकिल्लो.

सरकारी सवलत न्हयकारच्या आदीं गोंदू आपले काकीकडे उलयलो. कित्याक गोंदूल्या शिक्षणांत मजत करपी तीच आशिल्ली. गोंदूक आनी आपल्या धुवांक कोणायकडच्यान मजत मेळिल्ली तिका जायच आसली.

''काके, हे वर्सा म्हाका युनिफोर्म तूं शींव आं.''

''कित्याक रे, इस्कोल दिवचें ना ओंदू.''

''दितोलें गे.''

''माजीर तूं नाहां कित्याक म्होण्टा रे. इस्कोला कोडच्यान मेवल्यार आमकां मात्शें बोऱ्याक पोडचेंना रे!''

''तोसें न्होय गे काके, हांव कितें म्होण्टां, हे फुडें आमी मानान जोगल्यार बोरें न्हो? गावड्यां म्होणोन घेवन लोकांफुडें हात फांफडोवप बोरें दिसोना म्हाकां.''

काकी हुशार आसली. गोंदूक कितें म्हणपाक जाय तें ती खिणांत समजली. तिकाय लोकांमदें गावडी म्हणून जगप मानवनासलें. हेरां गावड्याबशेन आतां तीं नासलीं. घोव मेल्या उपरांत तिणें आपल्या भुरग्यांमदें सुधारणा घडोवन सगळे तरेची काळजी घेतिल्ली. आपल्यो आज्ज्यो देटली न्हेसण न्हेसून बुरशो रावताल्यो. ते दीस आतां उरूंक नासले. आतां सगळोच समाज बदल्ला. आपल्या वांगड्यो बायलो बामणा शेटयांबसेन साडयो, चुडीदार बी घालूंक लागल्या. मनांत हाडल्यार सगळ्या तरेचो भेदभाव मनशांनीं नां करूं जाता हे विचार गोंदूच्या काकेच्या मनांत आदींपसून घोळटाले. तिका दिसतालें आपल्या भुरग्यांक बामणां-भटांल्या भुरग्यांपरमाण भोंवडोवचीं. आपलें पळोवन हेर गावड्यांय सुदरतलीं.

सुदरप हें वायट जांव नज.

''हांव आसतोना तूं भियेवं नाका गे काके. हांव मॅट्रीक जातोकोच मागीर पोळे हांव कितें कोत्ता तें! तुका हांव मातय कास्तीक पोडोंक दिवचों ना. आमी कितें ओशींऽऽ आसात गे काके! शेत जमीन आसा आमची. दोंगोर आसा. आतां तो पाड आसा खरो. पूण हांव तो वोसोयतलों. बऱ्या बियाण्याच्यो काजू लायतलों. फावो ते सुवातेर अणशी, आंबे-पणस बी लावन दोंगोर फुलयतलों. तुका आनी माझ्या माणकुल्या भोयणांक हांव कितेंच उणें पडोंक दिवचों ना.

आमचो होरिमास्तोर कितें सांगतालो जाणा काके, मोनशान खंय मोरोसर काम कोरचें आनी मानान जगचें. भीक मागची न्होय. सरकार आमकां गावडे म्हण भीक मागोंक शिकयता. आमचेकडेन हेरांभशेन हात-पायें आसात. ते भायर कश्ट करून खावंक घे म्हण जमीन आसा. हेर गावड्यांक स्वताची जमीन नासली म्हण कितें जालें? भाटकारांच्या जमनीत घाम गळोवन कश्ट करून पोट भरूंक जायना गे काके? अशें केल्यार स्वताचेंय पोट भरूं येता आनी भाटकाराचेंय बी.

जाणा काके, फिरंग्यांभाटांत शाबूशेणय म्हणोन एक भाटकार रावता. तेका व्होडलें भाट आसा. पूण नांवा पुरतेच भाटांत गावडे रावतात. मुंडकार म्हण मिरयतात सगले. भाटकाराक एक नाल्ल मेळोंक दिनांत. ताचीं शेतांय आसात. पूण शेतां रोवन गावडे गब्बर जाल्यात. पूण भाटकारांक एक भाता आसो



मेळना. येदो भाटकार आसुनय शाबूशेणय बोंदरें आनी म्हेळें आंगोस्तर न्हेसोन दीस काडटा. भुरगीं व्हड जाल्यांत पूण तांकां कोणागेर कामाक दवरूंक हो भाटकार तयार जायना. आपले जमनींत भाजीपालो रोवन, भात रोवन आपलें पोट भरूंक जाता ह्या भाटकाराच्यान! पूण बामण खंय शेतां-भाटांनी काम करिनांत, अशें तो म्हण्टा. कसलीं हीं पिशेपणां?

शाबुशेणयले मुंडकार भाटकारांवून बरे जगतात. खावन जेवन मजा मारतात. अशें आसुनय सरकार तेंकां मजत करता. तेंय बी तांचेर गावडे आनी मागास म्होणोन छाप मारून. हें खंयचें रजांव गे काके?

तूं जाणा काके, हायें एकदां हरिमास्तराक गावड्याचो अर्थ इचारलेलो. कित्याक तर पोर्तुगिजांच्या तेंपार खंय गावड्यांक बुर्र म्हण्टाले. बुर्र म्हणल्यार अन्नाडी खंय.'

''हरिमास्तरान कितें सांगलें?''

''गावड्याचो खरेलो अर्थ सांगलो.''

''कितें?''

''गावडो म्हणल्यार गांवांत रावता पळे तो. गांवकार. गांवचो मुखेली. ह्या गावड्यांनी खंय आदीं गांव वसयल्ले.''

''मागीर तुकां कितें दिसता?''

''गांव कोणे वसयल्ले, तें आतां आमकां नाका. आज जे पळे कोण गांवांत रावतात, ते गावडे.''

''तशें जाल्यार शाबूशेणय गांवांत रावता. तोय गावडो जालो मरे?''

''हय काके, तोय गावडोच, गरीब गावडो. सरकारान तेका मजत करूंक जाय.''

गोंदू आपले काकेमुखार असो उलयलो, जसो श्रीकृष्ण अर्जुना मुखार उलयल्लो. पूण हांगा ताच्या उलोवपांत अन्याया आड तिडक आसली. तरी ताचें उलोवप सोपें आनी म्होवाळ आसलें. आयकन आयकन दिसता तसलें. काकेक तें उलोवप आयकून धन्यताय दिसली.

(फुडें चलता)

नं. ध. बोरकार
मास्कारेन्हस वाडो,
व्हडलें - गोंय
फोन : २२१८१४७

पडवेर

अनवळखी दुस्मान

दुस्मान! तेय बी अनवळखी? तुमकांय बी हो प्रस्न पडला आसूंये. कारण दुस्मान ही पदवी प्राप्त करतलो जाल्यार दोन मुळाव्यो गरजो भागोवच्यो पडटात. दुस्मान जातलो जाल्यार, एक तर तो बेकार शेजारी आसचो पडटा, ना तर नात्यांतलो तरी आसूंकच जाय!

पूण हांव ज्या अनवळखी दुस्मानाविशीं उलयतां तें एक भलतेंच प्रकरण. आतां हेंच पळयात....

कामानिमतान तरी म्हाका शिरोड्या वच्चें पडटा. मदीं न्हंय लागता. ती म्हजी चूक न्हय. पयलीं तेंपार पोनेळ आसताले आतां सरकारी फेरीबोटी आसात. थंय कडेकच, आलतडचे धडेर फेरीबोटींचें वेळापत्रक आसतालें. पूण कोणाच्यातरी दोळ्यांत तें खुपसलें. ताणें तें पिंजून उडयलें. आतां ताचे फाटलो उद्देश कितें... तें कळपाक शक्य ना. हे करणुके फाटल्यान फेरीबोट काय बंद पडली ना. नाय लोकांचें यो वच. वेळापत्रक नाशिल्ल्यान प्रवाशांक त्रास मात जाले. हांवूय फेरीबोटींत चडलों आनी त्या पांच मिण्टांच्या प्रवासांत म्हाका हो लेख सुचलो. दुस्मान फक्त वळखिचेच आसतात?

केन्नाय चुकून लायब्ररींत वचप जाता . पंदरा-वीस वर्सां पयलींचे कादंबरीक हात घालतां. पयलें पान पळयतां. ताचेर एक तरी 'शेरा' आसताच. उदा. 'पुस्तक एकदम छान आहे', 'पुस्तक एकदम बंडल', 'शी:!' 'पुस्तकात ×× नाहीं', 'nice story', 'Good book', 'Keep it up!' घडये वाचकांचो एकेतरेचो अभिप्राय. हातूंत वावगें कांयच ना. जशें जशें पान परतुवप जाता,

तेन्ना कळटा की कांय पानां 'गहाळ'! पान नंबर ३५ वेल्यान पान नंबर ५६चेर प्रमोशन! एक मान्य करूं येता कीं त्या वेळार 'बाईंडींग'चें तंत्रज्ञान विकसीत जावंक नासलें. पूण म्हाका एक कळना कीं उत्कंठावर्धक पानांच कशीं ना जातात? एक पुस्तक हांवें पळयल्लें, पान पस्तीसाचेर त्या कादंबरीचो नायक, नायिकेक फुस्लावन कश्मिर व्हरता आनी मुखार पान छप्पन येता जाल्यार हीं दोगांय वेगळीं! मदलीं तीस-एक पानां, तीं खंय गेल्लीं, थंय ताणीं कितें केलें? तीं वेगळीं कित्यापासत जालीं हें कळपाक मार्ग ना. कामधंदो नासल्यार मागीर वाचकांक सुतावेल्यान सर्ग गाठपाचो उद्देग करचो पडटा. आपल्या ह्या करणुकांनी ते नव्या वाचप्यांक अक्षरशा लुटतात. आनी देखूनच म्हज्या हिशोबान ते अनवळखी दुस्मान थारतात!

कांय जाण बेकार पडिल्ले आसतात, जांकां फुकट वेळ आनी हातांत कागद पेन पडटकच कलाकुसरीक चेव येता. तांच्या हातांतल्यान पांच-धा रूपयांच्यो नोटी लेगीत सुटना. एक तर बापूच्या फोट्यार फित्रिसपणां करप ना तर फाटल्यान धवश्या भागार मडक्याचे आंकडे बरोवप. कितलो हो विरोधाभास! गांधी फाटल्यान मडक्याची नांदी. तांचे हातांतल्यान 'एक आठवण एक साठवण' लेगीत सुटना. कैलासवासीयांक, आडवे-उबे कपलाक गंध काडप, मिश्यो-खाड काडप, गालार मोठो तीळ काडप आनी शक्य आसल्यार तांकां 'खलनायक' फेम संजय दत्त करप. ना ना तरेचीं रूपां स्वर्गियवासीयांक चडोवचीं पडटात. ह्या चित्रकारांक हातूंत कसलो स्वर्गानंद मेळटा काय?

अनवळखी दुस्मान बसींतूय आसतात. चड करून फाटल्या दोन सिटांचे ते धनी आसतात. सिटांचे फाटलेवटेन '××Loves ××', 'for pleasure contact 98231×××××' अशे सरळ धा अंकी नंबर बरोवन सोडटात. आतां कॉल रेट इतली उणी आसा की कोणूय मागीर सरळ ह्या नंबरांक हात घालता. आनी जाचो कोणाचो हो नंबर आसता तांकां कितें भोगता आसूंये?

हाजेय परस आनी एक मोठें प्रकरण आसता. कांयजाण बसस्टोपांचे शेडीरच, वा वण्टीर हें contect नंबर बरयतात. काळजार बाण मारून वयर सकल नांवां बरोवपाकूय ते विसरनात. हे करणेन तांकां कितें साध्य जाता?

इतिहासकालीन म्हापुरसांनी व्हडले

व्हडले किल्ले, महल उबारले. आयज कंप्युटरकालीन मनशांनी फायद्याखातीर, आपसुवार्थाखातीर तीं दायजाच्या नांवांसकल, प्रेक्षणिय थळां करून, बाजार मांडून बसले. भायल्या, काळजा फातराच्या लोकांक ही आयतीच संद सापडटा. ह्या थळांचें ते दर्शन घेवंक वतात आनी थंयच्या पाषाणांचेर आपूण हांगा येवन गेल्ल्याची, 'कोरून' नोंद करून दवरतात. आमकां काय तांची भास कळना. आमी तांकां 'जिलेबी' म्हणया. खंय ते म्हापुरूस आनी खंय हे जिलेबीवाले! फर्मागुडयेर फोंड्या हांवें एकदां फातरार वाचिल्लें, 'TONY LOVE TINA'. बाबांनो, हें तुमी त्या शिवाजी म्हाराजाक कित्याक सांगतात? वचात आनी टिनाच्या बापायक सांगात.



मनीस ही जात अशी आसता जी आपल्याच्या दुखाक लागून जितली दुखी जायना तितली दुसऱ्यांचें सूख पळोवन चड दुखी जाता. आमच्या गांवच्या भायले वटेन न्हंय व्हांवता. 'नवशिके होतकरू बेकार तरूण' रातचे, न्हंयचे देगेर अमृतप्राशनाक बसतात. पितात तें बरें आसा. तर्र्र जातात आनी रिकाम्यो बाटल्यो काडून न्हंयच्या खडपांचेर आदळून फोडटात. जणू कितें रिकामे बाटलेर राग. हांचे हे रातचे 'प्रताप' मागीर दुसरे दिसा सकाळीं 'पेंवपाक' गेल्लेकडेन आमच्या तकलेक 'ताप' दितात. खाऱ्या उदकांत त्यो कंवच्यो सोंसपाक जाता?

काय दुस्मान अशेय आसतात, जे पोस्टऑफिसाचो पुरेपूर उपेग करतात. पोस्टकार्डाचेर बरयतात, 'जंय संतोषी माँ', अशें तुमी धा खेपो बरोवन अकरा जाणांक धाडात. संतोषी माँ तुमकां प्रसन्न जातली आनी 'बाराव्या दिसा तुमकां बरी गजाल कळटली. पिंजून उडयल्यार अघटीत घडूं येता.' ह्या अडेच्या अनवळखी भक्तांक आनी कितें करपाचें? हालींसाराक पोस्टकार्डां म्हारग जाल्ल्यान हो प्रकार मात्सो उणो जाला.

सार्वजनीक शौचालयांचें तर विचारूंक नाका. कांय जाणांक तर हीं जणूं प्रायव्हेट कॅबीनाच! इतलें 'घटीया' बरयतात, पूण जायते खेपो तांचे ओरिजनलिटीखातीर तुस्तय करून दिसता. पूण कांय जाणांची बरोवपाची पातळी इतली सकल्ल्या पावंड्यावेली आसता, की मरतकच ह्या लेखकांक, पाताळांत लेगीत 'प्लॉट' मेळचो ना.

मनशांचें एक बरें आसता. थारावीक पिराये मेरेन ते तकलेकडच्यान वा पांयांकडच्यान वाढटात. ही वाढ खुंटतकच, अकलेचे वाढचे सोडून ते पोटान वाढपाक लागतात. लोकांक पोटां येतात, ताजें खरें कारण हें! कोणाक सांगू नाका.

हे जे हांवें वयर नस्ते उद्देग मांडल्यात तीं मनशांचीं कर्तुपां.

लायब्ररींतल्या पुस्तकांचो इबाड करप. नाका थंय, जाय ते सुवातेर, नाका तें बरोवन, जाय तेका, नाका ते त्रास करप, दुसऱ्याक पिडप होच जणू तांचो जल्मसिध्द हक्क. हेंच मनीसपण? हे वयले उद्देग करतल्यांक हांवें केन्ना 'work in progress' आसतना पळोवंक ना. देखूनच ते म्हजे अनवळखी दुस्मान.

हांव म्हण्टा, हे धंदे तुमी घरांत कित्याक करिनात? घरांतलीं पुस्तकां मात कित्याक नीट सांबाळून दवरतात? सार्वजनीक जाग्यावेलीं 'वेळापत्रकां' पिंजतात, घरांतल्या कॅलॅन्डरांक तुमचो हात कित्याक लागना? घरांतल्या फोटयांक खाड, मिशी, वक्ल कित्याक मांडीनात? घराचे भायर वण्टीर Pleasure contact नंबर कित्याक बरयनांत.

तुमच्या घरांतल्या टॉयलेटींनी हळशीक पोजडे कित्याक चित्रयनात?

कारण हेंच जर घराभायर करून तुमकां खोस भोगता जाल्यार तेंच कर्म घरच्या-घरा करपाक तुमी कित्याक तयार ना?

हे प्रस्न तुमकां विचारतलो म्हळ्यारूय शक्य ना. कारण हांवें तुमका 'work in progress' करतना पळोवंक ना. देखूनच म्हजेखातीर तुमी 'अनवळखी दुस्मान'!

■■■

-सम्राट बोरकार
राय साश्ट गोंय
फोन : ९८२२१४३०२१

कथा

परिवर्तन!

'अनंत कोटी ब्रम्हांड नायक सच्चीदानंद श्री. बाबा महाराज की जय' अश्यो घोशणां दीत रस्त्यावेल्यान चल्लेलो दादल्या बायलांचो एक जमाव भोवतणचो वाठार आपल्या घोशणांनीं गाजयत वतालो. सादारणपणान देड-दोनशीं भक्त-भक्तिणींच्या घोळक्यांत मदींच हळदुवें पितांबर, आनी केसरी पांयघोळ सदरो न्हेशिल्लो तुंदीलतनू 'श्री बाबा महाराज' आपलो एक हात वयर करीत लोकांचें अभिवादन स्विकारीत दिमाखान फुडें फुडें चलतालो. हातभर वाडलेली काळी कुळकुळीत दाडी तशेंच तकलेर केसांचो जटा भार, गळ्यांत आनी दोनीय हातांच्या मनगटार रूद्राक्षांच्यो माळो. दृश्टी खंयच्या तरी अज्ञाताचो वेध घेतिल्ले भशेन. पुणून तातुंतूय एक प्रकारची धुर्ततेची झळक, चमक. बेफीकीर वृत्ती. बळयांच हाडिल्लें तोंडावेलें सौजन्यशील स्मीत हाश्य! बस्स इतलेंच!

हांवें म्हज्या घराच्या जनेलांतल्यान भायर सकयल रस्त्यावयल्यान वचणाऱ्या त्या जमावा कडेन पळयलें. बाबा महाराजाचो चेहरो वळखीचोसो दिसलो. खंय तरी हांवें हो चेहरो पळयला अशें भासतालें. पुणून याद जाय नाशिल्ली.

कदाचीत एका चेहऱ्या सारखे ह्या जगांत अनेक चेहरे आसतात ताका लागून मनशाची फसगत जावंक शकता. पुणून मन स्वस्थ बसूंक दिना जालें म्हणून हांव जिनो उतरून सकयल रस्त्यार आयलों आनी धांवत वचून आपल्या शिश्य-शिश्यिणिच्या गराड्यांत रस्त्यावेल्यान चलणाऱ्या त्या बाबा महाराजांच्या पांयार साश्टांग लोटांगण घालें. बाबा महाराजांचो चेहरो लागसून पळोवंचो असो म्हजो ते फाटलो उद्देश आशिल्लो. बाबा महाराजान दोनीय हातांक धरून म्हाका वयर उठयलो आनी तोंड भरून म्हाका आशिर्वाद दीत ताणीं म्हळे, 'वत्सा तुजें बरे जांव. तुकां कितेंय अडचण आसल्यार अमूक ठिकाणार आशिल्ल्या म्हज्या मठांत यो. म्हणजे ह्या सगळ्या लोकां प्रमाणेंच तुज्याय जिवनाचें कल्ल्याण जातलें.'

हांवें बाब महाराजांच्या चेहऱ्या कडेन निरखून पळयलें. आवाजांत थोडो भरिवपणां आसलो. तरीय तो आवाज हांवें ह्या पयलीं आयकल्लो अशें दिसलें.

बाबा महाराजान म्हाका मठाचो पत्तो दिलो.

म्हजें मन म्हाका स्वस्थ बसूंक दिना जालें. एका आठवड्या नंतर म्हाका वेळ मेळतकूच हांवें थेट बाबांचो मठ गाठलो.

म्हाका पळयना फुडेंच बाबांचे दोन तीन शिश्य फुडें आयले. ताणीं म्हाका वळखलो आसूंयेत. म्हाका घेवन ते मठाच्या भितरल्या हॉलांत आयले. हॉल प्रशस्त असो आशिल्लो. बसपा खातीर सकयल जाजमा हांतरिल्लीं. भजनांच्या कॅसेटचो सुरेल आवाज कानार पडटालो. अगरबत्तींचो मंद सुगंध सगळे कडेन हॉलभर पसरिल्लो. एकूण वातावरण सुगंधीत आनी प्रफुल्लीत आशिल्लें. थंय जाजमाचेर आनीकूय लोक-बायलां-दादले बशिल्लीं. तीं भौतेक बाबांच्या दर्शनाक आयिल्लीं आसूं येत. बाबांची भितरले कुडींत देवाची पुजा चलिल्ली. त्या नंतर ते भायल्या हॉलांत येवन लोकांक दर्शन दितले अशें म्हाका शिश्यांनीं सांगलें. तेन्ना तो परयंत म्हाका थंय बसून रावणें भाग आशिल्लें.

हॉलांत बाबांक बसपा खातीर आनी प्रवचन दिवपा खातीर उंच जागेर गिरद्यांचें आसन आशिल्लें. ताजेर बाबा बसून प्रवचन करताले. म्हाका बाबांच्या पुर्वायुश्याचो सोद घेवपाचो आशिल्लो. इतल्यान 'अनंतकोटी ब्रम्हांड नायक सच्चीदानंद श्री समर्थ श्री बाबा महाराज की जय' अशी घोशणां जाली आनी त्या फाटोफाट शिश्यपरिवारा सकट श्री बाबा महाराज हॉलांत येवन आपल्या आसनार बसले. ताणी तांकां येवकार दिवपाक उठून उबे राविल्ल्या लोकांक बसपाक सांगलें. आनी आपले दोळे बंद करून घडये आपल्या गुरूचें स्मरण केलें आसूं येत! एका शिश्यान एक व्हडलो फुलांचो हार बाबांच्या गळ्यांत घालो. बाबान आपल्या प्रवचनाक आरंभ केलो. 'ह्या आमकां प्राप्त जाल्ल्या मनुश्य जन्माचें आमी सार्थक करून घेवंक जाय. इश्वराच्या भजन, पुजन, किर्तन, नामस्मरणांत सदैव तल्लीन जावन रावंक जाय.'

बाबांचें प्रवचन सोपतांच हांव फुडें सरलों. बाबांचया चेहऱ्या कडेन निरखून पळयलें. बाबांच्या कानशिलाचेर एक जखमेची खूण आशिल्ली. म्हाका वळख पटली. होच तो, कांय वर्सां पयलीं पुण्याच्या एका कोर्टांत एका बलात्काराच्या खटल्यान

आरोपी म्हूण उबो आशिल्लो. २९-३० वर्सांचो एक तरूण 'मी नारायण जनार्दन सुर्वे, वय वर्षे २९ पुर्ण. राहाणारा उद्यम नगर, पुणे. भगवद गीतेवर हात ठेवून सांगतो कीं मी जे काय सांगेन ते खरे सांगेन, खोटे बोलणार नाहीं.'

हय, तोच तो आवाज आनी ती कानशिलावयली खूण. शरीर मात गच्च भरलेलें. पंदरा-सोळा वर्सां पयलीं पुण्याच्या कोर्टांत उबो आशिल्लो आनी बलात्काराच्या खटल्यान सजा भोगून तुरूंगातसून सुटलेलो, 'नारायण जनार्दन सुर्वे' आतां ४५-४६ वर्सांच स्वामी बाबा महाराज जावन समाजांत प्रतिश्ठित म्हणून वावुरतालो.



हांव तिडकीन उठलों. बाबा महाराजांच्या आसनाकडेन गेलों आनी हांवें मोठ्यान म्हळें, 'आरे तूं तर नारायण जनार्दन सुर्वे. गुन्हेगार. तूं आनी बाबा महाराज केन्नाच्यान जालो?

म्हजे हे शब्द कानार पडटकूच एक खुनशी चमक बाबांच्या दोळ्यांतसून म्हाका स्पश्ट दिसली. पुणून रोखडीच ताची सुवात बाबान आपल्या स्मित हाश्यान घेतली. स्वताक सावरीत तार्णी म्हळें, पुण्याच्या कोर्टांतसून सजा भोगून तुरूंगातसून भायर पडिल्लो नारायण जनार्दन सुर्वे हांवूच! तुवें म्हाका बरोबर वळखलो. पूण म्हज्यांत आतां विलक्षण परिवर्तन जालां आनी हाचें श्रेय म्हज्या गुरू महाराजांक वता. समोरचे वण्टीर टांगलेल्या एका साधुच्या भव्य तस्वीरी कडेन बोट दाखोवन तार्णी म्हळें, 'गेल्या धा-बारा वर्सांत हांवें स्वताच अशें एक स्थान निर्माण केलां. कित्येक शिश्यगण आनी भक्तगण हांवें निर्माण केल्यात. ह्या लोकांत नामांकीत इंजिनेर, वकील, सरकारी अधिकारी, खाजकी आस्थापनाचे मालक, रिटायर्ड न्यायाधीश आदी आसात. ह्या सगळ्यां फुडें जरी तुवें म्हजो फाटलो इतिहास उगडो केलो तरी ताचो कांयच परिणाम जावपाचो ना. जाल्यार तुजेंच लुकसाण जातलें. तुकां पिसो ठरोवन तुजी रवानगी पिशांच्या हॉस्पिटलांत करूंक लावपाक म्हाका कसलीच अडचण येवची ना. हांवें जरी एकदां बलात्काराचो गुन्हो करून सजा भोगलेली आसली तरीय म्हज्या फुडल्या आयुश्यांत हांवें बदल केल्लो आशिल्ल्यान म्हज्या आयुश्यांतलो तो काळो दाग केन्नाच पुसून गेला. गेल्या धा-बारा वर्सांतलें म्हजे जिवन आनी आयुश्य उजळ आनी धुल्ल्या तांदळा भशेन स्वच्छ आसा.'

बाबांचें हें भाशण आयकून हांव अवाक जालों. बाबा म्हण्टात तें एका अर्थान खरें आशिल्लें. तांचें बदल्लेलें सद्याचें जीवन उध्वस्थ करपाचो म्हाका कसलोच अधिकार नासलो. पुर्वायुश्यांत तांचे कडल्यान घडलेल्या गुन्यांवाची ख्यास्त तार्णी पुराय भोगलेली. एकदां गुन्यांव केलो म्हूण मनीस आयुश्यभर गुन्यांवकारी थरना. शिवाय सद्या बाबांच्या प्रभावा खाल बऱ्योच नामनेच्यो, प्रतिश्ठित अश्यो समाजांतल्यो व्यक्ती तांचे शिश्यगण म्हूण तांचे भोवतणी वावुरताल्यो. हातूंत कांय मंत्री आनी पोलीस अधिकारीय आशिल्ले. बाबान मनांत हाडल्यार म्हाका पिसो ठरोवन तो म्हजी रवानगी पिश्यांच्या हॉस्पिटलांत सहजपणान करूं शकतालो.

हो विचार मनांत येतकच हांव अगतीक पणान स्वताभितरूच हांसलों. मठांतसून भायर सरतना हांवें नेटान घोशणां दिली.

'अनंतकोटी ब्रम्हांड नायक सच्चीदानंद श्री समर्थ बाबा महाराज नारायण सुर्वे की जय'

■■■

- सुरेश कामत सातोस्कार



घर नं: १६८, देवूळ वाडो
माशेल

पासय

'इंग्लेजीचें भूत'

म्हजे वळखीची बायल ती. ल्हान सान वळखतां हांव तिका. पूण ती मात घरच्यां हेरां परस म्हाका आनी म्हज्या भावाक चड मानपी. कसलेय गजालीविशीं तिका स्पश्टीकरण जाय आसल्यार आमच्या दोगांय भितरल्या एकल्याक विचारचें तिणें. आनीक कोणेंय कितलीय ते विशींची समजणी वो म्हायती दिल्यार तिचें समादान जावप शक्यच नासलें. पूण आमी दोगांयनींय केन्नाय तिचीं फकाणां लेगीत केल्यार तीं सत मानपी आसली. आजूनय आसाय बी. आमी तिका आण्टी म्हण्टांव. ती म्हाका बाय, आनी भावाक बाबा म्हणीत आयल्या.

एक दीस पत्त्यांनीं खेळटाना आण्टीन गम्मत केली. तो पत्त्यांचो खेळ असो आसलो की दर एक डाव सोंपलो म्हणटकूच पॉयंट्सांचो हिशोब करपाक जाय आसलो आनी तो डाव संपतच आण्टीच्या विरोधी गटाक पॉयंट्स मेळ्ळे पंदरा. पंदरा म्हणटनाच एकलो पंदरा+पंदरा=पंचवीस म्हण व्हडल्यान आड्डलो. सगळीं हांसलीं. आण्टी हांसलेली जाल्यार आतां म्हाका उगडास ना.

आनी हांसून-हांसून फुडल्या डावाक पत्ते वांटले. सगळीं पत्ते चिंतून उडोवपाक गूल्ल आसलीं. पूण आण्टीचें मन पत्त्यांचेर नासलें. एक-एक पत्तो कसो आनी कितलें चिंतून उडोवंचो तें कोणेंय आण्टी कडल्यान शिकपाचें. पूण ह्या डावाक आण्टी कशा-कशीय पत्ते खेळटाली. अस्वस्त दिसताली. पूण तिचेर दुसऱ्यांचें लक्ष नासलें. तांचें लक्ष आसलें तें पत्त्यांचेर. डाव रंगांत आयलेलो. पूण आण्टीचें विचारचक्र चालू आसलें. कसलें? कसलें तें तेन्नाच गोमलें जेन्ना आण्टीन मदींच डाव थांबयलो आनी म्हाका व्हडल्यान विचारलें,

''बाय पंदरा आनी पंदरा पंचवीस कशे?''

एकाच बराबर सगळीं हांसलीं. हांवूय बी. आनीक कितें करतलीं आसलीं? फुडें आयकात :-

आण्टी जरूय ७० + आसा, तरूय "weight-conscious" खूप "Beauty conscious" सूय बी. तिका कसलें कातीचें दुयेंस जालें आनी आतां आख्खीच उजवल्या - धवी फूल्ल जाल्या. तेदूस म्हाका म्हणूंक लागली, 'बाय, हांव आतां पारसी लोकां भाशेन गोरी-पीट जाल्यां नू?' फुडें तोंडाक बोट दाखयत म्हणूंक लागली, ''पूण तोंडार हो इल्लो दाग उरला (original काळे कातीचो दाग) आनी बरें दिसना. तो कसो काडूंक जाता? फेशीयल करून वतलो?''

कितें म्हणपाचें? असल्योय बी बायलो आसात. आनी फुडें आयकात :-

तेदूस आण्टीक कोणें म्हणलें, 'आगो तूं बरें मोटें जालांय.' आण्टीक हें पसंत जालें ना. म्हणूंक लागली, 'तेदूस वोजोन करून पळेलें. ६० किलो आसा म्हूण सांगलें त्या कंपाऊंडर चेडवान. मेलें तें कायचेकाय सांगता. हांव दुसरे कडेन वोजोन करून पळेतलीं.'

आण्टीक जाय आसलेलें वजन जो मेरेन वजन काडपी मनीस सांगना, ते मेरेन आण्टीचें समादान कशेंच जावपाक ना. कितें म्हणपाचें? असल्योय बी बायलो आसात.

आनी शेवटीं, फाटीं आनी एक पावट म्हाका आण्टी भेटली. गोंयां सावन आयलेली. हे पावटी आण्टीक इंग्लेजीच्या भुतान झपाटलेली. चडशीं इंग्लेजूच उतरां उलयताली. अंकलाची खबर घेतली हांवें, तेन्ना म्हणूंक लागली, 'बरो नासलो अंकल. operation जालें ताचें.' 'कसलें operation?' म्हूण हांवें तिका विचारलें तेन्ना आण्टी म्हणूंक लागली, "prostitute Gland चें operation" तिका म्हणपाचें आसलें PROSTATE GLAND. असल्यांक कितें म्हणपाचें? असल्योय बी बायलो आसात.

■■■

- फिलोमीना साँफ्राँसिस्को
मुंबय

काण्णीक काटे कित्याक?

मे म्हयन्याचे सुटयेंनी वा आनीक कसलीय सुटी आसूं भुरगीं आप आपल्या सोयऱ्यांगेर रावपाक वतात. थंय सुटी सोपसर मजा करतात. गांवान जर घर आसलें जाल्यार आनीकय मजा. कित्याक? सद्दां काण्णां, कणेरां, बोरां खावंक मेळटा म्हणून.

अशींच हीं माणकुलीं भुरगीं मुकेश अमन, राज, अष्लेशा, प्रणाली आनी सायली. हीं एकामेकांचीं घट इश्ट आनी इश्टीणी. हांकां मजा करूंक खूब आवडटाली. शिकपाकूय बरीं आसलीं आनी मजा म्हणजें तांचो तिगांचो गांव एकूच. सुटयेंनी ती सय जाणां मजा करतालीं.

गिमाची सुटी पडिल्ली. सय जाणां शारांतल्यान गांवांत पावलीं. थंय कांय दीस खेळ्ळीं, भोवलीं, सायकल चलयली... आनी एक दीस अमनान तांकां सांगलें कीं लागींच्या एका दोंगरार खूब काण्णां, चुन्नां, चारां बी लागल्यांत म्हूण. हें आयकून सगळ्यांच्या तोंडाक उदक सुटलें. सगळीं जाणां थंय वचपाक तयार जालीं.

दुसऱ्या दिसा सांजे सगळीं जाणां त्या दोंगरार पिशव्यो घेवन गेलीं. चलतां चलतां सगळीं त्या काण्णांच्या

झाडाकडे पावलीं. प्रत्येकजाण काण्णां काडपाक लागलीं... इतल्यान आऽऽ... अशी किळांच तांकां आयकूंक आयली.

"कितें जालें रे मुकेश?" राजान विचारलें.

"काटो लागलो... खूब दुखता.. आऽऽ..." सगळ्या चलयांनीं 'काटा लगाऽऽऽ' हें गाणें म्हणून ताका चाळोवपाक सुरवात केली.

कांय वेळान सगळीं जाणां परत काण्णां काडूंक गुल्ल जालीं. पूण कोणाकूच एकय काण्ण मेळ्ळें ना. कित्याक तर त्या झाडाक आशिल्ले कुचकुचीत काटे आनी हीं शारांतलीं भुरगीं. तांकां नासली असल्या काट्यांची संवय. अष्लेशान म्हळें, "शी हीं झाडां न्हय? म्हाका एक कळना झाडांक काटे कित्याक दिल्यात?"

अमन - "फकत काण्णांच्याच झाडांक न्हय तर चुन्नां, बोरां, कणेरांच्या झाडांक लेगीत काटे दिश्टी पडटात. झाडांक काटे नाशिल्ले जाल्यार काय बरें जावपाचें न्हय?"

सगळीं भुरगीं चितूंक लागलीं की काटे नाशिल्ले जाल्यार काय बरें जावपाचें तें. काटे नाशिल्ले जाल्यार खूब काण्णां, चुन्नां, कणेरां बी खावंक मेळपाचीं. कांय कश्टांबगर पोटभर हीं फळां खावंक मेळपाचीं. हात घातलो मेळ्ळीं काण्णां. कितली मजा येतली आसली.

पूण कांय भुरग्यांचे हात काटे लागून लागून तांबडेच जाल्ले, तर थोडीं रडपाक लागिल्लीं. मुकेशान म्हळें "आतां रडून कांय फायदो ना.. आमी देवाचीं माणकुलीं भुरगीं. देव आमचें मुजरत आयकतलो." मुकेश तीं उतरां म्हण्टा थंय आसा इतल्यान मळबांतल्यान एक सोबीत सुंदर धवी खोमशी घालून पाखां आशिल्ली एक परी सकयल आयली. भुरगीं तिका पळयतूच रावलीं. परीन उलोवंक

सुरवात केली.

''आरे! अशीं कितें पळयतात. म्हाका वळखुंक ना? आसूं हांवच म्हजी वळख करून दितां. हांव रानपरी! तुमी म्हज्या रानांत आयलीं म्हूण म्हका खूब खोस भोगली. हांगा तुमकां सगळे तरेचीं रानटी फळां मेळटलीं. खूब मजा करात... पूण म्हाका एक सांगात म्हाका कित्याक याद केली?''

मुकेशान म्हळें, ''रानपरी, आमचें तूं आयकतली? तशें जाल्यार काण्णां, चुन्नां, कणेरां, बोरां असल्या झाडांचे कांटे तूं नाच्च कर. मागीर आमकां खूब खावंक मेळटलें. ना जाल्यार हेंच पळय. हांगा इतलीं काण्णां लागल्यां पूण आमकां एकूय खावंक मेळना.''

रानपरी हासली. म्हणूंक लागली ''बरें हांव हे काटे नाच्च करतां. कांय दिसांनी येयात आनी पळयात.'' अशें म्हणून ती मळबांत गेली.

सगळीं भुरगीं खोशयेन नाचूंक लागलीं. रानपरीन आमचें आयकलें हाचीय तांकां खूब उमेद जाल्ली. रातचें सपनांत लेगीत तांकां काण्णां दिसपाक लागलीं. कांय दिसांनी सगळीं भुरगीं खोशयेन दोंगर चडलीं. थंय पावता तर कितें, गांवांतल्या लोकांनीं काण्णां-चुन्नांचीं झाडां कापून उडयल्लीं जळवा खातीर. कांय झाडां गोरवांनी बोडकीं केल्लीं. भुरग्यांक खूब वायट दिसलें. इतल्यान रानपरी थंय आयली.

रानपरी - ''माणकुल्यांनो, कितें जालें?''

राज - ''रानपरी हांगचें काण्णांचें झाड आनी बाकीचीं झाडां खंय गेलीं? तवें

रानपरीन म्हळें ''खरें म्हळ्यार हांवें त्याच दिसा काटे ना केल्ले. तुमकां कांय दिसांनी हेंच पळोवंक आपयल्लें.'' भुरगीं अजापान एका मेकांक पळोवंक लागलीं.

''रावात हांव सांगतां..'' म्हूण तिणें सुरवात केली. ''दुसऱ्या दिसा गांवांतले लोक कोयते घेवन आयले. झाडां कापून लाकडां जळवाक व्हेलीं आनी गोरवांनीं काटे नाशिल्ल्यान झाडां खावन उडयलीं. आतां सांगात काटे आशिल्लीं काय काटे नाशिल्लीं झाडां बरीं?

''काटे आशिल्लीं.'' अष्लेशान म्हळें.

''मागीर देवान सगळो सैम पुराय विचार करून निर्मिला. काटे आशिल्लीं झाडां गोरवां खायनांत आनी गांवांतले लोकूय जळवाक व्हरनांत. देखुनूच तुमकां काण्णां-चुन्ना मेळटात. कश्ट केल्या बगर फळ मेळना. हाचीय देख तुमकां झाडांच दितात न्हय?''

सगळ्या भुरग्यांक तिचें म्हण्णें पटलें. तांकां तांची चूक होलमली. अमनान म्हळें, ''सॉरी आं रानपरी आनी थँक्यूय बी. तुवें आमचें दोळे उगडले.'' रानपरी हासली आनी नाच्च जाली.

सगळ्या भुरग्यांनी मागीर म्हळें.

''देवान निर्मिला तसोच सैम आसुनी.''

■■■

-आयुषी शेटये
यत्ता : आठवी
बाल भवन केंद्र, मार्शेल
फोन:२२८७६४५



नंदीबैल

एक मोठें शार आसलें. शारांतले एके ल्हानशे झोपडपट्टींत भिकू नांवाचो एक गरीब मनीस रावतालो. भिकूकडेन कश्टाचें काम जायनाशिल्लें. ताणें एक बैल पोशिल्लो. बैलाचें नांव दवरिल्लें होयबा. भिकू बैलाक घेवन लागशिल्ल्या गांवांत वतालो. नंदीबैल कसो होयबाक सजोवन घराघरानी भोवतालो. दिसभर भोवतकच ना म्हळ्यार भिकूचें आनी बैलाचें पोट भरपा सारखें मेळटालें.

गांवांतले लोक भोव भावार्थी. दारार नंदीबैल येतकच आपल्याक तांकता तशे दान करताले. कोण रुपया, दोन रुपया तर कोण भाकरी, पोळो वा भात नंदीबैलाक घालताले. कोण पोरणें लुगट ना तर पिंजकी गोदडी बैलाच्या आंगार उडयताले.

भिकून बैलाक मान हालोवप, उजवो पांय उखलप, आपल्या भोवतणी प्रदक्षिणा घालप आसल्यो कला शिकयल्ल्यो. कोणांयच्या घरा वतकच बैलान असलीं नाटकां करून दाखयतकच लोक खोशी जावन चार पयशे चडूच भिकूच्या हातार उडयताले.

भिकूय बरो मायेस्त मनीस आशिल्लो. कितें मेळटा तातूंतलें चडशें बैलाक खावयतालो. बैलाची बरी कुयदाद घेतालो. कड्डण, भाकरी, केळीं असलें कितेंय कोण दीत जाल्यार पयलीं होयबाक खावयतालो.

होयबाक मात मेळटा तातूंत धादोशी नासलो. पयस पयस भोवूंक ताका वाज येतालो. गांवांत शेतांत चरपी आनी पांचवें चार तण खावपी एखाद्रो बैल दिसतकच होयबाक आपल्या वाट्याक आयिल्ले जिणेची काकूट येताली. दोंगरार, मळार भोवून पोटभर चरूंक मेळचें अशें ताका मनांतल्यान दिसतालें.

एक दीस गांवांत भोवंडेक आसतना भिकू दनपारचो एका झाडा पोंदा विसव घेतालो. ताणें होयबाक चरूंक म्हणून कुशिच्या मळ्यांत सोडलो थंय एक पाडो चिखलांत लोळटालो. आंगान बरो धश्टपुश्ट आशिल्लो. दुखी होयबाक पळोवन ताणें विचारलें, ''आरे असो तूं दुखी कित्याक? काय बरो गळ्यांत, पायांत अळंकार घाल्यात, आंगार जरीचीं लुगटां आसात. वता थंय तुकां मनशां कडल्यान मान गावता. सगळे तुका देव मानतात. तरी तूं दुखी सो?''

होयबान आपल्या मनांतलें सगळें त्या पाड्याक सांगलें. पाड्यान म्हळें, ''कांय नज. तुका नंदीबैलाचें

काम करचें ना आनी म्हजे सारखो पोटभर चरूंक आनी चिखलांत लोळपाचें आसा जाल्यार सोपो उपाय सांगतां.''

होयबाक तेंच जाय आशिल्लें ताणें म्हळें, ''सांग पळोवया, म्हाका हे कश्टाचे जिणेची साप्प उपगण आयल्या. थोडे दीस तुजे सारखो विसव घेतलों म्हण्टां.''

पाड्यान ताका उपाय सांगलो.

''हें पळय, तुका तुजो धनी भोंवडायता तें तूं हीं नाटकां करता देखून. आयज सावन तूं धनी सांगता तशें वागू नाका. लोकां मुखार होयबा कशी मान हालोंव नाका. पांय वयर करून आशिर्वाद दिंव नाका. म्हणटकच धनी तुकाअसो घेवन गांवार भोवचो ना.''

होयबाक पाड्याचीं उतरां पटलीं. ताणें पाड्यान सांगिल्ल्या भशेन चलपाचें थारायलें.

दुसरे दिसा सावन भिकू जेन्ना होयबाक घेवन गांवांत भोवूंक गेलो तेन्ना तो ओग्गी रावूंक लागलो. पांय उखलून आशिर्वाद दी म्हळ्यार मान हालोवप. हय म्हूण मान हालय म्हळ्यार ना म्हणप अशें ताणें करपाक सुरवात केली. सद्दां उठून अशें करपाक लागिल्ल्यान भिकू बेजार जालो. लोक पयलीं भशेन नंदी बैलाक दान दिना जाले. कांय लोक तर ताका दारारूच घेना जाले. 'कसलो हो अपशकुनी नंदी बैल' म्हण लोक ताका धांवडावंक लागले.

भिकूक चार पयशे मेळटाले तेवूय बंद जाले. बैलाची आनी भिकूची दोगांयचीय उपासमार जावंक लागली. होयबान मात पाड्यान सांगिल्ले भशेन वागप चालूच दवरलें.

निमणो भिकून विचार केलो. हो बैल आतां नंदीबैल म्हण उपकारा पडचो ना. पोट भरतलो जाल्यार दुसरें कितेंय तरी करूंक जाय. भिकून एक बैल गाडो विकत घेवन हमालाचें काम करपाचें थारायलें. शारांत रावतालो देखून असलें काम खूब मेळटालें. ताणें होयबाक गाड्याक बांदून दीसभर सामान हाडपा व्हरपाचें काम सुरू केलें. होयबाक आतां पयलीं परस चड कश्ट करचे पडूंक लागले. दिसभर वोतांत रस्त्याचेर गाड्यार जड सामान घालून ओडचें पडटालें. मात्तूय विसव मेळना जालो.

होयबा मनांत चितूंक लागलो. नंदीबैल आशिल्लों तोच बरो आशिल्लों. त्या पाड्याचें आयकलें आनी नस्तो त्रासांत पडलों.

■■■

- दोतोर (मेजर) प्रकाश शेटये
'मोगरा', देवळाय-खांडोळें

राया पुता डुकराकान्न

एका गांवांत एक महाराजा आशिल्लो. त्या राजाक एकूच रायापूत. अतिसुंदर, अतिहुशार, अतिगुणी. घोड्यार बसून सवारीक वतना, लोक ताका पळयत रावताले. आंगार झगझगीत कपडे, माथ्यार चकचकीत मुकूट! पूण राया पुताले केंस पळोवन लोकांक अजाप दिस. कानावेल्यान केंस बरे वळोवन, केंस मानेर बांदून सोडी. केंस खूपच लांब जाले, तेन्ना राजान दादू न्हाव्याक हजर रावूंक सांगलें.

सकाळींफुडें, दादू न्हावी रायापुताले केंस कापूंक लागलो आनी पळयत जाल्यार कसलें आश्चर्य? रायापुताक डुकराले कान आशिल्ले. दादून्हावी तोंड आड करून, दोळे व्हडले करून, पळयत रावलो. राजान ताका ताकीद केली. ही खबर तूं कोणाकय सांगशी, तुकां रोखडेंच सुळार चडयतलीं.

दादू न्हाव्यान बेगबेगीन रायापुताले केंस कापले. कानावैल्यान केंस घेवन मानेर बांदले आनी घरा आयलो. पूण ताका सुशेग आसा? दीसभर माथ्यांत तें गुपीत घुमत रावलें... वैल्यान, कोणाकय सांगू नजो. दादू न्हावी तळमळत रावलो.

बायल विचारी, ''किदें जालें?''

भुरगीं विचारी, ''किदें जालें?''

पूण दादू न्हावी गप्प! सांजे, ताज्यान कशें रावनज जालें. तो घरांतल्यान भायर सरलो, गांवांतल्यान भायर आयलो आनी बद्द रानांत पावलो. थै कोण ना अशें पळयलें, आनी एक व्हडल्या रूखा मुखार उबें रावन मोठ्या आवाजांत म्हळें,

''राया पुता डुकरा कान, रायपुता डुकरा कान!'' अशें म्हण्टकूच ताका बरेंऽ दिसलें. आनी तो परथून घरा आयलो.

हांगा, रूखान तें गुपीत आयकलें, आनी भितर जिरोवन घेतलें. थोडे दिसांनी लांकूडतोड्यांनीं तो रुख कापून काडलो. लाकडाचीं तीन सुंदर संगीत वाद्यां केलीं; एक संगीतपेटी, एक सारंगी आनि एक ढोल.

राजाल्या दरबारांत संगीत कार्यक्रम आंखिल्लो. संगीत वाजोवपी वाद्यां घेवन आयलीं. संगीतपेटी वाजोवंक घेतली तशें पेटींतल्यान सूर आयले, ''रायापुताऽ डुकराऽ कानऽ.'' पेटीवाल्यान कितलेय प्रयत्न केले, जाल्यार सूर येताले, ''रायापुताऽ डुकराऽ कानऽ.'' हे शब्द आयकून सगळो दरबार तटस्थ जालो. सगळे लोक राया पुताकडेन पळयत फुतफुतूं लागले.

त्या बरोबर पेटी थांबोवन, सारंगीवाल्यान सारंगी वाजोवंक सुरू केलें.

तशे सारंगीतल्यान सूर आयले, ''दादू न्हावी बोले, दादू न्हावी



बोले!''

राजाक आयली तिडक. दादू न्हाव्याक धरून शिपायांनीं दरबारांत हाडलो.

राजान गाज घालो, ''आरे न्हाव्या, येदेंय गुपीत दवरूं जालें ना? हाका सूळार चडयात रे, आत्ताच्या आत्तां!''

दादू न्हावी थरथरूं लागलो. ताणें सांगलें, ''महाराजा, हांवें ही खबर कोणाकूच सांगूंक ना. म्हाका खूब त्रास जाले तेन्ना हांवें रानांत वचून तें गुपीत एका झाडाक सांगलें.''

आयकून सगळ्या लोकांक अजाप जालें. दरबारांत आशिल्लो एक म्हातारो विद्वान मंत्री. तो मुखार आयलो आनी राजाक सांगूंक लागलो,

''रायापुताक डुकराकान आसात, हें गुपीत एक ना एक दीस भायर येताच आशिल्लें. दादू न्हाव्यान रुखाक सांगलें, जाल्यार तो गुन्यांव ठरचो ना.''

राजान दादू न्हाव्याक सोडून दिलो. रायापुताले बरें गूण, आनी स्वभाव पळोवन, लोक ताका डुकराकान आसात, हें विसरूनच गेले.

■■■

-इंदू अशोक गेरसप्पे
कृष्णा, बेंगलोर

अप्रुपाची बाग

गोलू गेलें एकदीस
अप्रुपाचे बागेंत

थंय आसलो कावळो
तो भोंवतालो मेकळो
थंय आसली चानी
तिका जावची दिसताली राणी

थंय आसलो मूस
ल्हवच मारी कूस

थंय आसलो बेबो
ताका आवडटालो रेबो

थंय रावतालो ताल्लो
ताचो इश्ट आसलो जल्लो

थंय रावतालें माजर
दूद पिवंक पयलीं हजर

थंय आसलो सुणो
कोणाय परस नासलो उणो

थंय आसली मूय
माथ्याक तिज्या सदांच उय

थंय आसलो खुबो
राव नासलो सारको उबो

अश्या अप्रुपाचे बागेंत
गोलून केल्ली अप्रुपाची मजा

-राजश्री सैल
मडगांव

पावसाच्यो कविता

१

पावसा पावसा खूप पड
पूण वादळ नाका
वादळ जाल्यार कितलेंय जांव
पूण झाडां पेडां मोडूं नाका

झाडां पडल्यार पडूं
पूण जिवित हानी नाका
पावसा दडको कितल्योच येंव
पूण हुंवार नाका

हुंवार आयल्यार कितलोय येंव
पूण घरां व्हावोंव नाका
घरां व्हावल्यार व्हावूं
पूण लोकांक मारूं नाका

पावसा पावसा पडत यो
पूण उणो पडूं नाका
उणो पडल्यार पड
पूण उदकाक उणाव नाका

उदकार आमची जीण जगता
उदकार आमी निबून आसात
पावसा पडटा तसो पड
पूण घडघड नाका

पावसा घडघडत यो
पूण वीज जोगलां भिरांत नाका

पावसा तूं जाय आमकां
पूण तुजो अच्छेव नाका

तुजे बगर आमचे जायना
म्हूण आमकां सोडून वचूं नाका!

२

पावसा पावसा यो रे यो
आमच्या वांगडा खेळूंक यो
उदकांत भिजून नाचूंक यो
कागदां व्हडीं सोडूंक यो
सरसर यो झरझर यो
वाजत यो गाजत यो
हालत यो धोलत यो
घडघड यो कडकड यो
गर्जेत यो खर्शेत यो
मोठ्यान यो हळूच यो
हुन्नांत यो सावळेंत यो
सकाळीं यो सांजेचो यो
कसोय यो केन्नाय यो
तुका जाय तसो तूं यो
तूं यो पूण खऱ्यानीच यो
पावसा पावसा बेगीन यो

- सदानंद तेंडुलकार
खोडयें, सत्तरी

मूठ जाली

हाताचीं पांचूय बोटां
लागलीं एकदीस झगडूंक
हेंच झगडें पडलें माल
दिसान दीस गेलीं सुकून

आखाणो म्हणूंक लागलो
हांव सगळ्यां परस हुशार
कितेंच शिक नासतना
सई करूंक सदांच तयार

मदलें बोट उठलें
हांव बोटांचो राजा
दोन शिपाय उजव्यान
दोन शिपाय दाव्यान

मुदयेचें बोट सांगता
हांव सगळ्यां परस गिरेस्त
म्हज्या हातांत मुदी
काडीत सगळ्यो यादी

हातानी मारली ताळी
जाप तांकां मेळ्ळी
पांचूय बोटां आंवळून
मूठ जाली, मूठ जाली



- भिकाजी घाणेकार
लिदिया गार्डन
सांतीनेज पणजी
फोन: २४३१३६५

आमी कोणाक वेंचून हाडचो?

दिगंबर कामत

मडगांव मतदार संघ

जून म्हयन्याचो अंक तयार जाला आनी ज्यूस्त १ जूनाक तो वाचप्यांच्या हातांत पडटलो. आनी २ जूनाक गोंयचे लोक विधानसभेचे वेंचणुके खातीर मतदानाक भायर सरतले.

आपणें कोणाक मत दिवंचें वो मत दिवंक भायर सरचें न्हय हें आतां मेरेन गोंयच्या दरेक मतदारान थारायलां आसतलेंच!

मतदाना खातीर भायर सरपी मतदारां मदीं वेगवेगळ्या विचारसरणेचे लोक आसात. उमेदवारान हाताक दुडू लायल्यात आनी आपलीं मतां विकतीं घेतल्यांत म्हूण कांय जाण मतां मारूंक वतले. आपल्या पक्षा कडली लागणूक पाळपा खातीर पक्षाच्या उमेदवाराक वेंचून हाडूंक कांय जाण कर्तव्य म्हूण मतदानाक वतले. थोडे जाण एक्कूय उमेदवार लायक ना, सगळे चोर, फटींग, भ्रश्टाचारी म्हूण घराच बसून रावून, लोकशायेन दिल्लो मतदानाचो पवित्र हक्क पाळिनासतना रावतले!

हें सगळें अशें वातावरण आसतना म्हज्या सारख्या साहित्यिकाकूय प्रस्न पडटा. आमी मत दिवन वेंचून हाडपा सारको उमेदवार आयज आसा व्हय गोंयांत?

अमृता प्रितम ही नामनेची साहित्यकार. अत्यंत संवेदनशील बायल मनीस. तिणें इंदिरा गांधी प्रधानमंत्री आसतना तिका एकदां विचारिल्लें, तुज्या मंत्री मंडळांत एकूय बरो मनीस कसो ना?

तेन्ना इंदिरा गांधीन तिका म्हणिल्लें, आपणें चाळण लावन बऱ्यांतले बरे लोक वेंचून काडपाचो प्रयत्न केला.

आयज गोंयचें राजकीय वातावरण आनी परिस्थिती जेन्ना आमी नियाळटात तेन्ना आमचे संकल्पनेंतलो आदर्श राजकारणी,आदर्श उमेदवार सोदप म्हळ्यार आमी आमचेच कडेन प्रतारणा करप. आमी स्वप्न रंजनांतल्यान भायर सरून काळा वांगडा मुखार सरूंक जाय आनी बऱ्यांतलो बरो उमेदवार वेंचून काडून दिवंक जाय. तीच आमची लागणूक थारता.

आतां बिम्ब परिवाराचो मुखेली आनी मतदानां आदले दिसा हो अंक वाचकांच्या हातांत दितां तेन्ना हांव आयच्या काळार कसो विचार करतां आनी आमी साहित्यिकांनीं कोणाक मत

फिलीप नेरी रॉड्रीग्ज

वेळी मतदार संघ

दिवप काय असो विचार करतां तेन्ना मनांतल्यो भावना उक्तावप गरजेचें मानतां.

बिम्ब मासिक सुरू करून पांच वर्सां उलगलीं. हें मासिक कांय जाणांक हांव फुकट धाडटां. तातूंत लोकप्रतिनिधींचो आसपाव हांवें केला. तांकां असल्या वावराचें व्हडलेंशें पडून गेल्लें ना हें खबर आसुनय हांव धाडटां. फाटल्या ह्या ५ वर्सांच्या काळांत्त अंक पावूंक कळाव जालो जाल्यार अंक ह्या म्हयन्याक काडूंक ना काय म्हण फोन करून फक्त दोन आमदार खबर घेतात, एक मडगांवचो आमदार दिगंबर कामत आनी दुसरो वेळीचो फिलीप नेरी रॉड्रीग्स.

म्हजें मासिक चलता काय ना हाचो तांकां कसलोच राजकीय लाब नासतना ते चवकशी करतात तेन्ना आयच्या ह्या राजकीय वाळवंटांत हांचे सारखें मृगजळ मनाक थाकाय दिता तेन्ना तांकां ह्या लेखांतल्यान हांवें नैतीक फाटबळ दिवंचें अशें म्हाका दिसलें.

फाटल्या ४० वर्सांत्त गोंयांत कितलेच मंत्री जाले आनी गेले आनी तांतल्या कांय जाणांनी कला आनी संस्कृती खात्याचेंय मंत्रीपद भोगलां.

साहित्यिक आनी कलेच्या मळावेलीं मनशे संवेदनशील आसतात. देखून तातुंतले खुबशे जाण राजकारण्या पासून पयस रावतात. राजकारणी मनीस सामान्यतायेन उर्मट, सुबेज आनी मदांत अशी तांची भावना आसता. प्रतिमा आसता. पूण दिगंबर कामतीक कला-संस्कृती खातें मेळ्ळें आनी कलाकारांच्या मनांत राजकारण्यां विशीं तयार जाल्ली प्रतिमाच बदलून उडयली.

दिगंबर कामतीन कला-संस्कृती-साहित्य मळावेल्या लोकांक लागीं केल्यात. ते पयलेच अशे मंत्री जे साहित्यिक-कलाकारांचे प्रस्न समजूंक पावले. हातूंत फक्त नामनेक पाविल्लेच कलाकारूच न्हय तर गरीब दुर्बळ किर्तन, भजन कलाकारूय आसात. ह्या लोकांची फक्त वयल्याचाराक तुस्तूच ताणीं केली ना तर सरकारी येवजण्यांचो फायदो तांकां मेळोवन दिलो.

दिगंबर कामतीच्या काळांत कला-संस्कृती खातें गरीब कलाकारां खातीर हक्काचो आलाशिरो थारलो. आज पर्यंतच्या खंयच्याच सांस्कृतीक कला मंत्र्यान कलाकारां खातीर करूंक नाशिल्लो वावर दिगंबर बाबान केला. गांवगिऱ्या आनी शारांतल्या कलाकारांक वेंचून काडून तांचो सन्मान करप आनी जाण्ट्या कलाकारांक पेन्शन दिवप ही येवजण कोणेंच हे आदीं येवजूंक ना.

कलेच्या मळावेल्या लोकांक राष्ट्रीय पुरस्कार लाबप हें गोंयचें भाग्य. पूण असल्या कलाकारांची आयजवेर कोणेच तोखणाय करूंक नाशिल्ली. महाराष्ट्र सरकारान फाटीं साहित्य अकादेमीन पुरस्कार दिवन सन्मानीत केल्ल्या साहित्यिकांक एक एक लाख रूपया दिवन सन्मान केल्लो. दिगंबर

व्हितोरीया फेर्नांदिस
सांताक्रुज मतदार संघ

कामतीन तीय आपल्याची लागणूक मानून तसलीच येवजण राबयली.

कला आनी संस्कृती खातें, गोंय कला अकादमी, राजीव कला मंदिर, रवींद्र भवन आनी गोंयभरच्या कला आनी सांस्कृतिक मळार वावुरपी साबार संस्थांक वयर काडूंक आदार दितनाच साहित्य, नृत्य, संगीत, नाट्य आनी कलेचो आस्वाद घेवपी व्यक्ती जी राजकारणांत दुर्मीळ आसता तिका जर परतून वेंचून हाडप ना जाल्यार कोणाक हाडप?

वेळीचे आमदार फिलीप नेरी रॉड्रीग्स हीय अशीच एक मनस्वी व्यक्ती. इस्कोलांत आसतना म्हजो धडो तो शिकिल्लो. बिम्ब अंक घराकडेन पावले बराबर वाचून काडपी आनी तातुंतलें कितें आवडलें तें मुजरत फोन करून सांगपी.

कोणूय मंत्रीच न्हय सादो आमदार जालो म्हण्टकच ताका दिसता आपणें सर्गाक हात लायलो. आपूण सर्वज्ञ. आपल्याक सगळें कळटा. तेच बरोबर एक गुर्मी ताका चडटा. मदांतपणा येतात.

पूण फिलिप नेरी म्हळ्यार सादेपण. बिम्ब परिवाराचो तो सदस्य. ताणें परतून वेंचून येवचें अशें म्हाका दिसप साहजिकच.

पूण फिलिप नेरीच्या राजकीय जिवितांत खुबशे भोगणार आयल्यात. ताका विधान सभेंतल्यान पोलीसांकडल्यान उखलून व्हरपाचें लेगीत प्रकरण घडलां. तरी ह्या सगळ्यांचेर जैत मेळोवन फिलिप नेरी थंड चित्तान वावरत आसा. ताच्या सादेपणाक लागून, नमळायेक लागून आनी आपल्या मतदार संघांत ताणें केल्ल्या वावराक लागून सर्वसामान्य लोक ताचे फाटल्यान आसात. तरी चर्चिला सारखो मनीस ताका उडोवपा खातीर नाडेपेन्ना करीत आसा. आयच्या काळार जे लोकांक रेस्पेद दिवंक जाणांत, मान-सन्मानान वागोवंक जाणांत अशे हाताच्या बोटांचेर मेजपा सारके उमेदवार आसात तांकांच जर विधानसभेच्या सभाघरांतल्यान भायर दवरपाचो यत्न जालो जाल्यार तांच्या फाटल्यान कोणे रावपाचें हो प्रस्न पडले बगर रावना.

सांता क्रूज मतदार संघांत सद्या झूंज चल्लां. हे वेंचणुकेंत सांताक्रूजच्या मतदारांची कसवट दिसून येतली. लोकांक सद्या कितें जाय हाची गवाय सांता-क्रूज मतदार संघ दितलो.

सांताक्रूज मतदार संघांत व्हितोरिया फेर्नांडीस आसा आनी अपक्ष म्हूण जेनीफर मोंसेरात रावल्या. भाजपचो अनिल होबळे आसा. पूण खरें झूंज चल्लां दोन बायलां मदीं. एक व्हितोरिया फेर्नांडीस आनी दुसरी जेनीफर मोंसेरात. व्हितोरिया

फेर्नांडीसाक स्वताचें अस्तित्व आसा. जेनीफर ही बाबुशाची बायल हेंच अस्तित्व.

व्हितोरियान आपली पुराय जीण लोकसेवेक ओपल्या. ओपिनियन पोलाचे बापूय कोणूय जांव. व्हितोरिया ओपिनियन पोलाची आवय.

ते काळार दादल्यांक शक्य नाशिल्ली ती धिटाय व्हितोरियान दाखयल्ली आनी शेकड्यांनी बायलांक मोबलायज केल्लीं. तेन्ना सावन पुराय गोंयच्या लोकांचे प्रस्न घेवन ती झुंजत आसा. अडलेल्या नडलेल्यांक पावत आसा. चळवळींत आपलें पुराय जिवीत घालयल्ली ही गोंयची झांशीची राणी एके वटेन आनी दुसरे वटेन दुडवांच्यो राशी घेवन सत्ता भोगूंक मुखार सरिल्ली आनीक एक बायल! हें झूंज सत्य-असत्य, बरें-वायट हाचे मदलें. म्हज्या सारख्या चळवळींतल्यान वयर आयिल्ल्याचें मत मामी बगर दुसऱ्याक वचूंक शकना. गेलें जाल्यार असत्याचें फावतलें. पूण हांव थंयचो मतदार न्हय. पूण थंय म्हजे कितले तरी विद्यार्थी आसात. हांवें केल्ल्या विद्यादानाचो, दिल्ल्या विचारांचो तांचेर कितें प्रभाव पडला खबर ना. पूण सांताक्रूज हे खेप व्हितोरिया पडली जाल्यार गोंयचें कांयच खरें न्हय!

आतां शेवटाक थोडें विजय सरदेसायाविशीं. हो देस तरनाट्यांच्या भुजार आसा. मतदानाचो अधिकार १८ वर्सांचेर हाडून तर तो भार चडूच वाडयला.

आयज ४० सूय मतदार संघांत तरनाट्यांचें प्रतिनिधीत्व विजय सरदेसायूच करता. विजयाक हांवें आंगाखांदार खेळयला म्हळ्यार जाता. बऱ्या वैचारीक बैठक लाभिल्ल्या घराण्यांतल्यान तो आयला. पयलीच वेंचणूक म्हणटकच अजून तो विचार आचारान शुध्द आसतलोच. आयज उमेदवार म्हूण जे कोण वेंचणुकेंत देंवल्यात वा

विजय सरदेसाय
फातोर्डा मतदार संघ

जांकां उबे केल्यात तातूंत विजय सरदेसाय येवंक जाय. आयज राजकारणांत महिला वर्ग दुर्लक्षीत आसा तसो युवा वर्गुय. आयज युवकांचो वापर कोणतरी स्वत: वेंचून येवंक करता आनी मागीर ताका रस्त्यार सोडटा. ताच्यो समस्या सोडोवपा खातीर विजया सारख्याक मतदारांनी एक संद दिवन पळोवंक जाय. आमकां आयच्या युवकांकडल्यान कितें मेळूं येता आनी तांची तांक कितें हें तरी कळूं येता.

कितें घडटलें तें ५ जूनाक कळटलें. पूण हें बरोवप सहज स्फुरलें. म्हणचे मनांत घोळटा तेंच कागदार देंवलें. आतां फुडलें मतदार राजाच्या हातांत!

दिका

पॅरोल

मोग आसल्यार गरम भजीं घांटार पावतात. मोग आसल्यार एक मनीस दुसऱ्या मनशांपासत जीव लेगीत दिवंक तयार आसता. मोग आसल्यार वांकडे विचार लेगीत बऱ्या दृश्टीकोनान मुखार येतात. मनशाक दूरदृश्टी आसल्यार हो मोग आपोआप तयार जाता. एक चलो आनी चली लेगीत आपल्या सुवार्थी हावेसान मोगान पडटात म्हळ्यार तांचेमदीं मोग तयार जाता. नवे विचार, नवे हावेस, जिविताची नवी कोमरी ह्या मोगांतल्यानच तयार जाता. न्हिदून पडिल्लो मनशाचो भेजो कामाक लागता आनी नवी फांतोड जल्माक येता. होच तो मोग मनशाक नवी धारणा दिता आनी तांचें जीवन फुलोवन उडयता.

असोच एक जयपुराचो मनीस कितल्या व्हड हावेसान संवसाराकडेन झगडटा, कायद्याकडेन झुजता, न्यायसभेकडेन आपणाली विचारशक्ती वापरता आनी पुलिसांक आव्हान करता. गगन पंडीत ताचें नांव. पिराय २५ वर्सां. बी. ए. मेरेन शिकला आनी पयल्या वर्गांत पास जाला. तो एक तरनाटो विद्यार्थी फुडारी. हरशीं शांत स्वभावाचो पूण भ्रश्टाचार आनी राजकी उलाडाली ताच्यान कश्योच खपोवन घेवंक जाल्यो नांत. ताणीं ताचेर आवाज उठयलो. कॉलेजीवेळार आशिल्ल्या सहकाऱ्यांचें सहकार्य घेवन राजकी मनशाच्या नाकांत दोरी घातली. बऱ्याच प्रमाणांत ताका यश मेळ्ळें. काळो बाजार आनी भ्रश्टाचार त्या वाठारांत बरोच कमी जालो. पूण ताचो आश्रयदातो कोणतरी आसताच न्ही? ताचे विरूध्द जाळ रचलें आनी ताका एका खुनाच्या आरोपांत घुस्पयलो. न्यायसभेंत ताचें आयकुपाक कोणच ना. पुलिसांमदीं ताका सांगात दिवंक कोणच ना. राजकी मनीस मात पयस रावन हांसतना दिसताले. ताची गरीब फामील कांयच करूंक शकली ना. ताका जल्मठेप बंदखण फाव जाली.

हांसतो-खेळटो तरनाटो जेन्ना बंदखणींत पावलो तेन्ना ताचें मन आनी काळीज घुस्मटपाक लागलें. पयलीं म्हळ्यार विनाकारण बंदखण आनी दुसरें म्हळ्यार बंधिस्त जाल्लें तरनाटेपण. तो उचांबळ जावपाक लागलो. बंदखणींतल्या सुरवेच्या दिसांनी ताणें बरोच बोवाळ केलो, आवाज केलो. जेवणाचेर राग काडलो. मागीर ताणें आपणाकच समजावन घेतलो. आपलो सभाव बदल्लो. वागणूक बदल्ली. आपूण निर्दोश आसतना ख्यास्त भोगतां, हातुंतल्यान केन्ना तरी सुट्टलों अशी ताका आस्त जावंक लागली. तो आपल्या जिविताचेर आनी फुडाराचेर विचार करपाक लागलो.

आपल्या इश्टांकडल्यान तो पुस्तकां हाडून घेतालो. तातुंतल्यान ताच्या गिन्यानांत आनीक भर पडटाली. अशेंच एक पुस्तक वाचतासतना ताका बंदखणींतल्यान सुटका मेळना, मेळटलीय जाल्यार कोण जाणां. शिक्षा दिल्या त्या प्रमाण आनीक चार वर्सानी सुटूंक जाय. ते उपरांत आनीक कसलें जाळ मांडून दवरलां जाल्यार कोण जाणा. कित्याक, चाळयल्लो सोरोप तसो वोगी रावना हें सगल्यांक खबर आसता.

एक दीस ताणीं आपले आवयक आपोवन हाडली.

"म्हाका लग्न जावपाचें आसा."

"लग्न." ती हांसपाक लागली.

"बायलेक हाडून हांगा बंदखणींत दवरतलों आनी संवसार हांगाच सुरू करतलो?" तिका लेगीत लज दिसली आपल्या पुताचीं उतरां आयकून.

''तूं म्हाका एक चली पळय आनी तिच्या घरच्यांक स्पश्ट सांग हांव निर्दोश आसूनय बंदखण भोगतां ह्या राजकी मनशांक लागून. म्हाका पटलां हांव ताचेकडेन झुजूंक शकना.. तेन्ना एक दीस हांव हांगाच्यान सुट्टलों. तेन्ना म्हजो खरो नवो संवसार हांव चालीक लायतलों.''

मागीर कितलोच वेळ ताणें आवयक समजायली आनी आपल्या पुताची केवीलवाणी जीण चुरचुऱ्याची दिसली. उपरांत ताणें रोकडीच पॅरोलाखातीर अर्जी दिली. अर्जीचेर भासाभास जाली. पुलीस आडमेळीं हाडपाक लागले.

''ही आनीक हाची कसली खेळी?'' हें येवजून स्थानीक राजकी मनीस भियेले. विनाकारण तांची न्हीद हराम जावपाक लागली. दुसरे वटेन गगन पंडीता बरोबर शिकपीच एक चली ताचेकडेन लग्न जावंक तयार जालें. तेंय विद्यार्थी फुडारी म्हण काम पळयतालें आनी दोन-चार फावट ताका मेळून गेल्लें.

अटितटीच्या भासाभाशे उपरांत गगन पंडीताक सात दिसांच्या पॅरोलाचेर सोडपाचो आदेश दिलो. पुलिसांनी मात आपली लज राखपाखातीर तो पळून वचत म्हण ताच्या हातांत बेडयो घालून दवरपाक यश मेळयलें. सात दिसांखातीर गगनान बरोच प्लान केलो. कशे तरेन आपूण ह्या सात दिसांचो उक्त्या मळबांत आनंद लुटतलों हे विशीं येवजून दवरलें. ताणें देवाक आर्गां दिलीं आनी आपले व्हकलेक सविस्तरपणान समजायलें. तेंय एक सुशील चली. गगनाची चाल रोकडेंच समजलें. दोनय घराण्यांनीं लग्नाची सगली तयारी केली आनी गगन पॅरेलाचेर सुटलो. मात पुलिसांनी ताच्या हातांतल्यो बेडयो कश्योच काडल्यो नात.

पॅरोलाचेर सुटले उपरांत दुसऱ्या दिसाक ताचें लग्न जालें. लग्नाक आयिल्ल्या



जायत्या जाणांच्या मनांत एकच प्रस्न आसलो ''गगनान कित्याक घाई केली? बंदखणींतल्यान सुटले उपरांत लग्न करूंक जायनासले?'' हें गगनाच्या लक्षांत आशिल्लें. देखून लग्न सुवाळ्या वेळार दोन उतरां उलोवपाचें धाडस केलें.

''मनीस ह्या संसाराचो भागेली. जेन्ना म्हजो वेळ येता तेन्ना सगल्यांक भाग फाव जाता तशें म्हाकाय ह्या संवसाराचें सूख भोगपाक भागेलीपण फाव जावंक नाका? हांव चोरयां लग्न जावंना. हांवें दोनय घराब्यांक एकठांय हाडून लग्नसुवाळो सोबयला. कित्याखातीर? हांव निरपराधी म्हण दाखोवपाखातीर. म्हजे बायलेन म्हाका निरपराधी म्हण मानून घेतलां. देखून म्हाका समाजाकडेन नातें दवरपाचें आसा. तुमी इतले समस्त लोक हांगा हाजीर जाल्यात ती म्हज्या निरापराधपणाची दुसरी गवाय. हांव बंदखणींत आसपाचें म्हाका दुख्ख ना. दुख्ख इतलेंच की न्यायसभा आनी पुलीस म्हजेर विस्वास दवरनांत म्हणून ताणीं म्हज्या हाताच्यो बेडयो काडूंक नात. म्हजे बायलेक हांव एक परकी आसचोना, तुमी तिका सांबाळटले ही म्हजी अपेक्षा. जेन्ना कोणालो घरकार परदेसांत नोकरेखातीर वता आनी चार पांच वरसांनी येता, तेचवरी हांवूय येतलों. घडये फाल्यांच एक वर्सान जांव चार वर्सांनीं. समाजाची बांदीलकी, समाजाचो मोग, आनी समाजांत जुळून रावंक हांवें एक संदी घेतल्या. तुमी म्हाका समजून घेतले म्हण हांव आशेवन रावतां.''

आतां म्हळ्यार एक म्हयनो जाला आसतलो ताच्या लग्नाक. दोनय घराबे खुशाल आसात. एक नवी कोमरी तांच्या नव्या संवसाराची तांकां हांसोवन-खेळोवन दवरता. लग्न जाले उपरांत तरी न्यायसभेक आपणालें निरपराधपण कळटलें अशी ताका आस्त आसा. आज ताणें समाजाक जिखून घेतला आनी समाजान ताचेखातीर न्यायसभेकडेन भोगसुपाचो अर्ज केला. पूण गगन पंडीत अजूनय म्हण्टा, ''म्हाका समाजाचो मोग आसा. त्या समाजांत म्हाका जगूंक दियात. हांव समाजाचो भागेली, समाजाक खांद मारूंक दियात. हांव समाजाच्या मोगाक भुकेल्लों, ही भूक मारून उडयात.''

एक नवो विचार हांवें मांडला. अशे कितलेच जण बंदखणींत सडटात आसतले. दुसऱ्याच्या पापाक जाप दिता आसतले. तांकां आमी समाजांत मानान हाडून लेखपाचो यत्न करूया आनी खऱ्यानीच जे कोण न्यायसभेंत चिड्डले आसात, चड करून राजकी मनशांक लागून तांकां आमी आदाराचो हात दिवंया. नवो समाज घडोवंया आनी बरीं उदाहरणां जावन समाजाकय नवी दिका दिवंया.

■■■

-विन्सी क्वाद्रूस
'स्नोज कृपा'
आर्लेम राय
मो : ९८२२५८७४९८

कीट



एक कीट वाऱ्यान उडली
ल्हव वचून तणार बसली
सांजेच्या रंगान ती रंगिल्ली
रोकडोच गोबर जावन
बाबडी नाच्च जातली आशिल्ली

कोणे एकट्यान बेश्टीच फूंक मारली
जातालो गोबर उडून गेलो
कीट फुलली, व्हडली जाली
तिजी ताम वाढली
सांज आनीकूय तांबडी जाली

गीम तापिल्लो, तण सुकिल्लें
किटयेची ताम करडान घेतली
उजो लागलो, रान पेटलें
रान पेटतकूच, हुलोप लागतकूच
फूंक मारपी कुशीक सरलो

संसारांत किटयो खूप आसतात
फूंक मारपीय आसतात
फूंक मारिना जाल्यार
किटयेचो उजो तिजेकडेंच थंड जाता
तिजीय जीण खिणभरूच आसता

अशीच एक कीट रेल्वेच्या डब्यांत बशिल्ली
कोणे तिका चिमटेंत धरून प्लॅटफॉर्मार उडयली
संसारभर कडकडीत गीम पडिल्लो
कीट तडतडीत उठली
सुकिल्लें रान जळलें, नवें रान किल्ललें

कीट खुपदां सुवार्थांतल्यांनूच उठता
तिका फूंक आपुणूच मारता
करडूय आपणेंच घालचे पडटा
कुयदाद घेना जाल्यार
गोबरूय आपलोच जाता

सगळ्यांत पेरीग कीट दोन नदरांतल्यांत उडता
ही एक कीट संवसाराच्यान पळोंव नजो
हिचीय जीण खिणभरूच आसता
संसार तिका फुंको मारीत आसता
सांजूच न्हय, दीस आणी रातूय गुलाबी करता

-कालिदास सावकार
९३२६१०१९७३

उतर

उतर
एक काळजाक तोपपी बाण
उतर
एक शितळ उदकाचो वजरो
उतर
एक नातें जोडपाचें साधन
उतर
एक मन लागीं करचें माध्यम
उतर
एक व्होड विश्वास
उतर
एक जिणेची मोख
उतर
एक न सुटचें बंधन
उतर
एक व्हड कुवाडें
म्हणुनच
मनशाक उत्तर, गोरवांक दायें

- संदेश बांदेकार
काजुवाडो
सदाशिवगड-कारवार

अनसरी

गांवांत म्हाका दिसल्या एक सोबीत गळसरी
रंग रूप मोरनी वरी आंगान भरझरी

आंगभर आंगणांत तुज्या कुटुंब्यांचो खेळ
जायां-जुयां परमळ ओंपीत उबो व्हडलो मेळ
तुज्या खातीर काडल्या वेंचून नांव अनसरी

लिखलिखता मदीं कनांतलीं गो कुंडलां
ताका पळोवन याद येता कांमेच्याच्या कंडुलां
वडामुळांत बसता जशी काय रानसुंदरी

तुस्त तुजी करूंक म्हजीं उतरां पडटा ल्हान
गळ्यांत जाच्या पडत ताची उंचावतली शान
जप तुजोच चल्ला म्हज्या मन मंदिरी

-सुनील पालकार
नावशी



पावसा कवन

सतायत शीण तन-मनाचो
आयज गा पावस येतलो ...

देखणीं कुपां मळबांत पळोवन
मोरान फुलयलो पिसारो
झाडा-प्याडांक खदखदायत
हांसत धांवलो पिसो वारो
आयज गा पावस येतलो.....

सैम कसो धुंद जाला
घेतिल्ल्यावरीं काटभर सोरो
अर्दी-मर्दी जावपाक लागला
जोगुलांचो जायतो मारो
आयज गा पावस येतलो

थेंब एका अमृताचो
सोदता मळबान एक तारो
कंठात कशी तान घेवन
चातक फिरता मारो मारो
आयज गा पावस येतलो

दोळ्यान भांगराळ सपनां
फाल्यांचीं, पळयतात नजरो
पावस हो नीज शेतकाऱ्याक
एक म्हालगडो आसरो
मातयेंत जीवीत उबारीत येतलो

गीम कसो उकलीत गेलो
पावला, गरगरायत भंवरो
धुंद सैमान सुटलो असो
नीजाचो वादळी वारो
आयज गा पावस येतलो

पांचवी पांचवी पांचवीचार भूंय
सजोंक पावस गा येतलो
सतायत शीण तन-मनाचो
आयज गा पावस येतलो
आयज गा पावस येतलो

-प्रीतेश मंगेश परसाई
हरमल, पेडणे

पांचवो रंग

पांचवो रंग
म्हज्या लग्नातल्यां हातातल्या
पांचव्या चुड्याचो
पांचवो रंग
म्हज्या लग्नांतल्या न्हेसपाच्या
पांचव्या शालवाचो
पांचवो रंग
म्हज्या मोगाच्या प्रतिमेचो
पांचवो रंग
म्हज्या देवीच्या कापड साडयेचो
पांचवो रंग
म्हजे समृध्दिचो
पांचवो रंग
म्हज्या, तुज्या, सगळ्यांच्या आवडिचो।

सौ. दिपा दिलीप खोलकार
दिकरपाली मडगांव
फोन नं.: २७६६००३

(धर्तरी पावसाक सांगता)
तुजे येवचे वाटेर लावन दोळो
रावता तुका जीव हो भोळो
हून वोतांत दीस सारतां
तूं येतलो म्हण मन आशेता

दिका दिकांचे मोने उले
सळसळोवपी जापेक तुजे आशेले
सोशीकतायेची अस्तुरी भूंय हांव
धुंगशिले, पोखरिले दोंगर जाले रिते
पांचवे चार सैमा जाग्यार कॉंक्रीटाचें नातें

भोंवडी मारून येवपाची आसता तुजी तरा
उशीर तुका जाल्यार खंत भोगता संवसारा
मोयपासाचो झरो व्हांवता तुज्या रूपान
आंकऱ्यो जिविताच्यो घेता जन्म नव्यान

बदल घडटा रूपांत म्हज्या खिणा खिणाक
पर्यावरणार आयलां संकट आधुनिकतेच्या नांवान
आडखळी वाडत आसात येवचे तुजे वाटेर
पूण नेम तूं चुकोंव नाका घाल इतलो आयेर

सौ. मंगला नागराजन
दोनापावल, गोंय

वाट

वाट, वाट म्हणीत
हांव वाट सोदतां ...
दोळ्यांर येतात कितल्योच वाटो
खंयचे वाटेन वच्चें
तेंच मागीर येवजूंक लागतां
वाटो जातात वाटकुळ्यो
मागीर हांवूच
वाटांक घुंवत उरतां
थंयचे थंयच
पावलांतूच घुसपतां

- मिनीन आल्मेदा
फातोड्डे मडगांव
मो. ९८८१२८०८२१

कथुली

कादंबरी जल्मांक घालतना !!!

फुकट मेळटा जाल्यार केन्ना कोणाक नाका जालां? फाटल्या कांय दिसांच्यान सुरेश म्हजे फाटीक लागला. विचारता, 'केन्ना फावता?' हें सगळें इतलें सोपें आसता अशें केन्नाच दिसूंक नासलें. शेवटाक ह्या संवसारांत दोनूच तर जाती आसात, एक नर आनी दुसरी मादी!

जाल्ला दुसऱ्याच्या दोळ्यांतल्यो भावना वळखुपाक कळल्यो तो हो संवसार जिंकलो.

सुरेशाच्या तळहातार हेरांपरस आनी एक रेशा मायज आसा, तिका तो बायल सुख म्हण्टा. जे कचेरींत तो कामाक आसा थंयच्या चडश्या बायलवर्गाकडे हाची खूब जवळीक आसा. केन्ना केन्ना हो सुरेश म्हाका फोन करता आनी म्हण्टा 'घे उलय. तें तुजेकडेन उलोवंक सोदता!'

ना वळख ना पाळख, तरीय ती चलयां वा बायलां म्हणात फोनार म्हजे लागीं उलयतात. खरें म्हळ्यार तांचो फोन येवप म्हळ्यार भिरांत. भिरांत हाचे पासत, चुकून खंयचेय वळखिचे बायलेकडेन सापडल्यार?

एक दीस फोन करून सांगपाक लागलो फ्री आसा जाल्यार यो तुकां बायलमनशांचेर नॉवेल बरोवपाक योग्य आसा. कितें तें तुजे नॉवेलिचें नांव?

'सील पॅक प्रायव्हेट लिमिटेड' हांवें म्हणलें.

'तर बेगीन मेळया. तुजी नॉवेल रोखडीच बरोवन जातली. बायल रगड गिरेस्त. जाय जाल्यार छापणावळीचोय खर्च उबारतली.'

म्हज्यो आशा आकांक्षा पल्लवीत जाल्यो आनी एक दीस आमी तिगांय म्हळ्यार हांव, सुरेश आनी मारिया एका हॉटेलांत मेळ्ळीं. पणजेचें हॉटेल. कडेकच तांचें ऑफीस. सुरेश आनी मारिया मडगांवचीं. हांव नावेलिचों. म्हळ्यार अर्दो मडगांवचो. सुरेशाक आनी एक डेट आशिल्ल्यान तो गेलो आनी वतना म्हजी आनी मारियाची गांठ भेट घालून दिली.

बायलां कडेन उलयतना खंयच्या विशयाक कसो हात घालपाचो हें म्हाकां ज्युस्त खबर आशिल्ल्यान आमी रोखडींच दोगांय 'त्या' विशयार पावलीं. इतलो वेळ खरें म्हळ्यार आलायतें उलोवन आमी वेळ वोगडायल्लो.

हें जिवितूच अशें फक्त इंजोय करपाचें. पूण तांकां जाय तेन्ना.

हॉटेलांत आमी चड वेळ बसलीं ना. मारियाची गाडी आसा. आमी दोगांय मडगांव येवपाक भायर सरलीं. मारिया पळयल्यार सामकें बऱ्या संस्कारांत वाडिल्लें चली. ताचे लागीं सगळें आसा सोडून घरदार. तो दुबाय आसता. देखून हाका हांगा रान मेकळें.

आमी दोगांय कित्याक एकठांय आयल्यांत तें दोगांकूय खबर आसलें. मडगांव येतना गाडी मात्शी आड वाटेर ताणें घेतली. आनी कसलीच लज भीड बाळगी नासतना आमी एका मेकाच्या कपड्यांक हात घालो.

कांय खिणांत फुडले वाटेक लागलीं. तें म्हाका आपल्या बंगल्यार घेवन आयलें. त्या येद्या व्हडल्या बंगल्यांत तें आनी ताचीं जाण्टीं आवय-बापूय तितलीं रावतालीं. दोगांय आमी ताच्या बेडरूमांत गेलीं आनी दुसऱ्या रावंडाक हात घालो.



एक घरंदाज बायल मनीस ह्या स्थराक कित्याक पावता? हाचें नेमकें चित्रण म्हाका म्हजे कादंबरींत 'सील पॅक प्रा. लि.' हातूंत करपाचें आसलें. उगड्या आंगानिशीं हांवें ताच्या भुचकाळाक हात घालो. ती एक अशी बायल मनीस आसली जिका आयुश्यांत केन्नाच कितें कमी नाशिल्लें.ज्या वातावरणांत वाडिल्ल्यान काजरा पयलीं ल्हान पिरायेर तीग जाणां कडेन तिचो संबंद आयिल्लो. पूण आयज ती ताका भुरगेपणां म्हण्टा!

आतां काजार जाल्यार तिका तीन वर्सां जाल्लीं. फाटल्या तीन वर्सांत तिजे जिवितांत कितले आयल्यात देव जाणां, हें येवजिता आसतनाच ती म्हणपाक लागली, 'कितें येवजिता? तूं पयलोच. आमकां बायलांक दादल्यांक वळखूंक कितें कळना?' आनी ती म्हज्या आंगार लवंडली.

मनशान एक वेळ पोटाची भूक सोसूंक जायत. पूण पोटा सकयली न्हय हाचें उदाहरण म्हळ्यार मारिया. सुरेशाक तर ताणें केन्ना आपल्याक हात लेगीत लावपाक दिवंक ना. तें व्यभीचारी न्हय. ताच्या जिवितांत आयिल्लो हांव पयलो परकी मनीस. जाचे कडेन ताचो हो संबंद दवरिल्लो.

पूण हांवूच कित्याक? कारण सामकें सादें. हांव एक लेखक. लेखकाक अश्लीलता खबर नासता. ताका कळटा तो फक्त श्रृंगार. म्हजे विशीं ताणें जाय ते जाणां कडल्यान आयकल्लें. म्हजें लिखाण ताणें वाचिल्लें. म्हजेर ती प्रभावीत जाल्ली. म्हज्या कथांनीं तें आपल्याक सोदपाचो यत्न करतालें आनी हांवें जेन्ना सुरेशाक फाटीं म्हणिल्लें कीं हांव घोव भायर गेल्ल्या एकसुरे बायलेच्या जिविताचेर कादंबरी बरोवपाचें येवजितां पूण मटेरियल मेळना तेन्ना तें आपूण जावन तयार जाल्लें.

जेन्ना हांवें ताका पयले खेप हॉटेलांत पळयल्लें तेन्ना म्हाका तें, सुरेशाच्या भुतकाळा वेल्यान बऱ्या घराण्यांतली बेताल शिंदळकीच दिसलें. पूण एके बायलेचे जिणेक अशेंय एक तास आसूं येता हाची खात्री म्हाका मागीर पटली.

सुरेश हॉटेलांतल्यान वतकच आमचे मदीं जें संभाशण जालें तेन्ना तें म्हज्या उलोवण्याचेर प्रभावीत जाल्लें दिसतालें. आनी जेन्ना ताका हांवें मडगांव वेतना अद्‌यार सांगलें कीं असलें कितें चलता म्हूण म्हजो विस्वास बसना. तेन्ना तें गाडी घेवन कडेक गेल्लें म्हज्या हुतहुतेपणाचेर ताचो तो हांसो म्हजें नवखेपण ताका उक्तें जालां म्हणपाचें सांगतालें.

तिच्या बंगल्यांतल्यान जेन्ना हांव भायर सरपाक लागलों तेन्ना ताणें म्हळें, 'कादंबरीक जेन्ना पानां कमी पडटात तेन्ना जाय तेन्ना यो. कादंबरी जाय जाल्यार छापूनय घे. बँकेंत दुडू कुसता. तुकां केन्ना कसलोय आदार जाय जाल्यार ह्या बंगल्याचीं दारां तुकां उक्तीं आसात.'

हांव मुमुरख्यानीं हांसलों आनी फुडले वाटेक लागलों. तकलेंतली धुंदी अजून देवपाक तयार नासली. ताचीं उतरां तकलेंत एकसारकीं घिरट्यो घालीत आशिल्लीं. 'कादंबरीक जेन्ना पानां कमी पडटात तेन्ना जाय तेन्ना यो!'

■■■

- राहूल कामत
मडगांव, गोंय
Rahul.Kamat@yahoo.com.in

सुवादीक

पावस तोंडार तेंकला. दर्या खुबळूंक लागला. म्हणटकच गोंयकारांच्या नुस्त्याचेर हावळ येतली. तरी ट्रॉलर्स दर्यांत मदीं वचून कितें ना कितें फैदासून हाडपाचो यत्न करतलेच. पूण तांचेर भरवंसून रावपा सारकें नाच. पावस लागतकच कांय ना म्हळ्यार गोंयकारांच्या नुस्त्याची रूच पुराय करतात मुड्डश्यो. पावसांत गोंयांतूय मुड्डश्यो मेळटात आनी कारवारच्यानूय मोठ्या प्रमाणांत मोठ्यो मुड्डश्यो येतात. ह्या म्हयन्यांत आमी मुड्डश्यांचें मचमचीत जेवण जेवया.

मुड्डश्यांचें हुमण

साहित्य : ३ व्हडल्यो मुड्डश्यो, १ व्हडले कुलेर मिरसांगे पिठो, १ ल्हान कुलेर हळदी पिठो, १ मध्यम कांदो, २ वाटयो सोय, १ कुलेर तेल, १२ काळीं मिरयां, बोटा पेरा येदी आंबटाण, रूची पुरतें मीठ.

कृती : मुड्डश्यांचे कुडके करून तांकां अर्द कुलेर मीठ सारावन सुमार १५ मिनटांनी ते धुंवचे. सोय, मिरसांग, हळद, आंबटाण, मिरयां बी एक करून बारीक वाटचें. कांदो बारीक चिरचो. तोपांत तेल गरम करून तातूंत चिरिल्लो कांदो घालून तांबसार जायसर परतुंवचो. वाटिल्ल्या मसाल्यांत ४ वाटयो उदक घालून परतिल्लो कांदो घालचो. मीठ घालचें. एक खतखतो आयलो म्हणटकच मुड्डश्यांचे कुडके हुमणांत घालचे आनी शिजोवंचे.

मुड्डश्यांचें सुकें

साहित्य : ३ मुड्डश्यो, १ ल्हान कुलेर मिरसांगे पिठो, १ ल्हान कुलेर हळदी पिठो, १ मध्यम कांदो बोटा पेरा येदी आंबटाण, १/२ वाटी सोय, ६ बिण्णा सोलां, रूची पुरतें मीठ.

कृती : मुड्डश्यो बऱ्यो धुवन तांचे कुडके करचे. मीठ लावन १५ मिणटांनी धुंवचे. कांदो बारिक चिरचो. सोय, मिरसांगे पिठो, हळदी पिठो, आंबटाण बी एक करून बारीक वाटून घेवंची. तोपांत वाटप, सोलां, मीठ, चिरिल्लो कांदो १ वाटी उदका वांगडा दोन मिनटां शिजोवंचें. उप्रांत तातूंत मुड्डश्यांचे कुडके घालून शिजोवंचे.

तळिल्ल्यो मुड्डश्यो

साहित्य : ३ व्हडल्यो मुड्डश्यो, १ व्हडलें कुलेर मिरसांगे पिठो, १ ल्हान कुलेर हळदी पिठो, २ व्हडलीं कुलेरां तांदळा पीठ, १ ल्हान कुलेर मीठ, तळपा खातीर तेल.

कृती : मुड्डश्यो बऱ्यो धुवन घेवंच्यो. मोठ्यो आसल्यार दोन दोन कुडके करचे. ल्हान आसल्यार सगळ्योच दवरच्यो. त्यो मीठ लावन सुमार १५ मिणटां दवरून उप्रांत धुंवच्यो. कुडक्यांक हळदी पिठो आनी मिरसांगे पिठो लावचो. तव्यार तेल गरम करून ताचेर एक एक कुडको पिठांत सारोवन तव्यार सोडचो. वेल्यान थोडें तेल घालचें. मंद उज्यार आरतून परतून चरचरीत तांबसार जायसर तळून काडचे.

सुवादीक कॉलम तुमचे भेटेक हाडटा :

Live Music
Monday
Wednesday
Friday
Saturday

Sea Pebble
BAR & RESTAURANT

Sea Pebble, Near Dona Paula Jetty, Dona-Paula, Tel.: 9850478960, 9890353684.

DISCOVERY-VYNOTEE

बिम्ब प्रकाशनाचीं दर्जेदार पुस्तकां

क्र.	पुस्तकाचें नांव		लेखक	मोल
१.	रूक्षप्रश्न	(निबंद)	दिलीप बोरकार	रु. १६०.००
२.	एक शून्य प्रवास	(एकांकीसंग्रह)	दिलीप बोरकार	रु. ६०.००
३.	शापित सूर्य	(कविता - मराठी)	दादू मांद्रेकार	रू. ६०.००
४.	आण्टीची गादी	(नाटक)	दिलीप बोरकार	रु. ३०.००
५.	जाय काय जूय	(ललीत)	दता दामोदर नायक	रु. ५०.००
६.	खगोल शास्त्रीय नाट्यांगण	(एकांकीसंग्रह)	श्रीकांत नागवेकार	रु. १००.००
७.	काणी एके जिणेची	(कादंबरी)	सुजाता सिंगबाळ	रु. ५०.००
८.	तांबशी	(कविता)	मनोज नरेंद्र कामत	रु. ७०.००
९.	सात काणयो	(कथा)	गणपत कवळेकार	रु. ६०.००
१०.	म्हापुरूश	(बालसाहित्य)	नरेंद्र का. कामत	रु. ४०.००
११.	पोको	(कादंबरी)	नं. ध. बोरकार	रु. २५०.००
१२.	वादळ आनी वारें	(कादंबरी)	फा. आ. पेरेरा	रु. १५०.००
१३.	काळखी जीण	(कविता)	साईदास आपटे	रु. ६०.००
१४.	माणकां मोतयां	(बालसाहित्य)	नरेंद्र का. कामत	रु. ४०.००
१५.	तनरजोती	(कविता)	रमेश वेळुस्कार	रु. ८०.००
१७.	रूपरंग	(कविता)	विजया नायक कोमरपंत	रु. ६०.००
१९.	बायनेट फायटींग	(कथा)	महाबळेश्वर सैल	रू. २००.००
२१.	भारतवर्षाची संस्कृतायेची साधना	(ललीत)	रवीन्द्र केळेकार	रू. १५०.००

घरांत पुस्तकांची आलमार म्हळ्यार सुसंस्कृतायेची वळख

बिम्ब मासिक घरांत येवप म्हळ्यार भिन्यान भितर सरप

पुस्तकांचेर १०% सवलत

आतांच संपर्क करात

'बिम्ब', जी.एस.बी. ३, हावसिंग बोर्ड कॉलनी, पर्वरी - गोंय. ४०३ ५२१

फोन : २४११५९४ मोबायल : ९८२२१३६८८५

दायज

वेरेंची इगर्ज

फाटल्या अंकांत वेरेंच्या इगर्जेच्या जल्माची, मठवाश्यांची आनी पुर्तुगेज राज्यपाला विशींची खबर आमी एका भागांत पळयली. आतां हेच इगर्जेची फुडली गजाल –

इगर्जेचें वर्णन

ही इगर्ज एके दोंगुल्लेचे आराडीर उरता, मांडवी नदिच्या दाव्या काटार आनी ते आराडीर रावन ती पणजेच्या शारार नदर मारता. वेरेंचे इगर्जेंत चडून वचूंक एक पंचवीस पावंड्यांची शिडी आसा; शिडयेच्या दोनय बाजुनी सुर्वेकूच सकल फातरांचेर दोग शींव आसात ते भोव आदले, असलीच शिडी पूण झिग-झाग पणजेचे-इगर्जेक आसा : हे शिडयेच्याय पायांशीं एक शींव आसलो. हे शिडयेच्या पयल्याच पावंड्यार उजवे वाटेंतल्यान एक चालतो, हातभर उंच जायत, एक फातर आसा आनी तो फातर म्हळ्यार एक घडयाळ. आदले काळार त्या फातराची सावळी पळोवन, कितलो वेळ जाला तें लोकांक गमतालें.

इगर्जेच्या फुडारावयर कोण संत वो संतीण ना कित्याक ती इगर्ज उदेंतेच्या विद्वानांक वो रायांक (रेयस-मागूस) भेटयल्या. वयर तोर्रीर वो मिनारेर, एक पोर्तुगेज डाळ दाखयला आसून ताचे वयर एक अर्द-मुकूट कसो, वण्टींत भितर घातलेलो. हो मुकूट म्हळ्यार पुर्तुगालाच्या राजाचो कित्याक हे इगर्जेक पद आसलें तें म्हळ्यार 'रॉयाल इगर्ज' आनी ती इगर्ज सरकार सांबाळटालो.

हे इगर्जेची नवसरणी केली १९७१ वर्सा आनी १९४५ सगळो वावर सपूर्ण केलो. ही इगर्ज पुर्वील्ली खरी पूण आतां जमनीक नवे झगझगीत तिजुले घातल्यात ते श्री. फेलीसीओ इनासिओ रॉड्रीगीस बाबान जेन्ना प्री. सांता सुवारीस विगार आसलो. तारीक दाखयल्या : ६ जानेवारी १९९१.

हें देव मंदीर फ्रांसीस्कानांचें देखून देव मंदीराच्या वण्टीचेर दोनूय बाजुंनीं स-स व्हडलीं चित्रां आसत. तांचेर आसिसाच्या फ्रांसिस्कांनाच्या आनी दुसऱ्या फ्रांसिस्कांनाच्या जिवितांतल्यो घडणुको दाखोवन दिल्यात. दावे वटेंतल्यान वण्टीक तेंकून आल्तार आसा तो जेजुच्या आनी मोरयेच्या काळजाक भेटयला. तीन दारां वयर आनी एका जनेला वयर पुर्तुगालाचे सुपुल्ले ढाल हुमकळटात.

मदलो आल्तार भोव कवतीक, कोरींतीयान खांब्यांचो, वयर लाकडार रायांचें कांतयलेलें एक चित्र दिश्टी पडटा, तांतलो एकलो सरपट पडून बाळकाक नमस्कार करता. दावे वटेंतल्यान सांत आतोन उबो आसा तें बरें आसा. पूण उजवे वाटेंतल्यान सांत फ्रांसिस्क उबो रावून थंय तो कितें करता काय? हो जेजुइत सांत ते फ्रांसिस्कानी इगर्जेंत केन्ना लोटलो जायत! ताका १६२२ वर्सा सांताचें पद मेळिल्लें.

ह्या मदल्या आल्तारार एक भुंयार कशें आसा आनी तातूंत सांतिजम साक्रामेंत दवरूंक एक ताबेर्नाक्ल घालता तो एक शिंवासन कशें दिसता. ह्या शिंवासनार चडून वचूंक धा पावंडे आसात. ह्या ताबेर्नाक्ला वयर दोग भडवे देवून येतात; ताबेर्नाक्लाच्या दाव्याक आसात सांत मातेवस आनी उजव्याक सांत जुवांव-दोगूय शुभवर्तमानकाळ. कपेल-मोराचे वण्टीचेर बरीं व्हडलीं चित्रां चित्रायल्यांत तीं सायबिणीची-चार-चार एके-एके वाटेन.

दोन बाजुंचे आल्तार आसात: उजव्याक पिएदाद सायबिणीचो आनी तिच्या उजव्याक आसात सांत जुवांव बावतीस्त आनी दाव्याक कर्म सायबीण. वयर माथ्यार दोन काळजां दिश्टी पडटात; दाव्याक

आल्तार आसा ताचेर मदेकांत आसूंत सायबीण उबी आसा आनी तिच्या उजव्याक सांत सेबास्तीयांव आनी दाव्याक सांत मिंगेल, तागडी घेवन उबे आसात.

ह्या आल्तारां मदेंकत जमनीर एक फोंड आसा. तो म्हळ्यार EXCELLENTISSIMA SENHORA D. ROSA ERMEJILDA? FERREIRA DOS REIS हिचो. ते फातुरलेर तारीख दिल्या ती ही : १३ दे मार्सो दे १८६४.

आनीक एक फोंड आसा तो म्हळ्यार दों. फ्रांको कास्को ई मेलो हेचो. वर्स दिलां १६९६.

सांक्रीस्तींत भितर सरतना एक व्हडली फांतोर्ण आसा तिचेर नांव मेळटा तें हें. LVIS DATAIDE CONDE DA TOVGYA VISO REI... DA INDIA - DUAS VEZES, आदी. वस दिलां ९-३-१५८१.

दों. लुईस दे. आताइद जावन आसलो गोंयचो धाव्वो उपराजा आनी २३ वो राज्यपाल. (१५६८-१५७१) पयले पावटीं आनी बारावो उपराजा आनी २७ वो राजपाल (१५७८-१५८१) हो उपराजा मार्साचे धाव्वेर १५८१ वर्सा मेलो पूण फोंडार तारीख आसा ती मार्साची ९ आनी १०. घडयें जायत अशें : णव्वेर मेलो आनी धाव्वेर पुरलो.

अस्तंमते वार्टेतल्यान, कोटाक फुडो करू, एक सुपुरलो दरवंटो (बायलांचें दार) आसा. त्याय दरवट्या सकयल एक फोंड आसा. त्या फोंडावेलीं अक्षरां वाचूंक हांव बरो शकलों ना कित्याक अक्षरांनीं बरीच माती आनी म्हेळ भरला. तरूय वाचूंक शकलां तें बरोवंक सकला दितां :

SEPULTURA DE DOM
? FRANCO CASCO E MELLO
? ORDOMO PERPETVO
? COSTA CAPELLA DA SN
... CASMPCAO E D SAVES HE.

साक्रिस्ती वयर एक माळी आसा.. आयज रिकामी; ती आदल्या फ्रांसिस्कानीं मठाचो उगडास करता; आदल्या मठाचें आनी कॉलेजीचें घट्टाण पर्यान दिश्टी पडना; पूण इगर्जे फाटल्यान दोंगराच्या पालसणार फातरांची धड आसा ती आदल्या मठाची याद करता. ह्या पालसणा वयर आतांची सिमितीर आसा.

इगर्जे बगलेकूच १५५५ वर्सा कॉलेज उबारलेली ती दोन माळयांची आसली आनी जायते कूड आसले आनी वयर चडूंक चार शिडयो आसल्यो. काळ्या फातरांच्यो. ह्या मठांत वो इगर्जेंत १५९७ तें १७९३ पासून-म्हणजे १९६ वर्सां पोर्टीं-२१ उपराजानीं आनी राजपालानीं झुटी आपल्या ताब्यांत घेतली. कांय उपराजा ह्या निवासांत रावल्यात. पयलो रावलो तो दों. फ्रांसिस्को दा गामा, कोंदे दे विदीगेरा-२२-५-१५९७; आनी निमाणो रावलो तो दों. डायगो दे सौजा, कोंदे दे रिओ पार्दो १८१६ वर्सा.

ह्या निवासांत आसरो घेवन हैद्राबादचो नवाब पावलेलो, तो नवाब, फेलिक्स तिनोको दा गामा, ह्या पुर्तुगेज फिदाल्गाच्या घरा मेलो; मरचया आदीं ताणें बावतीस्मा घेतलेलो.

१८७२ वर्सा फ्रांसिस्कानी निवास दुरूस्त करूंक फुडें सरले तेन्ना तांकां दिसलें: खर्च एकदम जातलो; देखून तो निवास मोडून घातलो आनी फकत आयज विगाराचें घर आसा तेंच दवरलें. नेरूलची कोमुनीदाद दर वर्साक इगर्जेक धा शेराफीन दिताली; १८७८ वर्सा १५०० शेराफीन दिल्यात. दुरूस्ती

करूंक आनी १९०४ वर्सा एक हजार आल्तार नेटोवंक.

फ्रांसिस्कानीं मठवासी वेरेंचे भायर सरतात.

१७६६ वर्सा फ्रांसिस्कानी मठवाश्यांक बार्देसांतले भायर काडले आनी बार्देशीच्यो इगर्जो देशी पाद्रींच्या ताब्यांत केल्यो. पूण वेरेंचे इगर्जेतले भायर सरूंक ते मठवाशी राजी नासले कित्याक ते म्हणत : हो मठ आपलो आनी त्या मठा कुशीक फिरगोजेची इगर्ज बांदली ती मागिरली. फकत १७७६ वर्सा फ्रांसिस्कानी मठवाशी वेरेंतले भायर सरले आनी दायोशेजांत पाद्री भितर सरले.

निमाणो फ्रांसिस्कानी रेयतोर वो विगार म्हळ्यार फ्रेय हेन्रीक दे एस्. आना; पूण कॉलेजींत १७७९ वरस पर्यान फ्रांसिस्कानी मठवाशी आसले. पयलो देशी विगार म्हळ्यार, प्री. कायतानो आंतोनियो लोबो (१७७६ जुलाय).

लेपोल्दो दा रोचा फ्रांसिस्कानी रेयतोरांची वळेरी १५८५ वर्सा सुरू करता : पयलें नांव आसा तें-फ्रेय सिमाओ दे एस फ्रांसिस्को आनी उपरांत आनी ४५ रेयतोरांचीं नांवां दिता; निमाण्याक धरून.

साऊद सायबिणीची यादगिरी

इगर्जे सकल रस्त्या कुशीक एक धाकटुलो कूड कसो, एक कपेल आसा; तातूंत साऊद सायबिणीची प्रतिमा दवरल्या. तिची परब जानेराचे ७वेर मनयतात. सुर्वेक बाल्ताजार दे सा म्हणलेल्यान त्या जाग्यार एक राजवंत इमारत उबारली आनी ती मागीर आनी तिचे बरोबर सरभोवतणचेंय भाट, फ्रांसिस्कानी एक देणें कशें दिलें. साऊद सायबिणीची प्रतिमा एका सुपुरल्या कपेलान दवरली. ह्या कपेलाचे उजवे वण्टीशीं आसलें एक बरोवप. अशें : 'Memoria do Hospicio de Saude de Casa de Catecumenos' - १९०६.

हो बाल्ताजार जावन आसलो वाल्वेर्दीचो, बेर्तीचे दोंगुर्लेर जंय बोरी आसा पिकतालीं म्हूण सांगतात.

कपेलां

अ) **सगल्या बरेपणाची सायबीण; नोसा सिन्होरा दे तोदो - ओ - बें :** दोना जोआना वाड्यांत-११०५ मिटर पयस इगर्जेसान. हें कपेल विदाल्ग फोंसेका ब्राओ हाणें १७२६ वर्सा आदीं स्थापलेलें आनी तें वापरूंक आब्रीलाचे धाव्वेर, १७८३ वर्सा, परवानगी दिल्ली.हे फामिलेच्या निमाण्या दायजानी हें कोपेल सेतेंब्राचे ६वेर, १९५० उगडलें.

ब) **रूजाय सायबिणीचें :** मानशेर १८०० मिटर पयस इगर्जेसान. हें कपेल पिळर्णेचे सिमेर उबें आसा आनी आदीं तें पिळर्णात पडटालें. हें कपेल नव्यान बांदून हाडलें १८६७ वर्सा.

क) **सगळ्या गरजांची सायबीण:** आंबेकांड वो आंबे-खाण वाड्यांत, १५५५ मिटर पयस इगर्जेसान. ह्या वाड्याक आंब्याच्या-झाडांनीं नांव दिलां जायत. हें कपेल आपल्या भाटांत 'ओर्तोरियांत' धर्मिकांनीं स्थापललें; पूण मागीर वाडेकारांनीं (१८६२-१८६८) तें बरेंच वाडयलें आनी ताचेर आशिर्वाद घालूंक ऑक्टोबराच्या १२वेर, १८६८ रजा पडली. आनीक एकदां नव्यान बांदून काडलें १८९६ आनी जानेराचे २०वेर, १८९७ प्रजेक उक्तें केले. नव्यान १९२४ वर्सा वाडयलें.

शेवटीं आतां आदलें कपेल सारखें मोडून आनी नवी बुनयाद घालून बांदलें. आनी तेचेर दों राहूल गोंसाल्वीस आर्सेबिसपान फेब्रूवारी दुसरेर, १९६९ आशिर्वाद घालो. आतांचें कपेल भोव सादें आनी तें बाजारा लागीं, नेरूलचे वाटेक, उरता-पळोवंक दिसता एक सुपुर्लो वसरो कसो. हें कपेल बांदलेलें तेन्ना पिळर्णचो प्रि. सिरिल दे सौजा, जावन आसलो वेरेंचो विगार.

ड) **रूजाय सायबिणीचें,** केग्दोवेळ: हो वाडो दर्यावेळेर उरता. ते सुवातेर केगदी वो केकती म्हणलेलीं झाडां जातालीं. हीं झाडां ते वेळेर जातालीं देखून ते वेळेक केगदीवेळ म्हूण नांव पडलें.

सुर्वेचें कपेल दोमिनिकांनीं मठवाश्यांनीं, आपल्या भाटांत बांदलेलें; थंय दर्यावेळेर त्या मठवाश्यांनीं, आपल्याक इल्लो विसव घेंवच्याक, एक घर बांदलेलें आनी ह्या घरा कुशीक एक कपेल आनी तें कपेल सांत दुंगाक समर्पील्लें-दोमिनिकांचो स्थापणार. हे दोमिनिकांनीं मठवाशी मांडवी

नदीचे पल्तडीं, तिसवाडेंत, वावुरताले-ताळगांव , पणजे, खालापुरा इत्यादी.

आतां उबें आसा तें कपेल , कायतानो मेस्कीता हाच्या फुडारपणा खाल, वाडेकारांनीं बांदलें (१८५१-१८५६). ह्या कपेलांत प्रतिमा आसा ती आदल्या वो पयल्या कपेलांतली. मुदलाचें कपेल श्री. गोविंद नायक पान्वेलकाराच्या ताब्यांत आतां पडलां; भाटाचें नांव 'पालमार दो सांतो दुमींगो'-सांत दुमंगाचें माडां भाट वो माडेल. फेस्ताचो फाम जाता त्या दिसा सगल्यांक मिठाय वाट्टात; असली पध्दत फकत १९८२ वर्सा सुरू जाली. आतां केगदे वेळेर एक नगर उत्पन्न जालां.

इ) **सांत फ्रांसिस्क आसिसाचें इगर्जे लागींच :** हें कपेल श्री. येवस्तांक्यूओ टी. दा सिल्वा (वेरेंचोच) हाणे आपल्याच खर्चान बांदलेलें. बुनयादी फातर १९२८ वर्सा आगोस्ताचे दुसरेर आनी कपेलाचेर आशिर्वाद पडलो १९२९ वर्सा देजेंब्राचे पयलेर.

बेतीं

हांगा एक 'कातेकुमेनात' (बावतीस्म घेवंक तयारी करतल्यांचें घर) आसलें. पयलीं तें गोवा शार सांत पावलूचे जेजुइत कॉलेजींत स्थापलेलें आनी १५५९ वर्सा सावन तें थंयच चलतालें. पूण मागीर गोवा शार जरी-मारी पडटकच, तें घर १७५९ वर्सा बेतीं (बार्देस) व्हेलें. तीन वर्सां उपरांत म्हणजे १७५९ वर्सा पुर्तुगेज सरकारान जेजुइतांक गोंयांतले भायर घातले. त्या कातेकुमेनांत घराक एक व्हडलें कपेल आसलें आनी तें विजय सायबीणीक (नोसा सिन्होरा दा व्हिक्तोरिया). बरयल्लें मेळटा अर्शे: ते सुवातेर जरीं मारी पडटच राजाचो हुकूम (९-४-१७१४) पडटच, प्री. जुवांव बाप्तीस्ता, क्रिस्तावांचो पाय हाणें १७२२ वर्सा एक घर कॉलेजी कुशीकूच घेतलें. १८५० सेराफीन मोडून; हे दुडू जावन आसले क्रिस्तांव जावंक सोदतात तांचे. हें घर मागीर १७६२ वर्सा बेती पावलें.

बेतीं-जुदेवांचें ठिकाण वो ठाणें जावंक जाय. जशें बिठ्ठोण. हेब्रेव भाशेंत बेथ म्हळ्यार घर. बेथ+ठाणें आयज जालां बिठ्ठोण.

■■■

-मोरेन द सौजा एस. जे.
पोरणें गोंय

परबीं



परबीं

बिम्ब परिवाराचे क्रियाशील सदस्य आनी समाज सेवक

भौ. विनोद कामत

हे नेवरा पंचायतीचे परतून एक फावट सरपंच म्हण वेंचून आयिल्ले बद्दल तांकां बिम्ब परिवाराचीं हुनहुनीत परबीं.

भलायकी

कामीण

म्हाका याद जाता आमी ल्हान आसतना जर कोणेंय म्हणलें 'म्हाका बरें दिसना, म्हाका भूक लागना, हात पांय वळटात, ओकूं येता शें दिसता' जाल्यार रोकडीच आजी म्हण्टाली 'ताका कामीण जाल्या शी दिसता. अरे ताका दोतोराक दाखयात. कामीण खूप तरेची आसता, सांबाळात ताका.'

हय हेपटायटीस म्हणजेच कामीण खूप तरेची आसता

१) हेपटायटीस 'ए' (Hepatitis A)
२) हेपटायटीस 'बी' (Hepatitis B)
3) हेपटायटीस 'सी' (Hepatitis C)
4) हेपटायटीस 'डी' (Hepatitis D)
5) हेपटायटीस 'ई' (Hepatitis E)
6) हेपटायटीस 'जी' (Hepatitis G)

हेपटायटीस हें एक फिगदाचें (Liver) दुयेंस. हेपटायटीस 'ए' आनीक हेपटायटीस 'ई' दुयेंसां जावपाचे जंतू दुशीत उदकांतल्यान तशेंच दुशीत खाणा जेवणांतल्यान मनशाच्या आंगांत पावतात. हो जीव मनशाच्या आंगांत पावंक आनी दुयेंसाचीं लक्षणां दिसतासर १५-४५ दीस लागतात.

ह्या दुयेंसाची लक्षणां अशीं आसतात.

जोर येवप, कुलकुलो येवप, हात-पांय उसळप, जेवण-खाण नाका जावप, ओकूंक येता शें दिसप, ओकूंक येवप, पोटांत जावप, हळडुवें मुतूंक जावप.

एका कामीण जाल्ल्या दुयेंत मनशाक हीं एका बरोबर सगळींच लक्षणां दिसतात अशें ना थोड्यांक जाता थोड्यांक जायनांत.

म्हूण असो दुबाव दिसलो की रोकडेंच दोतोरांकडल्यान तपासून घेंवचें. तशेंच मूत आनी रगत तपासून घेवंचें.

हेपटायटीस 'ए' वा 'ई' जावची न्हय म्हूण किदें काळजी घेवपाची.

उदक तापोवन (सळसळावन) पिवंचें.

भाज्यो, फळां नितळ उदकान धुवून मागीर खावंचीं. खावंच्या जेवंच्या पयलीं हात नितळ उदकान धुवन घेवंचें.

उकत्यावयलें खांवचें न्हय.

रांदपाक, जेवपाक, खावपाक वापरता तें उदक नितळ आसचें.

खावपाच्या उदकाच्यो टांकयो, बायों वेळ-वेळार लींप करच्यो.

उकत्यार परसाकडे बसचें न्हय. तशेंच ल्हान भुरग्यांचें परसाकडे उकत्यार उडोवचें न्हय, तें सारखें संडासांत उडोवन फ्लश करचें.

संडास लीप दवरचे. फिनॉल, डेटोल घालून वेळच्या वेळार धुंवचें.

हेपटायटीस 'ए' वा 'ई' जातकच कितें करचें.

हें एक फिगदाचें दुयेंस. फिगदाक सूज येता म्हूण ताका सुशेग (Rest) दिवपाक जाय. हेपटायटीस निवळावपाक वखदां आसनांत. दुयेंत मनशान सुशेग घेवपाक जाय आनीक थोडेशें पथ्य करूंक जाय जेणें करून ताज्या फिगदाचेर ताण कमी पडटलो आनी तें दुयेंस आपुणूच निवळटा.

कामीण जाल्या अशें आयकतकच घरचीं मनशां त्या दुयेंतीचो सामकोच उपासमार करतात. ताका पेजेर वा उकडलेल्या भाज्यांचेर दवरतात. हें इतलें पथ्य करपाची गरज आसना. हें अशें १-२ म्हयनेभर चलता आनी मनशाक सामकी फ्राकेज येता, ताजी रोग प्रतिकार शक्ती कमी जावंक लागता आनी तो सामकोच वाजेता. जेवणाचेर पथ्य करपाचो हेतू म्हळ्यार पोटाक सुसेग दिवपाचो तसोच फिगदाचेर चड ताण न दिवपाचो. म्हूण कितेंय खाता तें :

१. थोडे प्रमाणांत आनी थोड्या थोड्या वेळान खावंचें (small, frequent, meals).

२. चड तिखसाण घेवंची न्हय, अशें केल्ल्यान पोटांत जळपाक शकता, ॲसीडीटी जांव येता.

३. कार्बोहायड्रेट (शीत, पेज, बटाट, इडली, पोळे) खांव येतात.

४. डाळी, कडधान्य हें वेजीटेबल प्रोटीन्स घेवंचें.

५. ॲनीमल प्रोटीन्स म्हळ्यार तातयां, मटन, चीकन घेवपाक हरकत ना. पूण हें पचपाक जड आसता आनी फिगदाचेर चड ताण येता म्हूण शक्य आसल्या टाळचें.

६. शिजयल्ल्यो भाज्यो भरपूर प्रमाणांत घेंवच्यो.

७. सगळ्या तरेचीं फळां खावंचीं.

८. भरपूर उदक पिवंचें तशेंच ग्लूकोज घालून उदक घेवंचें.

कामीणीचेर वखदां ना अशें म्हणलां खरें पूण हाजो अर्थ असो न्हय की दोतोराचो सल्लो घेवंची गरज आसना. कामीण आसा अशें दिसल्यार दोतोराक मेळून, रक्ताची तपासणी करून घेयात आनी इस्पितळांत रावचें पडल्यार तशेंय करात.

हेपटायटीस 'ए' तशेंच हेपटायटीस 'बी' ह्या दोनीय दुयेसांचेर वासिना आसात. पूण हेपटायटीसचें ए वासीन घेतल्यार तें फकत हेपटायटीस 'ए'च्या दुयेंसाखातीर लागू जाता. तशेंच हेपटायटीस बीचेर वासीन घेतल्यार तें हेपटायटीस बी ह्या दुसयेंसा खातीर लागू जाता.

■■■



- डॉ. वंदना धुमे
फोन : ९८२२५८५२८५

स्वताचे जाणवायेन वखदां घेवप धोकेदायक थारुं येता. तुमकां बरोबन दिल्ल्या वखदाविशीं (रशेद) जर कितेंय चवकशी करपाची आसल जाल्यार आमच्या फार्मासिस्टाकडेन उलयात.

हिन्दु फार्मासी
पणजी
फोन : २२२३११७३

उतरकुवाडें

- मुकेश थळी

आडवे

१) महंमद रफी, मुकेश हे ×××××
४) दुरीग
५) एक पक्षी
६) बंड, बदल
७) ल्हान चलयेक उपुरबायेन असो उलो मारतात.
८) सुटी
११) पलंग
१२) ल्हान इगर्ज
१५) च्या हातूंत आसा
१७) एक धान्य
१९) पावंडो
२१) पराभूत
२३) देवाचें एक स्तोत्र
२४) हळशीक

उबे

१) जिखप (एक वाक्प्रचार)
२) वाहन
३) खाटीक हे सुवातेर आसता
४) पावसाचो विसव
९) देराची घरकान्न
१०) एक भाजी
१४) मद
१६) वेतन
१७) आवट (क्रिकेट)
१८) जांबावले लागसारचो गांव
२०) प्रकार
२२) राखण

१		२		३	■	४	
	■		■	५			■
६		■	७		■	८	९
	■	१०	■	११		■	
१२		१३	■		■	१४	■
	■	१५	१६	■	१७		१८
१९	२०	■	२१	२२		■	
■	२३				■	२४	

मे उतरकुवाड्याची जाप

कु	स	को	■	ट	वा	खा	नो
ड	■	प	गा	र	■	जू	■
को	स	■	■	वा	■	र	मी
■	र	■	गा	ड	व	■	ठ
उ	स	क	य	■	जा	ग	■
■	क	ड	क	■	बा	ज	री
बो	ट	■	■	का	की	■	व
ली	■	मा	य	ज	■	क	ण

आमी दिसपट्टो रांदपाक
गॅस वापरतात
गॅस हो सैमीक वायु
ताचो स्त्रोत मर्यादीत
रांदपाचो गॅस सांबाळून वापरात



जाण्हवी गॅस सर्वीस

सांत-इनेज, पणजी.

प्रो. प्रा.: श्रीराम वळवयकार
हांचेकडल्यान जनहिताय प्रस्तुती

पडवेर

कोलूदाद बुध्दीन भलो

एक मोठें 'काट्यांचें आडवण' म्हणपाचें जंगल आसून ताच्या मुळसांत सकयल 'सुंदरबन' नांवांचें एक सोबीत बरो गांव आशिल्लो. जंगलांत ल्हान व्हड सावदां आसून गांवांत पोशिल्लीं जनावरां सयत मनशां रावतालीं. रानांत सावदां रावतालीं खरीं पूण एक तोखणायेची खबर म्हळ्यार तीं क्रूर आसूनय केन्नाच कसलींय झगडीं किजिलां नासून सगळीं कशीं मेळून मिसळून जगतालीं आनी त्या तांचे समजीकायेचो फायदो सकयल गांवांत रावतल्या मनशांक जाणी पोशिल्ल्या जनावरांकय सुरक्षितताय मेळून जातालो, कसलोय कोणाक हुस्को नाशिल्लो हें तांतलें मर्म.

पूण अकस्मात हे स्वस्ततायेक आनी शांततायेक वेर वचून एक दीस पाडे पापगिऱ्यांची सावळी एकाच वांगडा सावदां आनी पोशिल्ल्या जनावरां सयत मनशाचेरूय पडून सगळेच काचाबूल जाले. तांची न्हिदूच उडली. सुखा समादानान दीस वतां वतां अचानक एक दीस त्या रानांत एक बिबटो वाग खंयच्यान तरी येवन ताणें रानांतलीं सावदां मारून खावपाक सुरवात केली. त्या वागाक नांव आशिल्लें गगनगिरी म्हाराज.

रानांतलो बारकू गाढव जितो पालो पोटाक खायत खायत खूब खूब एक पोन्नी पेड म्हळ्यार क्रूर सावदां रावपाची जी धोल आशिल्ली थंय पावलो जाल्यार ताका ते पेडीच्या तोंडार हिंवसाणीची घाण आयली आनी बारीकसाणीन पळयत जाल्यार एका रानडुकराच्या पोराचें धड खावन उडयल्लें ताका दिश्टी पडलें.

तो तसोच उठून ताच्या हिंडाकडेन धांव मारून गेलो. व्हडा व्हडान तोंडार हात मारीत ताणें बाकिच्यांक सावध केले आनी सांगलें, 'रानांत वाग आयला आनी तो आमच्या भावबंदांक खाता जावपाक जाय.'

थोडे जे कोण हुतहुते आशिल्ले ते वागाचे सोदीक भोकाक पांय लावन भायर सरले. तातूंत लुकडू तरस आनी खरपो थेरयो फुडें आशिल्ले. तिनसांज मेरेन ताणीं बातमी हाडली कीं आसर फोंडावेले पेडच्या तोंडार हिंवसाणिची घाण येवन मदींच घुर्र घुर्र करून घोरेल्ले सारखो आवाज येता म्हणून. दोन चार माकडुलांनीं कीच कीच करून पांच धा खांदयांचेर लागो मारीत ताणी हाडिल्ली नविदाद मीट मिरसांग लावन रानांतल्या बुदवंत दांत पडिल्ल्या आनी शेंपडे गोंड्याची ल्हंव लेगीत झडिल्ल्या तेमकावेल्या म्हाताऱ्या कोलूदादाक सांगली कीं पणसपालांतल्या उदका खळयेंतल्या रेब्याचेर मोठ्ठ्या कुतऱ्या सारखे चोपके लागल्यात म्हणून. म्हणटकच तांकां खात्री करपाक आनी कितें जाय आशिल्लें?

रोखडीच सगळ्यांनीं एकामेकाक कळोवन भौसार सांगून हाचेर आतां कितें करूया, कसली तोड काडपाची म्हणपाची सगळ्यांनीं उलोवणें केलें. पयले उलयले शिकिल्ले सवरिल्ले. तांचें मत जालें हें काम तशें खूब मोठें अशें न्हय. सरकाराक एक अर्ज करून आर्म हाडून, फार मारून वागाचो निकाल लावया.

चिरक्या खेत्यान शंका काडली कीं जनावरांक मारपाचो कायदो ना न्ही रे-तूं खंय आसा रे?

त्या बराबर तो येदें तोंड करून फाटल्या फाटल्यानूच परतलो. तरनाट्यांनीं मोठ मोठ्यान बोंबले देटा पासून उलोवन सबा गाजयली. पूण तोड सुचलीच ना.

म्हातारे बाबडे कितें करतले? वागाचे चपके दोळ्यां मुखार दिसूंक लागतकच हरणा बिरणांची जीब गालांतूच आडवी जाली. कोण अशें आनी कोण तशें पचपच करून सुचता तशें उलयताले. पूण माजराच्या

गळ्यांत घांट कोणें आनी कशी बांदची हें थारनाआसून मिटींगो अश्यो, वागाक मारपाचो वा धांवडावन घालपाचो उपाय सुचल्या शिवाय उलगूंक लागल्यो आनी चटक लागून गगनगिरी वागान दिसान दीस जनावरांचो, रानांतल्या तश्या गांवांतल्याय बी खतमो केलो.

म्हाताऱ्या बुदवंत कोलूदादाक सूख लागना जावन तो एके मिटिंगेक भार आयिल्लया सारखो उठलो आनी सगळे सभेक विस्वासांत घेवन वागाक मारतलों किव्हां धावंडावन तरी घालतलों म्हणपाचो पत्कर घेतलो आनी त्याच नेटान तो सकयल गांवांत येवन डिंडीम पोर्क नांवाच्या धुकरा मुखेल्याची भेट घेवपाक गेलो. तर ह्या सुंदरबन गांवच्या सोबीत बऱ्या उश्ट्या वाऱ्यार तोंडांत कितेंय तरी सुरबूस बरें च्यॅक च्यॅक करीत खायत थंय सगळ्या गांवच्या भुरग्यांनीं सकाळींफुडें केल्ल्या विधीचो सुवाद घेत, थंयच गादयेर गुरगुटून न्हिदिल्ल्या सारखो रावपाक निकतोच आयिल्ल्या डिंडीम पोर्काची आनी ताची भेट जाली. डिंडीम तर ताका पळयतूच उरलो. येदो व्हडलो बुदवंत रानांतलो म्हातारो कोलो ताका मेळूंक आयला म्हणटकच खुशालभरीत जावन कोलूदादाक बसपाक आयजच्या सकाळचीच बरी प्लास्टीकची पिशवी बसपाक म्हूण ताच्या म्हऱ्यांत धुकल्ली.

धुकराच्या मुखेल्यान आपलो येदो व्हडलो मान सन्मान वळखून रंगांत येवन कित्याक आयिल्लो तें कोले दादान सटासट सांगून उडयलें आनी आपल्याली फुडली येवजणय सांगली. हें डिंडीमान चतूरपणान करून घेवपाचें आनी अंतीं अशें हें सगळें जातकूच सगल्या जंगला वतीन डिंडीम पोर्काक पुरस्कार दिवन गौरव करपाचो अशेंय थारलें.

येवजण फुडल्या परमाणे आशिल्ली. गांवचीं म्हसरां, रेडे खंय कोंडांत बसतात अश्या कोंडाचो रेबो डिंडीमान आंगाक लावन सुकोवन दाट्ट बरो थर करून घेतकच एक दीस गगनगिरी कडेन लढाय मारपाची.

हें आपसांत थारोवन बुदवंत कोलूदाद डिंडिमाक सोडून दिसा उजवाडेक आपले धोलींत गेलो आनी डिंडिमान बरीशी नाचण्याच्या सत्वासारखो चिखोल जाल्ल्या एका कोणीत वचून एका सारखो बुचकळून बुचकळून वताक बसूंक

लागलो.

चार पांच दीस सरले उपरांत डिंडिमाक वळखुपाची कोणाची बिशाद नाशिल्ली. पांच-स दीस सरल्या उपरांत डिंडीम कोयरा राशिचेर लळूंक लागलो.

कोलूदाद उपरांत नेट्टान धांवत धापेंत वाग रावतालो ते पेडीभायर वचून गगनगीरी म्हाराज म्हाराज करीत आड्डून, जमनीर घालून घेवन लोळूंक लागलो.

हो कलकल ऑयकून आपली न्हीद मोडली म्हूण तिडकीन वाग गर्जना करीत भायर आयलो. घोली भायल्यान ताका कोलूदाद अदबीन पूण कडकडत, थरथरत तसोच रडत वागाक सांगूंक लागलो.

'म्हाराज म्हाराज सगळो घात जालो. म्हाराज आजूच सकाळीं धा वरां धरून कसलें तरी एक जनावर येवन व्होंक व्होंक करून गर्जना करता आनी म्हऱ्यांत गेल्ल्यांक आमकां, त्या खंयच्याश्या जंगलांतल्यान पळून आयिल्ल्या भितऱ्या गगनाक धरून आनी बांदून हाडात म्हणून आमचेर चवताळून सांगता आनी तुमकांय गाळींचो शिंवर घालता.'

गगन म्हाराजान म्हळें, अरे आसा तरी कोण तो आनी ताका नांव, गांव आसा काय ना? अशें म्हणून गगनगिरी चवताळून उठलो आनी गर्जना गरड घालूंक लागलो.

कोलूदाद म्हणूंक लागलो, सायबानो ताच्या म्हऱ्यांत वचपाक कोणाक धीर आसा? आनी वळखुपाक तर मुळीच येना. आनी तुमी जर येना जायत जाल्यार म्हाका परतून वचपाक धीर ना आनी अशें म्हणत कोलूदाद जमनीर पडून मेल्ल्याचें सवंग करीत रावलो. तसो गगनगीरी शेपडी टायट करून, जमनीर आपटीत उठून नेटान चलूंक लागलो.

पयस रावून कोलू दादान बोट दाखयत डिंडीमाक दाखयलो. आनी ताका पळोवन वागान गर्जना करीत हल्लो केलो. डिंडीमूय तयारेंत आशिल्लो. वाग डिंडीमाचेर पंजे मारून आनी घांस मारून कुडके काडूंक सोदतालो. पूण दरेक पंजाक आनी घांसाक मातयेचे कुडकेच येवंक लागताले.

ताचें तोंड मातयेन सामकें भरून गेलें. धुकराचेर एका केंसाचोय परिणाम जालो ना आनी उलट डिंडीम मात घांस मारून मारून वागाच्या आंगार हल्लो करतालो. ताणें ताच्या आंगार मात्तूय रगत आनी मांस दवरलें ना.

अशे तरेन गांवावेलें आनी जंगलावेलें सांवट कोलूदादान आपल्या बुद्दीच्या भांडवलाचेर नश्ट केलें.

■■■



वामन विष्णू कामत
वडाळ, मडकंय
फोन : २३९२४३२

लोकशायेचो फुडार

- रवीन्द्र केळेकार

. मनशान तरांतरांच्यो राजवटी चलोवन पळेल्यो, आनी निमणे लोकशायेचीच राजवट सगळ्यांत बरी ह्या निर्णयार तो पावलो. लोकांक ताणें सांगलें, हे मुखार कोणे राज्य चलोवंचें हें तुमचें तुमींच थारायात. हे मुखार अकबरूय तुमचेर राज्य करचो ना, औरंगझेबूय करचो ना. तुमी जाका वेंचून दितले तो करतलो.

आनी लोकशाय सारकी चलची म्हूण वेंचणुकांचें एक तंत्र उबें केलें.

उपरांत? आमी आमचे प्रतिनिधी वेंचून दिवपाक लागले.

आमकां दिसलें, सत्या आतां आमच्या हातांत आयली.

खरेपणानशीं सत्या आमच्या हातांत आयल्या व्हय? अणभव कितें सांगता? जाका आमी वेंचून दितात तो वेंचून येतकूच आमचो उरना. लोक 'लोक' उरता, आनी तो 'शाह' जाता. जाय तेन्ना ह्या पंगडांतलो त्या पंगडांत वता, जाय तेन्ना त्या पंगडांतलो ह्या पंगडांत येता. वेंचणुकां उपरांत लोकांक कोण विचारिना. उरफाटें, सरकारी, अर्द-सरकारी चिटणीस, तशे कॉन्स्टेबला पसून इनस्पेक्टरा मेरेनचे सगळे पोलीस, पयलीं वरीच तांचेर आपणाली सत्या चलयत रावतात.

अकबर म्हूण समजून जांकां आमी वेंचून दितात ते जेन्ना औरंगझेब जातात तेन्ना तांकां परते आपोवपाचो हक आमकां ना. परती वेंचणूक येसर तांकां सोंसून घेवचे पडटात.

लोकशायेची बुनयाद घट करपाक दोन गजाली जावंक जाय-

एक, एका पंगडाच्या नांवान वेंचून आयिल्लो दुसऱ्या पंगडांत गेलो जाल्यार ताका मंत्रीपद वा खंयचेंच फायद्याचें पद मेळूंक जायना. आनी-

दोन, तो अकबराचो औरंगझेब जालो जाल्यार ताका सत्येवयलो काडपाक लोकांक पांच वर्सां वाट पळोवंची पडूंक जायना.

प्रतिनिधीक recall करपाचो अधिकार लोकांक मेळूंक जाय.

तिसरी एक गजाल आसा -

सगळींच कामां सरकाराच्या हातांत उरूंक जायनात. सरकाराच्या हातांत आशिल्ल्या कामांतलीं चडांत चड कामां लोकांच्या हातांत येवंक जाय. इल्लीं इल्लीं करून येत रावंक जाय. लोकशायेन लोकांक जशे काय अधिकार थारावन दिल्यात तश्यो तांच्यो कांय लागणुकोय थारावन दिवंक जाय. धरूया, आमकां देव जोडपाचो आसलो आनी भक्तीन तो जोडूं येता आसलो, जाल्यार भक्तिचें काम तूं कर आनी आमकां देव जोडून दी, अशें आमी केन्ना भटाक सांगतात व्हय? आमचे आमी भक्ती केली जाल्यारूच देव आमकां मेळटलो. भट आमकां केन्नाच देव जोडून दिवपाचो ना. तशी, लोकशाय कितलीय बरी राजवट आसली तरूय आमच्या प्रतिनिधीं सुवादीन करून ती सारकी चलपाची ना. प्रतिनिधीं बदला 'लोकां'च्या हातांत राजवट येवंक जाय. लोक आत्म-निर्भर जावंक पावंक जाय.

ह्यो तिनूय गजाली घडून येतल्यो तेन्नाच लोकशाय खऱ्या अर्थान 'लोकशाय' जावंक पावतली. ना जाल्यार-

लोक सदां लोकूच उरतले. तांचे प्रतिनिधी मात 'शाह' जातले.

■■■



तुळशीदास

'तुमी तुळशीदासाच्या रामायणाक (राम-चरित-मानसा) एक बऱ्यांतलें बरें पुस्तक लेखतात. कित्या खातीर तें आमकां केन्ना सारखें समजलें ना. तुळशीदासान बायलांची कितलीशी निंदा केल्या, हें तुमी नकळत व्हय? रामान वालीची हत्या केली तिचेंय ताणें समर्थन केलां, बिभीषणाच्या देश घातकेपणाची तुस्त केल्या. सीतेचेर अन्याय करतल्याक 'अवतार' मानला. असल्या ह्या पुस्तकाक बऱ्यांतलें बरें म्हणपा सारखें तुमकां तातूंत कितें मेळ्ळें? काय तातुंतलें काव्य पळोवन तुमी ताचेर भाळ्ळे? अशें आसत जाल्यार आमकां धीर धरून तुमकां सांगचें पडटलें, तुमकां काव्याचेर उलोवपाचो अधिकार ना.'

वयले सगळे प्रस्न एकल्याच मनशाचे न्हय. वेगळ्या वेगळ्या प्रसंगार वेगळ्या वेगळ्या इश्टांनीं चडांत चड म्हजे कडेन जें म्हळ्ळें ताचो हो आपरोस. म्हजें म्हणणें-

हे भाशेन एक एक गजाल घेवन आमी ह्या पुस्तकाची तर्जणी केली जाल्यार तुळशीदासाचें पुराय रामायण अवगुणांनीं भरिल्लेवरीं आमकां दिसतलें. पुणून, हे भाशेंत खंयच्याय पुस्तकाचे वा खंयच्याय मनशाचे अवगूण आमच्यांनीं दाखोंव येतात. एका चित्रिकान खंय एक खेपे आपणाली टिका करतल्यांक जाप दिवपाच्या उद्देशान आपणालें एक चित्र प्रदर्शनांत दवरलें आनी चित्रा सकयल बरोवन दवरलें, 'ह्या चित्रांत जाका जंय उणें दिसता ताणें थंय निशाण करचें.' परिणामी चित्राच्या सगळ्याच आंगाचेर निशाणां लागलीं. खरेपणानाशीं कलेचे नदरेन मुदल चित्र बऱ्यांतलें बरें आशिल्लें. कांय टिकाकारांनीं वेद, बायबल, कुराणा हांतलींय उणीं काडून दाखयल्यांत खंयच्याय पुस्तकाची कसवटणी करूंक आमी बसतात तेन्ना ताचो पुराय प्रभाव मतींत धरूनच ती करूंक जाय. ही जाली पुस्तकाच्या भायल्या आंगाची कसवटणी. ताच्या भितरल्या आंगाची करताना पुस्तकाचो चडांत चड वाचप्यांचेर कितें परिणाम जाला, हें पळोवन करची पडटा. दोनूय कसवटण्यो तुळशीदासाच्या रामायणाक लायल्यो जाल्यारूय तें बऱ्यांतलें बरें

पुस्तक म्हूण दिसून येतलें. बऱ्यांतलें बरें हाचो अर्थ तातूंत एकूय उणें ना असो न्हय. तुळशीदासाच्या रामायणा संबंदांत इतलें खात्रीन सांगूं येता कीं लाखांनीं लोकांक ताणें धीर, आदार आनी थाकाय दिल्या आनी तितल्याच अस्त्रध्द लोकांक तें स्त्रध्दावंत करूंक पावलां. आयजूय तेज हें काम करता. ताच्या पानां कणकणी भक्ती भरिल्ली दिसून येता. अणभवाच्या ज्ञानाची तर ही एक व्हडली खणूच म्हणूंक जाय.

एक खरें, कांय पातकी आपणाल्या पातकाक तेंको जोडून दिवपा खातीर ताचो आदार घेतात. पुणून हाचे वेल्यान अशें म्हणू येत व्हय की पातकांक आदार जोडून दिवपा खातीरूच लोक तें वाचतात? बायलांचेर तुळशीदासान अन्याय केला हें हांव मान्य करतां. पुणून तो इत्सा नासतना केला अशें म्हण्टां. असल्या गजालींत एकूच म्हणूं येता, तुळशीदासाच्या युगांत ज्यो मान्यतायो चलताल्यो तांचे पेल्यान ताका वचूंक येवंक नाशिल्लें. तुळशीदास सुधारक नाशिल्लो. भक्तां मदलो एक व्हड भक्त-भक्तशिरोमणी आशिल्लो. ताच्या रामायणांतलीं उणीं हीं ताचीं न्हय, तर ताच्या युगाचीं उणीं आशिल्लीं अशें म्हणूंक जाय.

हे परिस्थितींत सुधारकांनीं कितें करचें? तांकां तुळशीदासाचो कांय आदार मेळचो ना? खात्रीन मेळटलो अशें नेट दिवन सांगूं येता. रामचरितमानसांत बायलांची निंदा खूब कडेन आयल्या. पुणून सीतेच्या पवित्र जिविताची वळखूय ताणेंच आमकां करून दिल्या. सीता नाशिल्ली जाल्यार राम खंय आसतलो आशिल्लो? रामाचें यश सीतेचेर निंबून उरलां. सीतेचें रामाचेर निंबून उरूंक ना. कौशल्या, सुमित्रा हिंवूय ह्या पुस्तकांतलीं पुजा करपा सारखीं पात्रां. शबरी आनी अहिल्ल्या हांची भक्ती पळयतकूच कोणाची तकली नमची ना?

रावण राक्षस आशिल्लो. पुणून मंदोदरी एक सती आशिल्ली. असले कितलेशे दाखले हे खणींत आसात. म्हज्या मत्तान ते इतलेंच दाखोवन दितात कीं तुळशीदासान बायलांचीं मुजरत उणी दाखोवंक ना. खरेपणानशीं तो बायलांचो पुजारीच आशिल्लो. ही जाली बायलांविशींची गजाल.

बालीचे हत्ये संबंदांत दोन मत्तां आसूं येतात. पुणून विभीषणांत हांव कसलेंच उणें पळयना. ताणें आपणाल्या भावा आड सत्याग्रह केल्लो. आमच्याच देशांतल्या, आमच्याच राजकर्त्यांच्या अवगुणांकडेन पळयता आसतना दोळे धांपप वा ते लिपोवपाचे यत्न करप हें देशभक्तीचें लक्षण न्हय; उरफाटें देशभक्तीक लजेन मान सकयल घालूंक लावपी गजाल ही, हेंच विभीषणाच्या निमित्त्यान तुळशीदासान आमकां सांगलां. राजकर्ते अवगुणी आसत जाल्यार ताच्या आड वचप हीच खरी देशभक्ती म्हणूंक जाय.

सीतेकडले रामाचे चलणुकेंत निर्दयपणां नांत. राजधर्म आनी घोवाचो मोग हांचे भितरलें द्वंद्व तें एक.

जांच्या मनांत रामायणा संबंदांत प्रामाणीक दुबाव उप्रासून येतात तांकां हांव सुचोवंक सोदतां: ताणी म्हजी वा आनी कोणाची अर्थावणी मोन्यानीं मानून घेंवची न्हय. रामायणांतल्या ज्या वाट्यांचो दुबाव येता ते वांटे सोडून दिवंचे आनी पुस्तक वाचचें. सत्य, अहिंसा सारकेल्या तत्वां आड जें वता तें कितेंच ताणीं मानून घेवंचें न्हय. रामान फटवणी केल्ली म्हूण आमीय ती केल्यार उपकारता अशें मानप हिका विकृती म्हणटात. उरफाटो बोध घेवप जाता. रामा सारकेलो केन्नाच फटवणी करचो ना. हो भावार्त दवरून रामायण वाचूंक जाय. 'सर्वारंभा हि दोषेण धूमेनाग्निरिवावृत्ता.' ह्या न्यायान खंयच्याय पुस्तकांत दोश भरिल्ले आसूं येतात अशें मानप आनी हांयसा भाशेन उदक कडेक काडून दूद घेवप हेंच शाणेंपणाचें. संपूर्ण फक्त एक इश्वरूच आसूं येता, आनी कोण न्हय, कितेंच न्हय, इतलेंच लक्षांत दवरचें.

- महात्मा गांधी

हसना मना है

पुलूच बरो



अल्लाउद्दीनाच्या दिव्यांतलो राकेस गोंयच्या एका मनशा सामकार प्रकट जालो आनी म्हणूंक लागलो,

"खंयचीय इत्सा सांग, हांव ती पुराय करतां."

त्या मनशाक कितें मागूं आनी कितें नाकां अशें जावन गेलें. शेवटाक कांय सुचना जाल्ल्यान ताणें म्हळें, "म्हाका मिरामार ते अमेरिका मेरेन दर्यांतल्यान असो एक पूल बांदून दी जो म्हाका हांगच्यान गाडयेंतल्यान थेट अमेरिकेक व्हरतलो."

ताची ती निरर्थक मागणीं आयकून राकेस बेजार जालो. म्हणूंक लागलो, "आरे, असले म्हारगायेंत येद्या व्हडल्या पुलाक कितलें लोखंड कितलें सिमेंट लागतलें हाची कल्पना आसा तुकां? ताचे परस दुसरें कितेंय सोपें शें माग."

इतले म्हणसर तो मनीस विचार करपा अवस्थेंत पाविल्लो. तकली चलोवन ताणें म्हळें, "तशें जाल्यार म्हाका अशी शक्त दी जिका लागून म्हाका खंयचेय अस्तुरेक पुरायेन समजून घेवंक मेळटलें. ती कसलो विचार करता, कित्याक रडटा कित्याक फुरगट्टा हें कळटकच म्हाका तिका खूश दवरूंक सोपें जातलें."

खीणभर राकेस ओगी रावलो आनी ताणें आपल्या बोटांचेर हिशोब केल्ल्यावरीं बरोच वेळ विचार करीत म्हळें, पुलाची रूंदी कितली जाय म्हण्टालो तूं?

कोंकणी पॉप

भेंकडायता पाय

चली : तूं नासलोय पूण तुका स्वेटर करी
तुजेंच चिंती एकलीं आसलीं बरीं
उगडास येतोच स्वेटर हड्ड्यार धरी
फुगासांवान म्हजे दीस हांव सारी
आनीक रडटालीं धाकटुल्या भुरग्या परी

चलो : हांवूंय पिसो आसां तुज्या रूपान
मारिया चंद्रीण तूं दिसता कुपान
काजार जावंक लिसेंस दीत जाल्यार पापान
धरचोनां, हांव सारको वल्लेन, सुपान
मागीर आसतेलें तूं सदांच म्हज्या गोपान

चली : वालीस तुजीच म्हाका आशा
मोग तुजो करतां हांव खाशा

चलो : व्हडल्यान सांगों नाका पिशा
म्हाकाय मोग तुजो खुशा

चली : वेगींच आमी काजार जावंक जाय
कसलोय वालीस तूं कर उपाय

चलो : काजार जावंक खोशी येता बाय
पूण भेंकडायता तुजो पाय

चली : भिवपाचें वालीस कर तूं थोडें
पळय काय बरें आमचें सोबता जोडें
काजार जातेलीं हांव तुजेच कोडें

चलो : वारें नासतना आमचें चलता व्हडें
पूण पापा तुजो करीत म्हजें मडें

चली : तें तुज्या मनांतलें बिसर वालीस
पापाक म्हज्या तसलो ना मालीस

चलो : वळखतां पापा तुज्रो व्हडलो तालीस
तोंडानूय उलोवंक तो मोठो पालीस
म्हाका मोच्यांक करता तसो करीत पॉलीश

चली : काजार जावंक वालीस जा राजी
खोशी मोडी नाका म्हजी, हांव सांगातीण जातां तुजी
हांव काजाराची सोजी

चली : मोगान दोळ्यांचेर आयल्या साय

चलो : काजार जातोच भायर सोरता वाय,
खोशयेन भोवतालों बांदून टाय
जातोच चौगा भुरग्यांचो पाय

COME HOME TO FRAGRANCE

Flower Valley
BORDA, MARGAO - GOA

Commonwealth Developers present an ode to Lady Flora. CD Flower Valley, a nature lover's delight sits cosily in the tranquil locale of Borda. Architect Bryan Soares has conceived a beautiful cluster of 7 row villas and 54 spacious apartments with every building named after the flowers of the world. Row Houses as Tulips. Apartment Blocks as Primrose, Marigold, Daffodil, Violet, Orchid, Lily, Lavender and Daisy. We've also got renowned landscape designers *Plant Liners* to work on your garden. Come home to fragrance. Come home to CD Flower Valley.

For details and bookings, contact
COMMONWEALTH DEVELOPERS PVT. LTD.
Laxmi Building, Below Cine Lata, Margao. Tel.: (0832)2734090, 2736955 Fax: (0832)2732980 e-mail: kdnaik@cdhomes.com | www.cdhomes.com



जून २००७ चें राशी भविश्य

- ज्योतिषाचार्य राजाबापू बर्वे

आर्थीक येणावळींत वाढ जातली. १५ जुना उप्रांत रविचें फाटबळ लाबतलें. तो मेरेन खंयचेंय पावल उबारताना शाढुरताय बाळगप फायद्याचें थारतलें. एकंदर ह्या म्हयन्यांत ग्रहमान मध्यम स्वरूपाचें आसतलें. राजकीय मळार सहकाऱ्यां वांगडा मतभेद संभवतात. म्हयन्याच्या आरंभाकूच अकस्मात धनलाभ संभवता. लेखक साहित्यकारांक बरे दीस.

राजकीय मळार वक्तृत्वाक मागणी आसतली. म्हत्वाचे सल्ले दिवंचे पडटले. इश्टांच्या सहकार्यान खुपशीं कामां जाग्यार पडटलीं. प्रवासाचे योग आसात. अधिकारांत वाढ जातली. व्हड प्रतिश्ठित लोकां वांगडा वावरप जातलें. घरांत कुटुंबीक सूख व्हडा प्रमाणांत लाभिल्ल्यान मन प्रसन्न उरतलें. हाका लागून पुराय म्हयनो सुखा समाधानान सरतलो.

आवडित्या मनशांकडल्यान पुराय सहकार्य ह्या म्हयन्यांत लाबपाची शक्यताय नासली तरी मन विरूस जावपाचें ना. आर्थिक गुंतवणूक करतना आपलें तेंच खरें करचें न्हय. जाण्ट्यांचो सल्लो घेवप फायदेशीर थारतलो. राजकीय मळावेले प्रयत्न अपेशी थारतले. तरी मन थीर दवरप गरजेचें.

ह्या म्हयन्याक आरंब जातलो तो मौजमजा, पिकनिको हातुंतल्यान. शुक्राचो जाल्लो बदल मैत्रिणिची भेट घडयतलो. पूण मौज मजा करतना परिस्थितिचें भान बाळगप गरजेचें. इश्ट परिवारांतल्या एखाद्याचें वर्तन जरी दुबावाचें लागलें तरी शाढुरताय बाळगप फायद्याचें थारतलें. आपल्या आर्थिक वेव्हाराविशीं कोणा लागीं चर्चा न करपूच बरें. भलायकेची जतनाय घेवची पडटली.

प्रवासा खातीर आपल्या वावराचेर परिणाम जावपाचो ना हाचें भान दवरचें. नोकरी वेवसायांत मानापमानाच्या प्रसंगाक फुडो करचो पडटलो. शुक्र, बुध म्हत्वाचे लाब घडयतले. लेखन, साहित्य, शेअर्स हातुंतल्यान मनासारके आर्थिक लाब जातले. म्हयन्याच्या आरंबाकूच राजकीय लाब संभवतात. येवपी दरेक संधीचो लाब शाढुरतायेन घेवंचो. भलायकी सांबाळची पडटली.

सातवो मंगळ, तिसरो गुरू, भाग्यात रवि धावो बुध आशिल्ल्यान सगळे वाटेन यशांचो पावस पडटलो. राजकीय मळार भाग्य फुलोवपी संधी चलून येतल्यो. आर्थिक येणावळ मोठ्या प्रमाणांत वाडटली. म्हत्वाचें लेखन जातलें. तेन्ना आपलो वेळ स्वप्न रंजनांत घालयनासतना येवपी दरेक संधीचो लाब कसो घेतलो हाचेर लक्ष केंद्रीत करप गरजेचें.

लग्नाचे म्हूर्त
२०(१२.३४,१९.००). २३(११.२७,१९.०१,२१.३४), २४(१९.०१), २५ (११.०५,१२.३५,१९.०१,२१.२६), २७(१९.०२,२१.१८), २८(१०.५४,१२.३६), ३०(१२.३७).

भलायके कडेन केल्ली आडनदर फुडाराक म्हारग पडूं येता. देखून बारीक सारीक गजाल लेगीत सुरवेक गांभिर्यान घेवची पडटली. राशी स्वामी शुक्र हो बुधा वांगडा भाग्यांत आशिल्ल्यान ती एक जमेची गजाल. राजकीय मळार वावुरप्यांक हो म्हयनो तितलोसो फायद्याचो थारचोना. हॉटेल धनी, आनी असल्या वेवसायांत आशिल्ल्यांक आर्थिक येणावळ मोठ्या प्रमाणांत संभवता.

राशींतल्या मंगळाक आनी गुरूक लागून निती नेमाचें कडक पालन करप शक्य जावचेंना देखून आपल्या तत्वांकडेन तडजोड करची पडटली. लोकांमदीं बरी प्रतिमा तयार जाल्ल्याक राजकीय मळार ताचो मोठो फायदो जातलो. राजकीय विरोधकांचेर जैत व्हरतले. लग्ना जुळून येतलीं. भागीदारींत व्हड फायदो संभवता. म्हयन्याचे पयले पंद्रशीत निर्णय घेतना सांबाळचें.

म्हयन्याचे पयले पंद्रशींत मान सन्मानाचे योग संभवतात. तुमचे प्रत्येक प्रस्ताव मान्य जातले. पूण विरोध हो जातलोच. देखून मन थीर दवरून रावप फायद्याचें थारतलें. म्हयन्याच्या आरंबाक जाल्लो शुक्र बदल आडवाटेन पयसो दितलो. मजूर वर्गाक हो म्हयनो खुपूच भाग्याचो आसा. हॉटेल वेवसायांत आशिल्ल्यांकूय समाधानकारक वतलो. भलायकेकडेन आड नदर करची न्हय.

राजकीय मळार वावुरपी लोकांनी ह्या म्हयन्यांत खुपूच शाढुरताय बाळगप गरजेचें. बारीक सारीक गजालींतल्यान तुमचे विशीं गैरसमज जावपाची शक्यताय आसा. ताका लागून नाव इबाडटलें. दर्यांचेर काम करप्यांक सुकाळ. म्हयन्याच्या आरंभाक आनी शेवटाक मंगळ आनी रविच्या फाटबळाक लागून मोठ्या जोमान उदरगत जातली. आर्थिक येणावळ वाडटली. संयम बाळगप गरजेचें.

खंयचेय गजालीचो अतिरेक हो वायटूच. देखून दरेक गजालीचेर नियंत्रण दवरपूच शाणेपणाचें थारतलें. १६ जूना सावन परिस्थितींत अनुकूल बदल घडून येतले. तुमचे विशीं जाल्ले गैरसमज पयस जातले. शेअर्स, वाणिज्य, विमा एजंट, ह्या मळावेल्या लोकांक घसघशीत यश संभवता. वृध्दाश्रम, अनाथाश्रम असल्या सेवाभावी संस्थानी वावर करतल्यांक मानसन्मान लाबतले.

राजकीय मळार आजवेर केल्ले सगळे प्रयत्न राशींतल्या मंगळ, गुरू, बुध, शुक्र हांच्या फाटबळाक लागून फळादीक जातले. बागायतीदारांक तांच्या उत्पन्नाक मोठ्या प्रमाणांत मागणी येतली. जुगार, लॉटरी ह्या माध्यमांतल्यान मोठ्या प्रमाणांत धनलाभ जातलो. शक्तीपरस युक्ती श्रेश्ठ आसता हाचें भान ह्या पुराय म्हयन्यांत बाळगून रावल्यार अशक्य गजाली शक्य जातल्यो.


निकाल लागतकच खऱ्या अर्थान हारतले ते मतदार!
आमदाराची बायल पयशे वाट्टाली खंय!
हय. पूण म्हाका दिल्ली नोट चलचना मरे!
आतांच फटयता. फुडें कितें करतलो देव जाणा! सोरो पसून दिता तो उदक घालून!
सगळीं आस्वासनां पुराय केल्यार फुडले वेंचणुकेक कसलें नवें आस्वासन दितले?

अंतर्मनांतले अंतरंग....

(एक हायली फिलॉसॉफिकल कॉलम)



मनीस कसो व्हांवत वता, आपली स्वताची फिलॅसॉफी विसरत वता ताचें जिवंत उदारण म्हळ्यार हांव.

हांवें म्हजी एक फिलॉसॉफी थारायल्ली आनी तिकाच हाय फिलॉसॉफी मानून हांव सुखान दीस सारतालों.

पूण त्या लगे रहो मुन्नाभायन पुराय देशांत खवदळ केलो आनी हांवेंय म्हळें कोशांत रावपाचे म्हजे फिलॉसॉफीक कांयच अर्थ ना. गांधीगिरी आपणायत जाल्यार म्हजें सोड जगाचें तरी कल्याण जातलें.

जगाच्या कल्याणार्थ कोणाच्यो तरी विभूती अशें हांवें आयकल्लें. त्यो म्हज्योच बी आसत म्हूण हांवें गांधीगिरी आपणायली. पूण ताका लागून जे मनस्ताप भोगले ते सोसपाचे न्हय. गांधीच्या लेगीत सहवासांत दीस काडले आनी शेवटी ताकाच वर्ध्याक सा करून हांव मेकळों जालों.

एक गजाल खरी. हांव म्हजे फिलॉसॉफींतल्यान थोडो काळ भायर सरून गांधीगिरीचें मुक्त जिवीत जियेलों. हे गांधीगिरीक लागून म्हज्यांत एक आत्म विस्वास जागृत जालो. म्हळें म्हजे फिलॉसॉफींत जिका हांव जरी हाय मानीत रावलों तरी आयचे परिस्थितींत तिका जनमानसांत म्हत्व ना. काळाची म्हणात वो लोकांक म्हणात गरज निर्माण जाल्या. लगे रहो मुन्नाभायन ती जागयल्या आनी म्हजी फिलॉसॉफी किंकोंत करपी म्हजे सगळे वांगडी गांधीगिरीन उचंबळीत जाल्यात.

जेन्ना मागणी आसा तेन्नाच, म्हणचे पावस पडटा तेन्नाच बेबकांनी हुडक्यो मारूंक जाय ह्या प्रॅक्टीकल अणभवान हांवेंय म्हजी फिलॉसॉफी खुटयाळ्याक लावन गांधीगिरी वेंगायली. ताचें बरें फळूय दिसूंक लागिल्लें.

समाजांत बदल घडोवन हाडून क्रांती करपाचीं सपनां रंगोवपी म्हजे इश्ट भ्रश्ट लोकांक फुलां भेटयताले. गोवा बचाव अभियानाच्या नांवान गोंयच्या खाची कोनशांनी वचून जागृताय घडयताले.

म्हळें जेपीची संपूर्ण क्रांती ती हीच. गांधी शेवटीं पावलो आमकां. हांवूय तांच्या चक्रांत फारकून म्हजी फिलॉसॉफी विसरलों.

तरनाटचांचें अभियान जाल्यार जाण्टेल्यांचें जागृत गोंयकार. अरविंद भाटीकार, गुरूनाथ केळेकार बी सगळे पेटून उठले. अशें जेन्ना सगळें मना सारकें जुळून येता तेन्ना ती सगळी करणी त्या महात्म्याचीच. तेच पासत म्हजे गांधीगिरीक फाटले कांय म्हयने ओतो आयिल्लो. हांव पुराय गांधी जाल्लों. पंचो आनी माथ्याचे केंस ह्यो दोनूच गजाली सोडीत जाल्यार हांव गांधी न्हय अशें कोणूच म्हणूंक धज नाशिल्लो.

बाबुशान एक झाड माल्लें कितें आनी आमचे गोयचे तरनाटे पेटून उठले कितें, गोवा बचाव अभियान सुरू जालें कितें! सगळेंच अप्रूप म्हळ्यार जाता. तातुंतच गोयच्या पंचायतीच्यो आनी विधानसभेच्योय वेंचणुको जाहीर जाल्यो. हें सगळें मुदयेर थीक कशें जुळून येवंक महात्म्याचो आत्मोच गोंयचेर भोंवाड्यो मारता हाची म्हाका खात्री जाली.

जे लोकांनीं नातरांक पणटुरांक खेळोवपाचें, आपलें जाण्टेपण देव देव करीत घालोवपाचें ते लेगीत आपूण जागृत गोंयकार हाची जाणविकाय जाल्यान रस्त्यार देविल्ले. लोकशक्ती म्हूण एक शक्ती आशिल्ली. ती शक्तीहीण जाल्ली अशें दिसतालें. पूण कितें कोण जाणां नव्या जोमान, नवी शक्ती घेवन सांवार आयिल्लेवरीं मुखार सरली. देवाची करणी आनी नारळांत पाणी हें म्हज्या सारख्या बोंड्याक कोणें सांगपाची गरज नाशिल्ली. म्हळें जालें! गोंयचें भांगर जालें!!

जीव तोडून म्हजी गांधीगिरी सुरू! अरविंद भाटीकार फोन करता, दिलीप, आयज हळदोण्या मिटींग, फाल्यां ताळगांवां मिटींग, परवां कुंभारजुव्यां. भ्रश्ट लोक वेंचणुकेंत उडोवपाचें!

हांव पयलींच फुलगो. तातूंत भाटीकारा सारख्या आय ए एस् अधिकाऱ्यान फुलयतकच रावतां? कानांत वारें गेल्ल्या पाडका भशेन उडक्यो मारीत भाशणां सुरू. हो नाका, तो नाका, हो नाका, तो नाका.

नाकाक आदार म्हण एक पुर्णानंद

च्यारी कडल्यान पद लेगीत बसोवन घेतलें. भांगराळें गोंयाक सोब सारकें. 'नाका नाका नाका नाका संगत नाका असल्या मवाल्यांची संगत नाका.'

· भाशणां करून करून खर्शेलों. तरी नानाकार सोपना. तेन्ना म्हजी काकुळट येवन एका गरीब धाकटच्या मनशान विचाल्लें, 'आरे सभाग्या, हो नाका तो नाका म्हण्टा. जाय कोण तें तरी सांग मरे पापया. तूं रावता? आमी दितात तुकां मतां!'

आयकून हांव चाट पडलों. हो विचार हांवें करूंकच नाशिल्लो. हांण्णीर आसा कळसो आनी गांवांक वळसो. हे मतदार पयशे घेवन मतां मारतात अशें आमी आड्डतात. पूण ते अशेय विचार करतात म्हणपाची म्हाका कल्पना नाशिल्ली.

आमचो पणजे सतीश सोनक आसा ना तर झांशीची राणी पॅट्रेसिया आसा. सांत आंद्रे हांव आसां, हळदोण्या सुश्रूत मार्टीन्स आसा. ताळगांवां ऑस्कार रिबेलोक दवरूंक येता. भाशणां करपी आमचे आसातूच. अमको अमको नाका अशें सांगतनाच तुमचे मुखार आमी पर्याय दवरला. कसलेंच खत नाशिल्ले हे आमचे उमेदवार. दियात तांकां निवडून. धाडात तांकां विधानसभेंत अशें सांगल्यार लोक आयकतले.

पिंपळाच्या रूखा सकयल बस नासतना बुध्दा भशेन म्हजेय तकलेंत उजवाड पडलो. जागृत गोंयकारांक मेळ्ळों, अभियानाक मेळ्ळों, उठ गोंयकारांक उठयले. म्हजे तकलेंतले विचार घसाघसा तांच्या मुखार ओतयले.

म्हजें हरशीं हे लोक आयकच नांत.



पूण हें मात थंड चित्तान आयकलें आनी सगळे खो खो करून हासले. म्हणूंक लागले पिसावला तूं! आमकां नाका ती भानगड. आमी फकत राजकारणांतली घाण पयस करूया. चल, आमचे वांगडा भाशणां करूंक यो!

हांव गोंदळ्ळों. गोंयचो सामान्य मतदार सांगता तें खरें काय हे फुडारी सांगतात तें खरें?

तेन्नाच म्हाकां विश्वजीत राणे मेळ्ळो! तो काँग्रेसीचो हें हांव जाणां आशिल्लों. काँग्रेस हाऊस जें मोडिल्ली बाबरी मशीद दिसतालें तें ताणें चकचयाळ करून उडयल्लें. गरमेंत हांगा थंय भाशणां करून थकतकच थंय वचून एसींत बसून सुसेग घेवंक मेळटालो.

थंयच बशिल्लो आसतना तो आयलो.

ताका म्हळें, तुजे आड ना हांव आं! तूं निवडून येतलोच आनी काँग्रेसचो मंत्री जातलो.

म्हजें आयकून ताणें म्हळें, हांवें काँग्रेस सोडली. हांव वाळपयचो अपक्ष उमेदवार. हांव हांगा आयलां तो जेश्ठ काँग्रेस फुडाऱ्याचो पूत म्हणून!

तो कितें सांगता तें म्हाका बरें कळळें ना. गांधीगिरीक लागून म्हजी फिलॉसॉफी सगजुपाची तांक कमी जाल्ली जांवये.

'म्हणटकच तुवें हें काँग्रेस हाऊस कोणा खातीर बांदलें तर?'

बाबडो जावन म्हजो प्रस्न. तोस तो हांसलो. म्हणूंक लागलो, हिकाच हाय फिलॉसॉफी म्हणटात. ती गांधीगिरी न्हय. गांधीगिरीन पोट भरना. पोट भरतलो जाल्यार आपली फिलॉसॉफी सांबाळूंक जाय.

आनी म्हाका म्हजे फिलॉसॉफिची याद जाली. म्हजी आसली जरी एक अस्सल हाय फिलॉसॉफी.

■■■

- दिलीप बोरकार
आगशी, गोंय
फोन: ९८२२१३६८८५

Italian Chairs

bridge

movie

mono

arco

star

young

Office Furniture

Partitions
•
Modular Workstation
•
Desks
•
Storage
•
Seating

School Furniture

DIN-Ergonomic Standards

Complete range:
Classroom • Library • Staff • Storage • Hostel • Auditorium

Pre-School to University

German Quality

Manufactured under license from VS Furniture, Germany

INFINITI

Infiniti Modules P. Ltd. 51A Pilerne Estate, Bardez, Goa 403 511
Tel (0832)6653333 Fax (0832)2407061 info@impl.biz www.impl.biz

Franchisee **interio**

Pissurlekar Towers, St. Inez, Panjim.
Tel: 5641659 Mobile: 9823050159

PRINTER'S DEVIL

POSTAL LICENCE NO: GR/RNP/GOA/01/2006-08 JUNE : 20

Published & Printed by Dilip Borkar Owner of Bimb Monthly, GSB-3, Housing Board Colony, Porvorim-Goa
& Printed at Shyadri Offset Systems, Khorlim, Goa. Editor : Dilip Borkar